चा. फ्रा. देकोस्ता

जे. बि. मोरायस

598
Acc. No.
2440
H-7Dev
MOR

भारतीय
भासांचे साहित्य
घडोवपी

चा.फ्रा. देकोस्ता

Basti Vaman Shenoy
GOWRI-MADHAV, B.STT GARDENS
THUMBAY - 574 170
BANTWAL

LIBRARY ✦ WORLD KONKANI CENTRE
598
0024470

पुस्तकाचे फाटले वटेन एक शिल्पकृती दिल्या.शिल्पांत तीन जोतिशी बुद्धभगवानाची आवय राणी महामाया हिका पडिल्ल्या सपनाचो अर्थ राजा शुद्धोधनाक सांगतात अशें दाखयलां. शिल्पाचे सकयले वटेन एक बरोवपी तें सांगप बरोवन वेता. भारतांतल्या लेखनकलेची ही अशे तरेची सगळयांत पुर्विल्ली नोंद आसूं ये.
नागार्जुनकोंडा, दुसरो शेकडो, इसवी.
नॅशनल म्याझियम, नवी दिल्ली हांच्या बरेपणान.

भारतीय भासांचे साहित्य घडोवपी

चा. फ्रा. देकोस्ता

With Best Compliments from
Basti Vaman Shenoy
Basti Prakashana
Basti Gardens
Thumbay, Buntwal

बरोवपी

जे. बि. मोरायस

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY

साहित्य अकादेमी

Cha. Fra. DeCosta (चा. फ्रा. देकोस्ता) :
Monograph on Konkani poet and Playwright by J. B. Moraes
Sahitya Akademi, New Delhi (2001) Rs. Twenty Five

© Sahitya Akademi

First Edition : 2001

Published by :
Sahitya Akademi

Head Office :
Rabindra Bhavan, 35, Ferozeshah Road, New Delhi 110 001

Sales Department :
Basement in 'Swati' Mandir Marg, New Delhi 110 001

Regional Offices :
172, M.M.G.S. Marg, Dadar (East), Mumbai 400 014
Jeevan Tara, 23A/44X, Diamond Harbour Road, Calcutta 700 053
C.I.T. Campus, TTTI Post, Taramani, Chennai 600 113
Central College Campus, Dr. Ambedkar Veedhi, Bangalore 560 001

ISBN 81-260-1041-X

मोल : 25.00 रुपया

Typeset by :
J. B. Moraes, 13/Ritz, Convent View CHS, Chembur, Mumbai 400 071

Printed at :
New Age Printing Press, Prabhadevi, Mumbai 400 025

D, JBM 'POI
WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
Acc. No: 598
2H1eO
H-7 Dev
MOR

With Best Compliments from
Basti Vaman Shenoy
Basti Prakashana
Basti Gardens
Thumbay, Buntwal

मांडावळ

अध्याय 1	ल्हानपणाले प्रभाव आनी साधन	1
अध्याय 2	मुंवयंतलीं सुर्विलीं वरसां	7
अध्याय 3	संगीतात्मक कवी	14
अध्याय 4	वेगळीच वाट आपणायल्लो नाटककार	24
अध्याय 5	विंचणार नाटक	35
अध्याय 6	प्रगतिशील पत्रकार	39
अध्याय 7	पदांचीं 'मोतियां'	58
अध्याय 8	लेखक सम्मेळनाचो अध्यक्ष	63
अध्याय 9	हेर कोंकणी वावर	68
अध्याय 10	सनमान-पुरस्कार	70
अध्याय 11	निमाणे दीस आनी मरण	74
अध्याय 12	समारोप	77
	आधारावळ	78

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
598

२०४

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No : 002440

अध्याय 1

ल्हानपणाले प्रभाव आनी साधन

लगभग सत्तर वर्सां आदीं जेदना चार्ल्स फ्रान्सिस देकोस्तान ह्या संसारांत जल्म घेतलो, तो काळ कोंकणिच्या जागृणेचो आनी वाडावळीचो म्हण दुबावाविणे सांगयेत. गोंयांत, मंगळूरांत तशें बोंबयांत कोंकणी साहित्य धारगळ सापान निर्माण जावन आसल्लें तरयी कोंकणी भाशेक साहित्य अकादमिची जांव, भारत सरकाराची जांव, मान्यता लाभोंक आनी सवार वरसांचो काळ राकोंक आसल्लो. भारत ब्रिटिशांखाल कष्टातालें जाल्यार गोंय पुर्तुगेजांच्या मुटींत आसल्लें. पूण गुलामपणांत कष्टोंच्या वेळार लोकाथंय स्वातंत्र्याची तान व्हाडोन येताना तांच्या संस्कृतेची, तांच्या अस्मितायेची जाग तांकां चड जाता. आपल्या मायभाशेंत आपली अभिव्यक्ती उचारूंक भारतवासी चडपडले. कोंकणी लोकयी हाका अपवाद न्हंय. सरकाराथावन कांय प्रोत्साव मेळानातल्लो तरयी - मुख्य जावन गोंय सरकाराथावन - कोंकणी बरयणार आपल्या भाशेंत विविध थरांचें साहित्य रचून तें कोंकणी वाचप्यांथंय पावयतालें. कविता, कादंबरी, लघु कथा, नाटक, प्रवास वृत्तांत, व्यक्ति-चित्रण ह्या आनी हेर साहित्य प्रकारांनी कोंकणी बरयणार आपलें नांव गाजंवक लागलें. मंगळूरांत '*कोंकणी दिवो*' सातोळयान मंगळूरी कोंकणी लोकाक साहित्याचें थरवळ पकवान चाकोंक दिल्लो काळ तो. लुविस मस्करेञ्ञ, आलेस पायस, पेद्रू जुवांव सोज, जुवांव जुजे रेग, सिल्वेस्तर सिनेज आदी बरयणार '*कोंकणी दिव्याच्या*' पानांनी प्रजळल्लो काळ तो. मंगळूरच्या उत्तरांत आमच्या गोंयांत शेणय गोंयबाबान कोंकणी भाशेचेर आनी साहित्याचेर विशेस प्रभाव फांकल्लो काळ तो. शेणय गोंयबाब मुंबयांत आसोनर्या गोंयकारांचेर आपलें व्यक्तित्व आनी वर्चस्व भाव उंचल्या सत्रार घालूंक सकलो. कोंकणी लोकाक आनी तांच्या भाशेक एक असलो फुडारी मेळ्ळो जो आपल्या एकत्र सक्तेन कोंकणी भाशेक उज्वल भविश्याचें सपण दाकंवक पावलो.

चा.फ्रा. देकोस्ता भुरग्यापणाथावन तर्नाटपणाच्या हुंब्रार पावताना, म्हणजे, साधारण 50 वर्सां आदलो काळ, मंगळूरांत कवितेचो काळ म्हणयेत. एकुणिसाव्या शेकड्याच्या निमाण्या आनी विसाव्या शतमानाच्या सुर्वेल्या दशकांनी धार्मिक कविता अधिक सापान वाचूंक मेळटाली जाल्यार, पन्नासाव्या दशकाथावन सामाजिक जागृणेची, मोगाची, निसर्गाची, भावनात्मक कविता चड आनी चड निर्माण जावन आयली. लुविस मस्करेञ्ञान आपल्या ल्हान व्हड कविता '*कोंकणी दिव्याचेर*

छापून उण्या शिकपाच्या लोकाक पासून कवित थंय आकर्शीत केलें. ताचें काव्य नाटक '*आब्रांवाचें यज्ञदान*' जेदना प्रगटलें तेदना कोंकणी साहित्य संसारांत एक रसात्मक वादळ उठलें. साहित्य प्रेमी तशें विमर्शक ह्या कृतियेची प्रशंसा करूंक लागले. वाप पावल लुविस वांतेल, वाप सिल्वेस्तर मिनेज, फेलिक्स पावल नोरोञ, वाप आंतोन जुवांव सोज (मरिदास), जुवांव जुजे रेग, हे त्या काळाचे हेर प्रसिद्ध कवी. पन्नासाव्या दशकांत ह्या कविंची नांवां लोकाच्या जिबेर गोळटालीं.

पन्नासाव्या दशकांत तेग महाकवी गोंयच्या साहित्य दिगंतार प्रजळोंक लागले. कोंकणीच्या काव्य भंडाराक ताणी अपरिमित योगदान दिलें. ते जावनासल्ले बाकिबाब बोरकर, मनोहरराय सरदेसाय आनी र.वी. पंडित. ह्या तेगांयनी धारळ कविता बरयल्यो आनी आपापल्या खासगी शैलेन कोंकणी साहित्य गिरेस्त केलें.

पन्नासाव्या दशकांतल्या हेर साहित्य प्रकारांचेर एक सुकण्या नदर मारची जाल्यार, कादंबरी (नवलकथा) आनी लघुकथा ह्या साहित्य प्रकारांचो प्रभाव चड पडल्लो दिसता. कोंकणींत समाचार पत्रां आनी नेमाळीं व्हाडोन आयिल्ल्या प्रमाणे नवलकथा आनी लघुकथा बरयतेल्यांचो संको व्हाडोन आयलो. मंगळूरांत वी.जे.पी. सालदान्न ('खडाप') ए.टी. लोब आनी जोकीं संतान आल्वारिस - हांच्यो नवलकथा कोंकणी समाजांत गाजल्यो. गाब्रियेल डिसोजा (श्री गव्बू) आनी एडविन डिसोजा ('वासू वालेन्सिया') हे कादंबरिकार सत्तराव्या दशकाथावन कोंकणी साहित्यांत आपलें नांव थिर करूंक पावले. गोंयांत रेजिनाल्ड फेर्नांडीसाच्यो रोमान्स नवलकथा ह्या काळार लोकामोगाळ जाल्यो. वाप आंतोनियो पिरेरान कोंकणी साहित्याच्या विविध प्रकारांनी आपली लेखणी घुंवडायली आनी तें गीरेस्त केलें.

कांय थावन मुंबय पर्यांतल्या करावळी प्रदेशांत विविध जातिंचो कोंकणी लोक सवार शेकड्यांथावन वसती करून आसात. गोंयांत ते अधीक संख्यान आसात तर, गोंयच्या दक्षिणाक लागोन आमच्या कर्नाटकांत गोंयच्या परस चड कोंकणी लोक आसात, प्रमुख जावन करावळीर आमच्या उत्तर आनी दक्षिण कन्नड जिल्ल्यांनी. उत्तर कन्नडांत कारवार, कुमटा, होन्नावर, भटकळ, शिरसी आनी दक्षिण कन्नडांत कुंदापुर, उडुपी आनी मंगळूर शारां कोंकणी लोकाचीं प्रमुख टाणीं जावनासात. कर्नाटकांत उत्तर आनी दक्षिण कन्नडा शिवाय, बेंगळूर, मैसूर तसल्या शारांनींय बऱ्याच संख्यान कोंकणी लोक वसती करून आसात. हांचे मधें मंगळूर शाराक मात्र कोंकणिचें एक प्रमुख केंद्र म्हण आदींथावन प्रसिद्धी मेळ्ळया.

देकोस्ताचो जल्म

ह्या मंगळूर शारांतल्या रुजाय फिरगजेंत 'मार्नमिकाटें' म्हळ्ळया गांवांत 1931 ओक्टोबर 10 तारिकेर चार्ल्स फ्रान्सिस देकोस्ता जलमालो. 'मार्नमिकाटें'

नांव आर्दी 'महानवमिकट्टा' आसल्लें तें कालक्रमान मार्नमिकाटें जालें म्हण जेराल अभिप्राय आसा. डेकोस्ताच्या घराथावन डेड किलोमीटर पैस वोळार म्हळ्ळेकडे मंगळादेवी देवळ आसा. त्याच देवळाच्या आंगणांत देवळांत पुजा करूंक येतल्यांक विश्रांत घेंवच्या खातीर वांधल्लें काटें तें आसल्लें जावयेत. तें कितेंय जांव. वोळारच्या देवळाथावन डेकोस्ताच्या घरलागीं परयांत महानवमी वेळार तेर (रथ) वोडचो दवाजो आसल्लो. व्हडलो जात्रोय जमतालो. हो दवाजो पळेंवक जात-धर्माचो भेद-भाव नासतां हजारों लोक जमो जातालो. भुरग्यांक भारी संतोसाचें दीस ते. चार्ली फ्रान्सिस आनी ताचीं भांवडांय ह्या दवाज्यांत पात्र घेतालीं म्हणच्यांत दुबाव ना.

दुवळें कुटाम तें. वापय सार्वेल डिकोस्ता वृत्तेन सुतारी. वोंवय टेलिफोन कंपनींत सुनाऱ्याचें काम करतालो. आवय मार्था पायस. तिच्या वापायन धुवेक काजार करून दिताना मार्नमिकाटच्यार ताका आसल्लो घर-जागो दोत म्हण दिल्लो खंय. ल्हानशें एक नळ्यांचें घर आनी पाटल्यान एक ल्हान कुळागर आसल्लें. तातूं सात-आट नारला-माड आनी थोडे आंब्या रूक मात्र आसल्ले. घरांत एका वेगळ्याच कुडांत मार्थाचो भाव तोमास पायस आनी तांची आवय रावतालीं. सार्वेलाच्या चोवरां भुरग्यांपयकी चार्ल्स फ्रान्सिस मालघडो. ताच्ये पाटल्यो दोगी भयणी. आग्नेस आनी वेनेदिक्ता (आतां देवाधीन) आनी निमाणो एक भाव विक्टर.

चार्ली तीन वर्सांचो आसताना एक पावटी व्हड पिडेंत सांपडोन कष्टालो. खंच्याय वयजाचें वकात केल्यारयी कांय वरेंपण जालेंना. त्या काळार दाक्तेर कास्मिर सांतीं मंगळुरांत आपल्या आल्या-पाल्यांच्या वकतांक चड प्रसिद्ध जाल्लो, प्रतेक जावन भुरग्यांच्या पिडेंक ताचें वकात बरें चलतालें. ताच्या वकतान भुरग्या चार्लीची पिडा संपूर्ण गूण जाली.

दुर्बळकायेची जीण

चोवरांय भुरगीं भोव दुरबळकायेंत व्हड जाल्लीं. वापायन कुटमाच्या खर्चाक धाडचे पयशे 'पायांक वोडल्यार माथ्याक ना, माथ्याक वोडल्यार पांयांक ना' म्हळ्ळेवरी जावन तें कुटाम कष्टालें. मंगळुरांत त्या काळार भोव थोडीं कुटमां अनकूलवंतां आसल्लीं. वापायचे थोडेच पयशे दोन तीन म्हयन्यांत एक पावटी येतालें. दुसरी कितेंय वाट नासतां सागा सावकारांथावन सुतांच्यो व्हडल्यो सांवळ्यो हाडून चरखोमुखांतर सागांच्या फिरकेंक त्यो रेवडावन सागांसावकारांक पाटीं दिवच्यो आसल्ल्यो. एक फिरकी पुरती रेवडावन दिल्याक एक आणो मेळटालो (एका रुपयाक तेदाळा 16 आणे आसल्ले) घरांत दोन चरखो आसल्ले आनी तांचेर चार्ली, ताची भेण आग्नेस आनी तांची आवय काम करतालीं.

चार्ली पांचवी दर्जा परयांत थंयच लागसार आसल्ल्या करस्मिया सां जुवांव प्राथमिक इस्कोलांत शिकलो. तांच्या घरांत एक शिक्षकी रावताली. ती पयशिल्या गांवची जाल्यान डिकोस्तागेल्यानीं तिका घरांत आसरो दिल्लो. ती सदांय

चार्लीक हाताक धर्न शाळेक व्हरताली. सत्तर वरसां आदीं मंगळूरांत उंचल्या शिकपाक व्हेचें उणें आसल्लें. गिरेस्त कुटमांतले मात्र उंचलें शिकाप जोडूंक कॉलेजींक व्हेताले. चार्लीन आपलें मुळावें शिकाप संपवन मिलार हायस्कूलांत आपलें मॅट्रिक शिक्षण 1947 वरसा संपयलें. ताचे ल्हानपणाचे सांगाती जावनासल्ले स्टॅनी, वाल्लू, रिच्ची, हॅरी आनी जेरोम (प्रसिद्ध संगीतकार जेरोम डिसोजा). चार्ली शिकपांत चड हुशार आसल्लो. क्लासींत पयलें व दुसरें स्थान ताका चुकानातल्लें. पयलें स्थान लाभल्यार ताका खोमसाक शिरकांवक एक पदक मेळटालें. विविध थरांचीं पुस्तकां वाच्चो विशेस आसक्त ताका आसल्ली. हायस्कूलाच्या लायब्रेरींतलीं सवार पुस्तकां ताणे वाचून काडलीं.

ह्याच वेळार कोंकणींत वरंवची उर्वा तांचेथंय उबजाली. पयलें नाटकाथंय ताचें मन वोडलें. ल्हानपणार तुळू भाशेंतले 'यक्षगान' खेळ जे गतिचें शेतांनी करताले, तांचो प्रभाव ताचेर पडलो जावयेत. थोडे कन्नड नाटकयी ताणे पळेले जावयेत. पूण कोंकणी नाटक तवळ भोव अपरूप आसल्ले. नाटकांथंय ताचें आकर्शण उबजोंक प्रतेक कारण कितें जावयेत म्हळळें सांगोंक कष्ट. ताचो मावळो तोमास पायस ताचो सदांचो सांगाती आसोन आपल्या फुरसते वेळार ताका सार्वजनिक सभेंक आनी हेर कारयावळींक आपवन व्हरतालो. तांचे मधें विविध विषयांवयर संवाद चलतालो. चार्लीच्या कोंकणी साहित्याच्या वोडणेक तोमासाचो प्रभावयी कारण आसोंक पुरो. पूण साधारण ताच्या चोवदा-पंद्रा वरसां प्रायेर कोंकणी साहित्याथंय चार्लीची वळण रूपित जावन आयली म्हणयेत.

त्या काळार मंगळूरांत चडावत लोक, प्रमुख जावन क्रिस्तांव लोक, दुबळे आसल्ले. ह्या वातावरणांत व्हाडल्ल्या चार्लीक कमुनिस्माचें वारें आदाळळें आनी तें ताका बरें लागलें. ताच्या घरा लागींच दो. राम होळळाचें घर आसल्लें. तिसाव्या आनी चाळिसाव्या दशकांत जेदना चार्ली इस्कोलांत शिकतालो त्या दिसांनी भारताची स्वातंत्र्य चळवळ भोव ज्योरान चलताली. राम होळळा त्या वठारांतलो एक कमुनिस्त फुडारी जावनासोन भारताच्या स्वातंत्र्य चळवळेंत बुडोन गेल्लो. तो एक बरो भाषणकरपीय जावनासल्लो. चार्लीय मुखल्या वरसांनी कोंकणी, तुळू आनी कन्नडांत एक बरो भाषणकरपी म्हण वळकालो जाल्यार दो. राम होळळाचो प्रभावच ताका कारण म्हण ओपता तो. तशेंच आनयेक कमुनिस्त फुडारी वी.वी. कक्किल्लाय म्हळयान चार्लिचेर प्रभाव घालो. हांच्यो दोगांयच्यो जमाती मंगळूरांत चलताना चार्ली तांतूं हाजर जातालो. ताचो मावळो तोमास पायस चार्लीक ह्या जमातींक चुकानासतां आपवन व्हरतालो. मागा कामेलिंच्या संघटनांत सुडसुडीत आसल्ल्या तोमास पायसाक कमुनिस्त फुडाऱ्यांचें दाव्या पंगतिचें चिंताप रूचतालें आनी तांचो प्रभाव ताचेर आनी ताचो भाचो जावनासच्या चार्लीचेरयी पडलो. तांची दुबळीकाय असल्या चिंतपाक ईट जांवक पावली. दाव्या पंथाचें चिंतप चार्लिच्या तऱ्ऱ्या काळजांत रेवोन व्हेताना आनयेका वाटेन ताचें साहित्य-साधनयी वोरेवन आयलें. कमुनिस्तांचें मुख-पत्र '*जनयुग*' तो

मराग वाचतालो.

पयलो नाटक

पंद्रा वर्सां प्रायेर चार्लीन आपलो पयलो नाटक बरयलो - *'निष्ठूर बोत्ल'*. आपल्या समाजेंत चड दुर्बळकाय आसोनयी आमाल पियोण्याचें वायट व्हाडोन येवचें आनी नाचेरर्वी कितलिशीं कुटमां देस्वाट जांवचीं ताणे पळेलीं आनी ताच्या पयल्या नाटकाचो विषय सहज जावन ताणे आमाल पियोण्याचो विंचलो.

नाटक बरवन जालो, पूण तो मांचियेर हाडचो कसो? खंच्याय सालांत मांचयेर हाडची शाथी ताका नातल्ली. ताचे मदांचे सांगाती जावनासल्ल्या स्टेनीक आनी वाल्लूक ताणे एक दीस आपली समस्या सांगली. सवार विचार अदल-बदल जातनच चार्लीन एक सूचन दिलें - आमच्याच उगत्या सोप्यार (वोल्कावांत) किल्याक करूंक नजो? हें सूचन सगळयांक बरें दिसलें आनी तक्षण तयाराय सुरू जाली. नाटकाची तर्वेती एका वाटेन चलताना, मांचियेर गरज पडच्यो वस्तू तलास करूंक हेर थोडे धांवले. शेजारच्या स्टॉनीन आपल्या आवयची साडी आनी पांगरची वोल पडद्यांखातीर हाडली. एका सांजेर नाटक उबो जालोच. शेजारच्या सात-आट घरचीं साधारण 50 जणां नाटक पळेंवक आयिल्लीं. तांकां बसोंक आंगणांत मांदऱ्यो घाल्ल्यो. चार्लीनयी नाटकांत पात्र घेतल्लो. नाटक सगळयांक बरें रुचलो. उपरांत सात-आट म्हयन्यांनी चार्लीन आनयेक नाटक बरवन स्टेनिच्या घराच्या सोप्यार खेळोन दाकयलो. तांतूं देव, देवचार, आंज भोडवं, पादरी, ब्रदर, इत्यादी आसल्ले. स्टेनी देवचाराचो पात्र आनी चार्ली ब्रदराचो पात्र खेळळे. चार्लीची भैण आग्नेस, आपणाक आंज भोडव्याचो पात्र मेळळो म्हण संतोसान नाचलें. स्टेनिच्या आवयन कंतारां शिकयलीं. तानलें एक कंतार *'देव ना, देवचार ना'* आसपासच्या भुरग्यांमधें भोव लोकामोगाळ जालें आनी मार्गार व्हेताना भुर्गें हें कंतार व्हडल्यान गायताले. हो नाटकयी पळेल्ल्यांक बरो लागलो. ह्या नाटकाचें नांव उपलब्ध ना. *'बेळयाचो गूण बियाचेरच कळटा'* म्हळें सांगणेवरी चार्लीची उपरांतली साहितीक शाथी आतांच कळोन आयल्ली.

आपल्या दुर्बळकायेंत तरयी विनोद देखोन हासोंक तो शिकल्लो. एक पावटी त्यांच्या सयऱ्यांगेर भुरग्याक वाप्तीज्म (नामकरण) दिंवचो समारंभ आसल्लो. चार्लीच्या आवयन चार्लीक आपवन "पुता चार्ली वयल्याघरा वाप्तिज्माचो संभ्रम आसा. म्हाका येंवक जायना. भुरग्याक काणीक म्हण एक रुपय दितां तो बाळशाक दी आनी ताका वेसांव दीवन ये." म्हणोन धाडलो.

चार्ली सयऱ्यांगेर पावताना घरभर सयरीं भरल्यांत. तांच्या हातांनी भुरग्याक काणीक दींवक व्हडल्यो व्हडल्यो पोटल्यो आसल्ल्यो. त्या घरचीं आनी आयल्लीं सयरीं आस्पतदार मनशां. तांचे मुखार चार्लीक एक रुपय बाळशाक दींवक लज दिसली. बाळशाक पाळण्यांत दवरिल्लें. त्या पाळण्याच्या भंवतीं ताणे भोंवाडे काडले. हेरांची दीष्ट आपणाचेर ना म्हळें खचित कर्न ताणें आपल्या हातांत

आसल्लों रुपय पाळण्याभितर एका कोनशाक लांब गळयलों आनी घरा आयलों. हो गजाल ताच्या भुरग्या-मनाक भारीच विनोदाची दिसली. घरा येवन आवयकडे आनी भांवडांकडें आपणें एक रुपय पाळण्यांत कसो घालो म्हण हांसोन हांसोन सांगताना तांकांय भरपूर हासो आयल्यो.

❑

अध्याय 2

मुंबयंतलीं सुर्विलीं वरसां

मुंबंयत टॅलिफोन कंपनिंत सुतार्‍याची नौकरी कर्न आसल्ल्या मार्सेल डिकोस्ताक मंगळुरांत चोवरां भुर्गीं आसल्लें व्हडलें कुटाम सांबाळूंक कष्ट मार्ले. पोट भरचें कष्टांचें जालें. मुंबयांत तशें मंगळुरांत दोन घरांची जवाबदारी सांबाळचें वाजें ताका जड जालें. जायतें चिंतून, आटवून आनी लागशिल्यांची सल्ला घेतल्या उपरांत मार्सेल डिकोस्तान मंगळुरांतलें आपलें घरदार सगळें विकून मुंबय वस्ती करचो निर्धार घेतलो. त्या प्रमाणें, ताणें बायलेक चीट बरयली. तांकांय तें सारकें दिसलें. 1948 माय म्हयन्याच्या 1 तारिकेर, सवार दशकांथावन आपल्या मायगांवांत वस्ती कर्न थंयच्या ग्रामीण वातावरणांत व्हाडोन आयल्लें तें कुटाम आपलीं पाळां तुटवून मुंबयच्या अनवळखी थळार आपलो बरो फुडार सोधून आयलें. पूण डिकोस्तान आदेश दिल्ल्या प्रकार घरदार ताणीं विकलेंना. चार्लीची आजी म्हणाली की एकादावेळा बोंबयथावन पाटीं येंवक पडलें तर हांगाय बिडार आसचेंना म्हण तिणें जागवण सांगली. '*साबर्मती*' तारवार बसोन आवय मार्था आनी तिचीं चोवरां भुर्गीं '*बोंबय सर्गार*' आपलो फुडार रुता करूंक मजगांव डाकांत येवून पावलीं. थंयसर तांका एक आघात राकोन आसल्लो. मार्सेल डिकोस्ता तांकां सुखार काणघेंवक आयल्लो खरें पूण आपल्या कुटमाच्या वस्तेचो टिकाणो ताणें तयार करूंक नातल्लो. घोवाचेर भरवसो दवर्न आयल्ल्या मार्थाक आनी ताच्या भुरग्यांक मळाव कोसाळळ्ल्यावरी जालें. मार्सेलाक तेदना वायकालालागीं 'सात रस्त्यार' (मुंबयंत सात मार्गांक सांगता मेळचो एक जागो) आसच्या एका इष्टाचो उडास आयलो आनी बायलें भुरग्यांक काणघेवन तो थंय धांवलो आनी मुंबयांतली पयली रात त्या कुटमान अनिश्चित भविश्याक तोंड दीवन पाशार केली. दुसरे दिसा तांका माहिम वठारांत एक कोठरी मेळ्ळी थंयसर तीं एक वरसभर रावतच बांदऱ्यां गेलीं. थंय स म्हयनें रावल्या उपरांत मध्य बोंबयंत 'मदनपुर' म्हळ्ळेकडे खायाम वस्ती करूंक आयलीं.

19व्या शेकड्याच्या निमाण्या आनी 20व्या शेकड्याच्या सुर्वेल्या दशकांनी मंगळूर आनी गोंयांथावन शिकर्पी तशें अशिकर्पी भुरगें पोटाचो ग्रास सोधून मुंबय शाराक पावले. थोडे कुटमां समेत आयले जाल्यार अर्धाक संख्यान ते एकसुरे आयले. आयिल्ल्या सगळ्यांनी एकामेकाचो सांगात सोदलो. भाशेच्या एकाच बांधान ते एकवटले. कुटमा समेत आयिल्ली आपल्या सयऱ्यांभितरली

एक दोन कुटमां मेळून तांचे सांगाता एक ल्हान 'कोटरी' करून रावलीं तर, एकसुरे तर्नाटे हेरां तर्नाट्यां सांगाता मेळोन 'कुडां' व 'क्लब्बां' घडून रावले. 30-40 जण एकेका कुडांत रावताले. मुंबयच्या, प्रमुख जावन गिरगांव, धोबितलाव, नागपाडा, बायकाला, बांद्र्यां ह्या वाठारांनी असलीं कुडां चड आसलीं. असल्या वसतेंनी खर्च उणो आसोन काम नासतां बेकार आसल्ल्यांकयी काम मेळटा पर्यांत दीस सारूंक जाताले.

असल्या कष्टांच्या परिस्थितींत सार्रेल डिकोस्ताचें कुटाम मुंबयांत वसती करूंक लागलें. चार्ल्स फ्रान्सिसाक तेदाळा 17 वरसां पिराय. एदोळ पर्यांत सुप्त आसल्ली ताची साहितिक तान आतां रूपित जावन दिशा सोधूंक लागली.

एदोळयी परिपिकायेच्या आनी कानूनी पिरायेच्या हंताक पावानातल्ल्या चार्ल्स फ्रान्सिसाक सुलभायेन काम मेळोंकना. सवार म्हयने भोंवल्या उपरांत 1948 वरसाच्या आकेरीक चुनाव आयोग (इलेक्षन कमिशन) कचेरींत ताका 120 रुपय पागाचें काम मेळळें. तवळ भारताक स्वातंत्र मेळोन एक वरस जाल्लें पूण देशाची घडनावळ तयार जांवक नातल्ली. चुनावाची तयारी करच्या खातीर फावोती बुन्याद घालूंक रेग्रो आनी कायदे तयार करूंक आसल्ले; मतदारांची पट्टी तयार करूंक आसल्ली. असल्या चुनाव आयोगाच्या कचेरींत चार्लीक क्लार्काचें काम मेळळें. लगभग दोन वरसां थंय काम करतच ताणे ती नौकरी सोडली आनी बी.ई.एस.टी. ('बेस्ट') म्हळळया मुंबयच्या प्रसिद्ध बीज आनी बस सेवा संस्थ्याच्या ग्राहक विभागांत तो कामाक भरती जालो.

ताच्यो भयणी बेनेदिक्ता आनी आरनेस हाणींय कुटमाच्या आधाराखातीर मुंबयंत ल्हान ल्हान कामां केलीं. 1952 वरसा देकोस्ताची आवय आनी 1971 वरसा ताचो बापय मुंबयंत मरण पावलीं. 1958 इसवेंत ताची भैण आरनेसाचें काजार जालें आनी ती आपल्या घोवाच्या घरा कोटनग्रीन म्हळळेकडे वसती करूंक गेल्या वेळार तोयी तागेर एक वरसभर रावलो. ताचे उपरांत धा वरसां (1968 पर्यांत) आपलो भुरग्यापणाचो मित्र स्टेनी डिसोजा सांगाता मुंबय सायन-कोळीवाडा रावलो. ताचो धाकटो भाव विक्टर तांत्रीक शिक्षणांत हुशार आसल्लो. 1965 वरसा ताका जर्मनीक व्हेचो अवकास लाभलो. थंय उंचलें तांत्रिक शिक्षण जोडटच ताका बरें काम मेळळें आनी जर्मन चलियेलागीं काजार जावन थंयच वसती करून आसा. आपल्या व्हडल्या भावाच्या कोंकणी वावराथंय ताका विशेस आसक्त नातल्ली. पूण तो आपली मायभास कोंकणी विसरलोना. केदनांय भारताक आयलो जाल्यार आपुट कोंकणी उलयता.

देकोस्ताची प्रकाशित जाल्ली पयली साहितिक कृती '*मेल्लें*' लघू कादंबरी मंगळूरांत 1954 वरसा प्रकट जाल्ली. एक स्त्री मानसिक पिडेक बळी जावन वळवळटाना तिका 'मेल्लें लागलां' म्हण मंत्रवादींकर्नी नाना थरांचे कष्ट दरद दिंवचे - असल्या फितिस्पणांचेर ह्या कृतियेंत उज्वाड घाला.

1952 वरसा महाराष्ट्र सरकारान कोंकणीच्या उदरगतेखातीर एक वळाधीक

सेट काडलें. पुरुशोत्तम मंगेश लाड नांवाच्या एका कोंकणी सांगी सरकारी अधिकाऱ्याच्या सतत प्रयतनावर्वी त्या वरसा 'ऑल इंडिया रेडियोंत' (आकाशवाणी) पयलेपावटी कोंकणी कार्यक्रम सुरु जालें. मुंवयांत सुरु जाल्ल्या ह्या कोंकणी विभागाचो पयलो मुखेल जावनासल्लो गोंयचो विष्णु नायक. ताचो सहायक आसल्लो ब्रगांजा - हे दोगच जण कोंकणी विभागांत काम करताले पुण तांच्या उम्हेदीन वेगींच कोंकणी कार्यावळी लोकामोगाळ जाल्यो. सवार फुलते साहिती आनी कलाकार आपल्या देण्यांवर्वी उज्वाडाक आयले. दोनच नांवां सांगचीं तर, जेरोम डिसोजा आनी आलफ्रेड रोज आपल्या मधुर संगीताच्या देण्यांनी आकाशवाणिच्या माध्यमाद्वारीं प्रसिद्धी जोडूंक पावले.

रेडियोचेर पयली कविता

'ऑल इंडिया रेडियोचें' दफ्तर चर्चगेट स्टेशनालागीं आसच्या केंद्र सरकारी दफ्तरांच्या बांदपांत आसल्लें. ह्याच सरकारी दफ्तरांत देकोस्ताचो मित्र आपोलिन पिंटो काम करतालो. ताका विष्णु नायकाची वळक आसल्ली. पिंटोन ताका देकोस्ताची वळक करन दिली. कोंकणी साहित्यांत वरीच आसक्त आसल्ल्या विष्णु नायकाक देकोस्ताच्या शाथेची वळक मेळोंक चड वेळ गेलोना. रेडियोखातीर कविता वरंवक देकोस्ताक ताणे प्रेरण दिलें. ह्या प्रेरणान ताणे *'स्वप्णांतुलें राज'* नांवाची कविता वरवन 1952 वरसा रेडियोचेर प्रसारित केली. ती प्रसारित जाल्लीच एक नवें नेकेत्र कोंकणी साहित्याच्या दिगंतार उदेलें म्हण कोंकणी लोकाक भोगलें. कोंकणी लोक केरळ, कर्नाटक, गोंय आनी महाराष्ट्र ह्या राज्यांनी विशेस मापान वसती करन आसात आनी कोंकणीची अधिकृत लिपी देवनागरी तरयी चारित्रिक निर्बंधाक लागोन गोंयांत देवनागरी आनी रोमन, कर्नाटकांत कन्नड आनी केरळांत मल्याळम लिपिनी वरयतात. पूण उलंवच्या भाशेक असली वंदड ना. रेडियो प्रसारण केरळाथावन महाराष्ट्र परयांत सर्व कोंकणी लोक आयकातात आनी ताचें रसग्रहण करतात. अशें, एदोळ परयांत फकत मंगळूरी लोकाक परिचित आसल्लो देकोस्ता आतां रेडियोंत प्रसारित केल्ल्या आपल्या पयल्या कविते मारिफात सगळ्या कोंकणी लोकाक वळकिचो जालो. हें आमी विसरोंक फावो ना की मुंवयांत भारताच्या हरयेक प्रदेशाथावन आयिल्ले कोंकणी लोक वसती करन आसात. कोंकणी रेडियो कार्यक्रमां ते चड आसक्तीन आनी अभिमानान आयकाताले कित्याक, हें माध्यम तांकां नवेंच आनी आकर्शक लागलें. मुंवयांत आनी गोंयांत देकोस्ताची ही कविता छापली आनी ताची विशेस तारिखणाय केली. तवळ कोंकणी लोकाचो एकमात्र प्रातिनिधिक संस्था जावन मुंबयंत कोंकणी भाषा मंडळ आसल्ली आनी तांचें मुखपत्र *'साद'*, डॉ. मनोहरराय सरदेसायच्या संपादकपणाखाल चलतालें. त्याच वरसा ही कविता तांतूं छापली. पयशिल्या वर्सांत सेत, जंयसर

कोंकणी फुडारी रवींद्र केळेकर, *'मीरा'* नांवाचें नेमाळें चलयतालो - ताणें ह्या प्रतिभावंत नव्या कविची कविता छापली. प्रख्यात कोंकणी-मराठी कवी बाकिबाब बोरकर तेदना पुणेंत *'प्रजेचो आवाज'* नेमाळें चलयतालो. ताणेंय ही कविता छापली. उपरांत गोंयच्या *'गोमंत भारती'* आनी *'उदेंतिचें नेकेत्र'* ह्या नेमाळ्यांनीयी ती छापली.

'स्वपणांतुलें राज' ह्या कवितेंत कवी निसर्गाचें वर्णन उंचल्या काव्याळ सब्दांनी करताना ताची कल्पनां आनी तळमळ भोव मार्मिक उत्रांनी तो पिंत्रायता. कवी आपल्या भावनांक सपणांचें रूप दीवन तांकां स्वातंत्र्य दिता. संसाराच्या वास्तविक परिस्थितीथावन पैस धावोंक पळेंवच्या कवीक सपणांतली राणी तिरस्कार करता आनी "संसारांतल्या मनशांक पयलें मनशापण शिकय" म्हण ताका पाटीं पृथ्वेक लोट्टा. अशें, कविचें सपणांतलें राज कोसाळटा. देकोस्ताच्या उपरांतल्या कवितेंनी उमाळोन येंवक आसल्लें संगीत वऱ्याच मापान ह्या कवितेंत दिश्टीक पडटा. गोंयांत रूढीर आसचे सवार सब्द ह्या कवितेंत वाचूंक मेळटात. विष्णु नायकान ती कविता वाचून थोडी दुरुस्ती आनी वृद्धी केल्या जावयेत. काव्य-संसारांत ह्या तऱ्हाच्या कवीक उज्वल भविश्य राकोन आसा म्हळें सगळ्यांक स्पष्ट जालें. *'स्वपणांतुलें राज'* कवितेचे पयलेंचे दोन आनी निमाणे दोन वेर्स हांगा दिल्यात:

सावळ्यां शेतां वोळीं, वोडा रुका मुळीं
कोवळोन आसतां नेत्रावती व्हाळत सुळसुळीं
सकाळींच्या सुरयान सकाळ चोवूंक नातलो
निद्रा जागोंवक ताची कोंब्यान साद घातलो
कोनशांतल्या कोगळी बाये पेंप्रें तुजें व्हाज
मन म्हजें जालां कालुबुलें आज-
पळान पळ मतीक वेता स्वपणांतुलें राज!
बाळ किर्णांन नेटंवक तें तनें तनें फांतें
सुरया तोंड धुंवलें - जसें धुंवत दांतें
तेदना अंत्रळींक पडल्यो धारी; देवल्यो सुंदर नारी
झळक न्हेसोन आंगावेरी देंवल्यो हारिन हारी
गाजलो आवाज गाजता जसी दरयांतुली गाज -
काळीज म्हजें कावजेवन जालें वोलें वोलें आज;
मती सामकार दिसलें सुंदर स्वपणांतुलें राज

* * * * * *

भोंवतां भोंवतां सुरयो थकोन धरणी उशार निदलो;
रुकां इड्यांत तकली काडून चंद्रेम शेतार सोबलो
राणियेन म्हज्या वोडून म्हाका हाता पायान वेंगलें;
उबेंत ताच्या कडोन हांवें गाला बोटांक चुंबलें

"हाय स्वप्णांतुलें राज आमी आपलें केलें आज;
संतोसाच्या नितळ झरीन म्हेळें धुलें आज;
आनी तुजें आनी म्हजें मोगा स्वपणांतुलें राज!"
तेदना धरणी हासली; चंद्रेम लजलो रूक बावले
राणयेन लोटलो भुमीक म्हाका उबारून दावले
"थू! स्वार्थी सुण्या! काळीज तृप्तेंत पिकय;
भुमी वयल्या मनशा किड्यांक मनशापण शिकय
मागीर भेटतां मनशा रुपार - तुका नहीं हें राज"
म्हळें ताणे रडण्यांक म्हज्या - नाश जालें आज,
स्वपणांतुलें स्वपणांत उरलें "स्वपणांतुलें राज!"

ह्या पयल्या कवितें उपरांत देकोस्ताचें नांव रेडियोचेर गाजलें. काव्य रसिक ताच्या कविता प्रसारणाक राकोन रावले. पुण ताची सर्ती परतें येजाय जाल्यार उण्यान उणे तीन म्हयने तरी लागताले.

असलीं संगीतान आनी सब्दांच्या मांत्रिकतेन भरल्लीं ताचीं कावयां आयकोन कितलेशे तरूण कवी प्रेरित जाल्यात. ताचें काव्य-वाचन एक दोन पावटी ह्या वरयणारानचीं आयकाल्लां आनी तो मुग्ध जाला. तोयी देकोस्ताथावन प्रेरण जोडून 1961 वरसाथावन रेडियोचेर कोंकणी कार्यक्रमां दीवक लागलो. अशेंच हेर कोंकणी कवी आनी साहित्तींनी ताचेथावन स्फूर्ती जोडल्या आसयेत. कोंकणी विभागाचो मुखेली जावनासल्ल्या विष्णू नायकान देकोस्ताची सहज प्रतिभा वळखोन ताका चड आनी चड उत्तेजन दिलें तरी देकोस्ता वेळाकाळाच्या निर्बंधांक सैंवान विरोध जाल्ल्यान नायकान अपेक्षिल्लीं कविता वाचनां तो दीवक सकलोना. सबार पावटी रेडियो कॉंट्रेक्ट आयल्या उपरांत तो आपल्यो कविता वरयतालो व कॉंट्रेक्ट कोनशांत दवरतालो. तरी उपरांतल्या वरसांनी देकोस्तान सुमार 15 रेडियो प्रसारणां दिलीं. पन्नासाव्या आनी साटाव्या दशकांत ताणें धारगळ कावयां वरयलीं तरी तीं पुस्तका रुपार उज्वाडांवचें चिंतप ताच्या सर्तीक आयलेंना. तो मोरच्या साधारण पांच वरसां आदीं ताचो कविता संग्रह उज्वाडांवच्या विशीं गोंयांत उलवप चलताना ताच्या साहित्याभिमानींनी ताचेलागीं हो प्रस्ताव काडल्ल्या वेळार आपणाच्योच कविता आपणालागीं नांत म्हण देकोस्ता खंत उचारिलागलो. आपलो कविता-संग्रह छापूंक तो कांय आसक्त नातल्ल्यावरी भुजां हालवन म्हणटालो "आयकाल्लें या वाचल्लें घडयेन विसरोन सोडच्या आमच्या लोकाच्या स्वभावावर्वीं हांवें कविता जगोवन कितें फायदो?"

लुविस मस्करेन्हाचो प्रख्यात काव्य-नाटक '*आब्रांवचें यज्ञदान*' आपणे पयले पावटी खंय आनी कसो वाचलो म्हळें तो अशें सांगता:

"(पन्नासाव्या दशकांतल्या) त्या दिसा सांजेर रवींद्र केळेकाराक मेळूंक आनयेक वरनाड आयल्लो. तो मागीर म्हजो ईष्ट जालो. श्री एवाग्र जोर्ज पुडूतुरलाच्या जयलांनी कुसोन जाणां. साहित्य आनी कविता ताका कितली वरगात तें त्या

वेळीं तर हांव नेणांच. रवींद्रबाबान गोवेतांतली गुलोबी फोरर्ची एक ल्हान कडतील भायर काडली.

'म्हाका हे वाचूंक येना. तुवें आमकां दोगांकयी वाचून सांगजे' म्हणालो तो. आनी मागीर ताका हेरांनी दिल्ली लुविस मस्करेञाची तारीप आमातशी सांगालागलों. म्हाका लजयी दिसली. '*आव्रांवचें यज्ञदान*' काव्य-नाटकाची भोव पोरनी एक प्रती म्हज्या हातांत आसल्ली. हांव ती एदोळ वाचून नेणा. खरें म्हळयार, सोळा वरसांचे पिरायेर वोंवय आयल्लों. कोडियाळच्या जेप्पूंत जलमलां, मिलार इस्कोलांत शिकाप केलां तरयी लु.म.च्या (लुविस मस्करेञ) मल्लिकाट्याक पाय दवरून नेणा आसल्लों. कांदडी लिपीथंय परकी आसल्ल्या त्या दोगांय मनशांक हांवें खरी गजाल सांगली आनी वाचूंक सुरू केलें. साधारण मदें पावताना, आनी आव्रांव आपल्या पुताक कातरूंक कंपताना लु.म.चीं अचरयांनी भरल्लीं उतरां म्हज्या तोंडांतून गाजतालीं. कित्याक कविता वाचांत हांव कांय अस्कत नहय.

तुवें ल्हानव्हड केल्लें वोकडेचें पील सैतयी
कातरताना मुटीभितर कांपत कोयती

लुविस मस्करेञ म्हज्या हातांत कांपतालो म्हणू? या त्या क्रूर साक्रिफिसाच्या तळमळयांनी म्हजे हात कांपताले म्हणूं?

रवींद्रबाबाचे दोळे वोले जाल्ले. हांवें वाचप आकेर करताना, पुड्तुगलाच्या दांड्यांक बागवानातल्लो शूरशिपाय , एवाग्र जोर्ज, कडोन मेण जाल्लो."

'चा.फ्रा.' लेखणे-नांव

मराठी साहित्यांत पु.ल. देशपांडेचें '*पुल*' लिखणे-नांव कितलें प्रसिद्धगी तितलेंच कोंकणी साहित्यांत '*चाफ्रा*' लिखणे नांव प्रसिद्ध जालां. हें नांव केदाळा थावन रूढीर आयलें तें सांगोंक असाध्य. पुण तें कशें सुरु जालें म्हळळें सांगोंक कष्ट नांत. चाफ्राचें पुरतें नांव जावनासा चार्ल्स फ्रान्सिस देकोस्ता. हें पुरतें नांव बरयनास्तां तो आपल्या कृतियांच्या आकेरीक '*चा. फ्रा. देकोस्ता*' अशें बरयतालो. लोकानयी *चा.फ्रा. देकोस्ता* म्हण लांबायेन आपंवच्या बदलाक सुलभायेखातीर ताका '*चाफ्रा*' म्हण आपंवक सुरु केलें. क्रमेण देकोस्ताकयी हें बरें लागलें आनी ताणेंय आपल्या बरपांचो रचणार '*चाफ्रा*' म्हण दरेंवक सुरु केलें. अशें लोकान दिल्लें नांव ताणे विशेस अभिरुचीन आपणायलें. थोड्याच तेंपाभितर '*चाफ्रा*' लिखणेनांव म्हंयींच मंगळूरांत, दरार गोंय, महाराष्ट्र आनी केरळांत पर्यांत लोकामोगाळ जालें. उपरांत मोरता पर्यांत तो सर्व कोंकणी लोकाक '*चाफ्रा*' जावनच उरलो. '*चाफ्रा*' लिखणे-नांवा शिवाय तो '*शनिकुमार*' आनी अपरूप, '*बळवंत वेळकार*' नांवानयी बरयतालो. तरयी '*चाफ्रा*' म्हळळें नांव कोंकणी साहित्यांत अमर जालां. ह्या पुस्तकांतयी हेंच लिखणे-नांव गरजे प्रमाणे वापरलां. आपलें कुटमा-नांव 'डिकोस्ता' आसल्लें ताणे 'देकोस्ता' केलें आनी मोरपर्यांत तशेंच वापरलें.

ताच्या पथाच्या चितनाथंय देकोंस्ताक आसल्ली अनुभूती ताच्या कृतियानीं, मुख्य जावन, ताच्या नाटकांनीं झळकाता. दृष्टांताक, ताच्या थोड्या नाटकांतल्या संवादाचे कुडके पळेल्यार कळटा. *"मत मागचें गत आधार नातल्ल्यांनी. मत मांगोंच्चे चार काम आसल्ल्यांनी." ('मागिरचें मागीर'). "संसार सगळो चोरता मांगोनी. करंड्यातलें आंगांवण चोरतात. कुडिंतली सोवाय चोरतात. मतिंतलें समाधान चोरतात. वेंकांतलें वांगार चोरतात, पेल्याची मरयाद चोरतात, तोंडाची उंडी परयांत चोरतात. पूण ताका कोणयी चोरलें म्हणानांत" ('मागिरचें मागीर'). "भांडवलशाहिच्या फसवणेन कामागारांच्या दोळयांक मांडल्ली साय म्हळयार मोग." ('नवें नवें मोर्ने'). "तुजे प्रायेर हांवें मोग केल्लो एक वशी पेजेचो आनी नातन्याच्या आंविलाचो" "हांगा तुमी बांध केल्यात खंय गांव लासूंक. तुमी हांगा कायदे केल्यात दुबळयांक नासूंक आनी श्रेस्तांची पोटां पोसूंक"('सुणे माजार हासता').*

❑

अध्याय 3

संगीतात्मक कवी

1985 वर्सा गोंयच्या कुडचडे गांवांत जाल्ल्या लेखक सम्मेळनांत एक कवी गोश्ट चल्ली, तांतू चाफ्रानयी आपली कविता वाचली. पयली कविता वाचतच दुसरी कविता ताणे वाचूंक धरली. ती कविता जावनासल्ली सगळे आयकोपी रसिक आतुरायेन राकोन रावल्ली '*हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत / तुजें म्हजें उतार जालां काजच्या मळयांत.*' तवळच्या वरसांनी सवाराशा कवी सम्मेळनांनी वाचून लोकामोगाळ जाल्ली कविता ती. जशें पन्नास वरसां आदीं हिंदी कवी हरिवंशराय बच्चनाची '*मधुशाला*' कविता इतली प्रसिद्ध जाल्ली की हरयेका कवि-सम्मेळनांत ती वाचून दाकंवक आयकोपी ताका वत्ताय करताले. तशेंच गोंयांत व मंगळूरांत, खंयसर कवि-सम्मेळन जालें व चाफ्राक आपयलो, थंयसर ताची '*हाड चेडवा बुडकुलो*' कविता वाचिजायीच पडटाली.

कुडचडेंत ह्या वरयणारकयी ताची ती कविता आयकोंचो सुयोग लाभलो. चाफ्रा तवळ हेन्री बेंजमिन म्हळयांन बरयिल्ल्या '*बेटर सायिट विदौट ग्लासस*' पुस्तकाच्या प्रभावांत येवन चोक्लां नासतां दोळयांची दीष्ट सुधारयेत म्हण पातयेवन चोक्लां नासतां वाचतालो पुण वाच्चो कागद दोळयां लाग्गीं म्हणजे तीन चार इंचां पैस धरतालो. अशें ताणें लेखक सम्मेळनांत आपली कविता वाचूंक सुरु केल्लीच आयकोपी रसिकांनी ताच्या कवितेच्या संगीताक ताळ जावन ताळयो पेटूंक सुरु केल्यो. सगळें साल चाफ्राच्या कवितेन आनी ताळयांच्या आवाजान भरलें. एका कोंकणी कवीक असली उर्वेभरीत प्रतिक्रिया मेळची भोव अपरूप.

कवी सम्मेळन जालें. चाफ्रा, डॉ. मनोहर सरदेसाय आनी हो वरयणार पार्टी प्रतिनिधींच्या वसतेक चमकाताना वाटेर सहज जावन चाफ्राच्या कवितेथंय संभाषण गुंवलें. ताची कविता इतली लोकामोगाळ जांवक प्रमुख कारण कितें म्हण सरदेसायन चाफ्राकच शीदा विचारलें.

"जावयेत. तांतलें संगीत" संकोच भावान जवाब दिली चाफ्रान.

हें खरें जावनासल्लें.

"तुज्या कवितेंतलें संगीत आयकोप्यांक अयस्कांता वरी वोडटा" म्हणालो सरदेसाय.

एक प्रतिभावंत कवी म्हण ताचें नांव सगळया कोंकणांत गाजोंक लागल्लें.

आकाशवाणिच्या कोंकणी कार्यावळींत ताचें कविता-वाचन तवळ तवळ आसतालें. ताचीं कविता-वाचनां आयकोंक कोंकणी लोकाचीं चड आनी चड मागणी आसल्ली तरयी तांकां जाय तितल्यो कार्यावळी दीवक तो सकलोना.

डॉ. चंद्रलेखा डिसोजान बरयल्ल्या '*कोंकणी काव्याची पृष्ठभूमी*' ह्या पुस्तकांत गोंयच्या आनी मंगळूरच्या नांव कविंच्या कवितेथंय उज्वाड घाला. हे कवी जावनासात बाकीबाब बोरकर, र.वी. पंडित, चा.फ्रा. देकोस्ता, डो. मनोहरराय सरदेसाय, पांडुरंग भांगी, जे.बी. मोरायस, नागेश करमली, रमेश वेळुस्कर आनी प्रकाश पाडगांवकर. चंद्रलेखा विषांत सांगचें तर, तिचें एक अपूर्व व्यक्तित्व जावनासा. ती मुळावी जावनासा गुजराती. तिचें मुळावें शिक्षण गुजराती माध्यमांत मुंबयंत जालें. उपरांत ती गोंयांत वसती करूंक गेली आनी कोंकणी शिकली. तिका हिंदी भाशेंत आवड आसल्ली. हिंदी साहित्य एक विषय म्हण घेवन तिणे एम.ए. केलें. '*धर्मवीर भारती और प्रकाश पाडगांवकरकी कविताओंका तुलनात्मक अध्ययन*' हो तिचो पीएच.डी.चो विषय जावनासल्लो. अशें मुळावी गुजराती जावनासल्ल्या ह्या महिळेन गोंयांत येवन आपल्या स्व-खुशेन कोंकणी भास अध्ययन करून तांतल्या विंचणार कविंच्या कृतियांचेर हो विमर्शात्मक ग्रंथ बरयला. चाफ्राच्या काव्यांक तिणे विशेस महत्व दिलां. ताच्या संपूर्ण काव्य-साधना विषांत ती म्हणटा, '*चाफ्रा देकोस्ताच्या साहित्य यात्रांत नांवांची पर्वा करिनासताना, लोकांचे कठोर उतरांचे मार आपणावन, ताणे कोंकणी साहित्यांत क्रांती केल्या म्हुण तांकां शाबास्केची पाकळी मेळूंक जाय. बहू प्रतिभामुखी चाफ्राची कविता तांचें जग आनी संवेदन तांच्या ज्ञानाच्या खोलायेची रूप दाखैता. कोंकणी कविता आपलें वेगळें रूप हांगा दाखैता. भावना, वेदना, संवेदना इतल्या खोलायेन व्यक्त जाल्ली आसता की ती वाचप्याच्या मनार, कविच्या विचारांचे, वेदनाचे संवेदन जागयता. 'खंय पुरला कवीक 'कविता काव्यात्मा कवी खंय आसता हाचें दर्शन भावना संवेदनाचें रूप जावनासा.* ताची '*कोडियाळच्या वस्सांनी*' कविता उल्लेख करून ती म्हणटा, *चाफ्राची कविता आधुनिक काळाची आपाधाती, संघर्षाचें वर्णन करता. वता थंय धांव-पळ. मनशांची गिरदी आनी मनीसपणांची तत्वां उणी जायत वता ताजें दर्शन घडयता. अस्तित्ववादी चिंतन हांगा दृष्टव्य जाता. मनीस अस्तित्वांत आसा पूण आमी खऱ्या अर्थान जीयेता. ट्रेनी, बशींनी एक-एकदां आमचें मनीसपणाचें अस्तित्व आमी दाखंव शक ना. त्याखातीर कोणाक वेळना. येता यो, वता वच, मरता मर। कोणाक कोणाची चिंता ना.*'

प्रसिद्ध कादंबरिकार एडवीन डिसोजा म्हणटा, "चाफ्रा तसल्या एका बरवप्यान मुलर्लीत वाचूंक आनी आयकोंक जांवच्या शैलेंत भायर काडटाना त्या चिंतनांक दुसरेंच रूप येता." महिळा लेखिका ग्लॉडिस रेगो म्हणटा, "ताच्या कवितेंनी व्यंग्य आसा, हासो आसा आनी आमच्याच व्यक्तित्वाक भायर हाडचें तसलें उत्तेजन आसा."

'सोंशाचे कान' - कविता जमो

साधारण 35 वर्सांथावन तो संगीतात्मक, भावपूर्गीत, श्रेष्ट कविता बरवन, रेडियार प्रसारीत करन आनी कवी सम्मेळनांनी वाचून लोकामोगाळ जाल्लो तरी ताचो एकयी कविता-जमो एदोळ छापूंकनातल्लो. हें उणेपण सगळयांक भोगतालें. साहित्य अकादमी पुरस्कार ताका कितलेशा वरसां आदीं मेळाजाय आसल्लो पूण ह्या अभावावरवीं तो सुफळ जांवकनातल्लो. हो ऊण भरती करच्याखातीर गोंयच्या ताच्या अभिमानिंनी ताचो पयलो कविता-जमो प्रकट करची उर्वा दाकयली. हांतूं रवींद्र केळेकरान फुडाकार घेतलो. 1985 वरसा हें काम सुरू जालें. खंय खंय शिंपडलल्यो देकोस्ताच्यो कविता एकटांय करूंक लगभग तीन वरसां लागलीं. 1988 वरसा '*सोंशाचे कान*' नांवाचो ताचो पयलो कविता-जमो उज्वाडाक आयलो. हांतूं ताच्यो 51 कविता आसल्ल्यो आनी डॉ. मनोहरराय सरदेसायचें भावनात्मक, अर्थाभरीत प्रस्तावन आसल्लें. प्रस्तावनेंत तो म्हणटा, "*चा.फ्रा. द कोश्ताची कविता वाचताना उतरांचे आनी चित्रांचे नवे सृष्टींत प्रवेश केल्ले भाशेन दिसता. खरे कवी परमेश्वरान केल्लो सृष्टिचे निर्मितिचो वावर मुखार व्हरता. स्फूर्ती देवते कडल्यान स्फूर्ती घेवन तो वाचप्यांक स्फूर्ती दिता, पोरणे घेवन तो नवें घडयता. मुखार तो म्हणटा 'सोंशाचे कान' म्हळयार कोंकणी काव्यारुखावेलें तितिकतिकीत नवें पान.*"

देकोस्ताच्यो कविता सगळयांक समजोन काळजांत भोगच्यो तसल्यो म्हणटा डॉ. सरदेसाय: '*चाफ्राची कविता जशी जाणकारांची तशीच नेणाऱ्यांची. ती पंडितांची तान पालयता तशीच भोंसाची भूक भागयता. ताजी खंयचीय कविता घेतल्यार ती अशी दोन पांवड्यांचेर वाचूं येता, समजूं येता.*

"*चाफ्राच्या कविताक जिवितांची अगणीत तासां : अणभवाचीं थिकां - लिकलकीत, सोगाचीं चवरां परमळीत, अपमानाचीं किसरां - किसकिसीत. आनी तरीय आपल्या न्हिदसुऱ्या दोळयांतल्यांन तो आमच्या मनांत स्वपणांतुलें राज जागयता. कोंकणी समाज, ताज्यो चाली रिती, ताजे उत्फरके, उमाळे, दुवाव, हीं सगळीं ह्या काव्यांत होलमतात जशो पानांत शिरो आसतात तशो; जशे उशीकाण्यांत कुसां आसतात तशें. झाडां-पेडां, फुलां-फळां, कोमऱ्यो-पानां, कळे-कळयो, सैमाच्या सगळया रुपांचें पडबिंब ह्या काव्यांत पळेंवचें. कोंकणिचो कवी कोंकणाच्या सैमांत हांगा असो एकरूप जाला.*"

ताच्या काव्याचो उंचलो गूण समजाल्ल्या गोंयकारांनी 1962 वरसा ताच्यो विंचणार कविता गोंयच्या कोंकणी पाठ पुस्तकांनी छापल्यो. पयलीथावन धावी परयांतल्या पाठ-पुस्तकांनी ताची कविता गोंयच्या भुरग्यांक शिकोंक पडली. असलो मान मेळचो पयलो अन-गोंयकार तो जावनासल्लो.

चाफ्राच्या खासगी जिणयेक आनी 'हाड चेडवा' कवितेक लागशिलो संबंद आसल्लो. कवितेंतल्या व्हकले नांवऱ्यापरी चाफ्रायी सगळयांच्या खुशे विरोध सोसार पडोन, कांय दवाजो नासतां काजर जाल्लो. ह्या कवितेचो संपूर्ण पाठ

हांगासर दिला:

हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत
तुजें म्हजें उतर जालां काजच्या मळयांत.
अमृताची धार गो आमच्या लग्नार वोतुं गो
बऱ्या वायटा रिवाजींची तकली तिणे भेतुं गो
तुजो म्हजो रोस घडों अर्ध्या वळयांत
हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत.
पादरी चीट वाचिना, वडील माटव रचीना
म्हज्या तुज्या वऱ्या फाल्यां सोयऱ्यां सावळी येचीना
पादरी सोयरे व्हाळून वचों, व्हाळच्या व्हाळयांत
हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत.
करियमणी बांदीना भांगार शिंगार घालीना
आमच्या व्होरा मुखल्यान गो रसमागाडी वेची ना
म्हजें तुजें लगीन घडूं मोगरे कळयांत
हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत.
धोल घुमट नासताना, गरनाळींचो नाद ना
पेंपाऱ्यांचो साद ना, आपल्या पेल्या वाद ना
काजाराचें गायान गाजों कोंगळी गळयांत
हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत.
सात सात जाकिना चोवदा जातीतमू सान्नां
सान्नांचीय पर्वा ना, सोयरें धायरें आसचें ना
आमच्या लग्ना काफये संभ्रम पाव पेळयांत
हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत.
बुडकुलो गो आयलो ना, तळया उदकांत लकलो ना
दस्तुऱ्यांचे पाजे मुखीं तरनो तकलो ठिकलो ना
आमच्या लग्ना आंवडो गो सुकलो गळयांत
हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत.
हाड चेडवा बुडकुलो लकय तळयांत
आजून तुका राकून रावलां काजच्या मळयांत.

चाफ्राच्या कवितेंत गांवच्या जिण्यंचो, त्या जिणयंच्या सादेपणाचो, तांच्या मांगाचो वांसो व्हाळटा. मामियंचो मायामांग कितलो निस्वार्थी तें कवी दोनच उतरांनी दाकयता. माम आनी मामी गोट्यांत दूध काडची सुंदर प्रतिमा आमच्या दोळयां मुखार उबी जाता.

माम जेदना गोट्याक येता
अर्दो तांबयो हाडटा
मामी जेदना गोट्याक वेता

तांबयो भरून हाडटा
माम मिसता आबलेसपणान
अर्दो तांबयो गिळटा
मामी मिसता मायामोगान
आपलें इल्लें पिळटा

समाजेंत कविचें स्थान कितें? आधुनिक समाजेच्या गोवजे-गोंदोळांत तो कितलो भरमाता? गिरेस्तांच्या, फुडाऱ्यांच्या, धार्मिक व्हडिलांच्या पंगतेर वसोंक तो कितलो सहज? मिमेत्रिंत सैत कवीक हेरां सांगाता निदोंक समा जायना. कवीक स्फूर्त उबजयजे तर तो सोदता एक वोरे-विंगड जागो, एक कोनसो, शांत परिसर. समाजेंत आसोनयी ताचेथावन तो वेगळो म्हण ह्या कवितेंत दाकयलां.

ह्या उबार-थपकट फोंडांमधें
थंड मर्णा कोंडांमधें
ह्या जीव नासल्ल्या मुंडांमधें
सांग, खंय पुरला कवीक?
जेदवां संध्या मारूत हळू वोळ्ळो
कोनशा सुखो चिवो धल्लो
थंय काव्य-जोश मातयेक भुल्लो
हां, हांगा पुरला कवीक.

(खंय पुरला कवीक)

चाफ्राचें सगळें जिणये तत्व 'काळजांत दवर' ह्या कवितेंत आटापलां तशें दिसता. काव्य तंत्रणाच्या दिश्टीन ही कविता ताची अती श्रेष्ट कृती म्हणयेत. भावनांच्या परिपिकांयेंत अप्रतिम. जिणयेच्या डंभाचाराथावन पैस धांवच्या कवीक आपल्या मर्णा उपरांत आपल्या फोंडाचेरयी व्हडपणाचें कांय प्रदर्शन नाका. आनयेका अर्थान पळेल्यार, चाफ्रा आपल्याच जिणये आनी मर्णा विशांत कविते रुपार उलयतालो म्हळ्ळो भास जाता.

ना एक फुल, ना एक फुल
उडंव म्हज्या फोंडार
दुखां गेरे, चिंतना चारे
नाका हाडूं तोंडार
वाती कित्याक, वाजपां कित्याक
कित्याक भांगरा पेटो
बोंदेरां कित्याक, बांदपां कित्याक
कित्याक लोका खेटो
मातये कूड मातयेक वचूं
दांब मातये चेपणें

मळून उतरां-उगडास म्हजो
काळजांत दवर रुपणें
गेलों मातयेक आतां कित्याक
दुखान माती भिजंव
खाली करून काळीज तुजें
कित्याक दुखान शिजंव
सुरु केल्लें गोडशें गाणें
उदकांत सोडल्यो धलत्यो पाती
कर आखेर, सरय फुडें
तुकाय राकता माती
सांग पाटल्यांक फुडें सरूंक
पडटच तुजेर धांपणें
सांग उतरां-उगडास म्हजो
काळजांत दवरूंक रुपणें

(काळजांत दवर)

जिणयेच्या पंतारांत आमी सकडां परम सुखार पावोंक वळाडटांव. पुण कितलें साधन केल्यारयी आमचें परम किरकोळ आसचो, आमी भेष्टो म्हण चिल्लुंचो साटो मनीस व किरकोळ रचना कांय त्रास नासतां सुखार पावता. व्हडपण दाकंवचो मनीस नीज जीवन सगळ्यां परम पार्टी पडटा. चड महत्वाकांक्षा नासचो मनीस आपली जीण आयिल्ल्येपरी स्वीकार करता आनी अधिकांश तो जिकता. ह्या भावार्थाच्यो '*खरस*' शिरोनांवाखाल हेरयी कविता चाफ्रान बरयल्यात. तांतलो एक नमुनो हांगा दिला:

आलमारींत वूक, वुकांत कविता वाचूंक आशेलों
किरकोळी वाळय वाचून गेली, हांव खरशेलों.
झाडाचेर ताळी, ताळयेर चिकोळी माळूंक आशेलों
शेजारची चली माळून गेली, हांव खरशेलों.
रसमी आंगलें फिंतां न्हेसलले वेंगूंक आशेलों
न्हवरो तिगेलो वेंगून गेलो, हांव खरशेलों.

(खरस)

चाफ्रा म्हणटा, कोंकणींत एक म्हणणी आसा: '*नाद जाय कांशाचे, कान जाय मोंशाचे.*' मनशाची जात हांचेर इतली मोसगळी जाल्यार्की ती त्यें हुशारायेच्या भोग्यांक. ल्हान सान मोंशांक कानांनी धर्न उर्बी करता.

जिबली नाचल्या दांतां पाटीं
कलवंताच्या पायांभाशेन
रुचिगोस्ता बाजवो सुटवन
मस्तेन धांवल्यात धाय दिशेन

कांदे पेंदे मुळे खायल्यात
पालो मासां व्हडे खुशेन.
आतां म्हाका जिबली नाका
रगतां मासां तुमींच चाका
आयकोपाची तान दी
सोंशासांगडे कान दी.
भोंवची सकत घोणीक दिली
नाकांतुली मस्ती मेली
सोंशासांगडे कान मेळटां
खुशी मनांत कुस्ती घाली
आतां लोक कानांक धरता
सोंशाभाशेन जातां गुळी.
बावा, बाये, सोडात म्हाका
कानांक म्हज्या धरूं नाका
देवा, तुंवें कान दिले
सोसून व्हरचें त्राण दी.

(सोंशाचे कान)

'दिवोड आनी दोरी' ह्या ल्हान कवितेंत कवीन एक अद्भुत प्रतिमा आमच्या दोळयां मुखार दवरल्या. एक दिवोड आनी एक दोरी एकामेका रेवडोन मोग करतात. आपणे मोग करची वस्त एक निर्जीव दोरी म्हळें दिवडाक कळाना कित्याक? कित्याक म्हळयार, दिवोड कुड्डो जाला व दोरी ताका भुल घालता.

खुंट्याक बांदून उमकळची
सुंबाची एक दोरी
आनी एक लांबसो दिवोड
दोगांय मोग करी.
चिंतून चिंतून विरार
खोरपीत आसां खड्डो
खऱ्यान ही दोरी नाडगी
वा दिवोड दोळयान कुड्डो?

(दिवोड आनी दोरी)

मनीस कष्टा-विघ्नांत मात्र देवाचो उडास काडटा, ताचेलागीं आडदोस मागता. जरतर ताणें अपेक्षिल्लें देवान मागानासतां दिलें, मागीर ताका देवाचो उडासच ना. देकून कवी देवाक चत्राय सांगता असली चूक करिना जांवच्याक. '*सर्गावयली पिरगण*' ह्या कवितेंत देव आनी मनशामदलो संवाद हाचेर भोव परिणामकारी जावन कवीन उजवाड घाला. जिणयेंतल्यां गर्जेच्यो वस्तू आमकां चड कष्ट

नासतां मेळयो तर, आसकां त्यो ससार जातात. देवाकच दूध सांगचें धैर घेता कवी.

ज्यून जून जातासरी
पावस नातलो पोरूं
फातर जावन मेल्ल्यो झरी
तानेतालें गोरूं
भुरग्या बाळाचेंय रडणें
सर्गाक करी विरार
दिवळांत आसलें सदां मागणें
खंती तोंडार रजार
मागीर मुंगा पावस आयलो
पयस जालीं खर्गां
शेतान रोकडो रोंपो रोयलो
सर्गी देवाक अर्गां
देवा! तुजो हात पोटार
तृप्ते हासो, नाका
धेंक खेळटा तुज्या वोंटार
आयकातालो म्हाका
ज्यून कांधांत आसतासताना
अंदूं पावस आयलो
देव आशेन तिळतासताना
दिवळांत कोणय नातलो !
मागणेंय ना, रजार ना
खंयच्या नराक वर्गाता ?
अर्गांय ना, कांतार ना
देव सर्गार करगाता !
धरणीर हेणे पावसा व्हाळो
आपता लिपता सुर्यो
मनीस जाला पाकीसाळो
देवा तोंडार मिरयो
वेळार पावस धाडलो पळे
आयकाता खंय तुका
मनीस जात तशीच पळे
जायजे, जायजे तुका !

(सर्ग वयली पिरंगण)

'*मिटाकण*' कवितेंत विविध प्रतिमा दोळयां मुकार उब्यो जातात. ल्हानशी

मिटाकण दर्यालागीं गवोन दर्या तेदी जांवची महत्वाकांक्षा दाकयता. ह्या उद्देशान ती दर्यांत उडटा पूण दर्या तेदी जांवच्या वदला ती दर्या उदकांत खिरोन व्हेता आनी कविची पेज अळणींच उरता. मिटाकण मिटाकणच जावन कवीक फायद्याची जाती कित्याक ताच्या पेजेक ती रूच दींवक पावती. पूण ज्या वेळा ती दर्या एदी जांवची महत्वाकांक्षी जाली, तेदाळा ती त्या महा सागोरांत लिपोन गेली.

पेजे वाटली हातीं घेवन
दरया वेळेर रावलां
कोणूय विचारनाकात चोवन
"तोंड कशें बावलां ?"
एक आसली मिटाकण
पिशे बुद्धीन वाडल्या ;
दरया एदी जातां म्हण
दरयांत वचून उडल्या !
दी गा म्हजी मिटाकण
तुज्या उदकांत खिरल्या
निरास जाल्या म्हजी जीण
पेज अळणी उरल्या !

(मिटाकण)

उदकांतले बुडबुडे दोन सांगाता मेळटीत जाल्यार ते दोनयी फुट्टात. हें निसर्गाचें नियम. पुण कविच्या नदरेंत हीं दोगां प्रेमी एकामेकाच्या वेगेंत मोरचीं. रसिकाच्या मतीं दोगां प्रेमींच्या मोगाची अदभुत प्रतिमा रचता.

साबांवाच्या फेणाचे
उडले दोन बुडबुडे
तांतलो एक दादलो
तांतलो एक बायलो
वळख धरूंक लागले
मोगान दोगूय फुगले
खंयगो गाल कंवळे ?
खंयरे तुजे बावळे ?
वळख धरच्या नादीं
वळख मेळच्या आदीं
वेंगून धरूंक उडले
वेंगेंत दोगूय फुटले !

(दोन बुडबुडे)

मनशाचें स्थान ऊंचायेक पावल्ल्यातशें भाशेंतयी मरयादिचीं उतरां व्हडटात.

कोणाविषांत कितें मागाजे हें कवीन मकयल्या कवितेंत यथार्थ वर्णिलां.

विगार जाल्यार मातियेक पांवचें, सरचें - तोगा मोरना
गोवळी वापाक मरण येना सरचेंय ताका नासता
देवादीन जाल्ल्या ताका निकेपुंचें आसता
पियोनाच्या परन्या खांद्यार मांड्डो एदो आसता
दाक्तेराच्या बळवंत भुजार बुदवंत तकली आसता
मंत्री मायवाक मांड्डो नांगा तकलीय केदींच नासता
कुडीर आमच्या वोडक्याक ताच्या मस्तक म्हणचें आसता !

(आमची भास)

❑

६१४

अध्याय 4

वेगळीच वाट आपणायल्लो नाटककार

मुंबय फोर्ट वाठारांत आमच्या पेटिट लैब्रेरींत चाक्रा सरार व्हचोंक लागलो. ताणें काम करचें दफतरी लारींच आसल्लें. हायस्कूलांत शिकताना आयकाल्ल्या युरोपी नाटकां थंय ताचें ध्यान आकर्शित जालें. छापल्ले इंग्लिश नाटक वाचून आसतां आसताना ताणें त्या काळाचें थोडे लोकामोगाळ मराठी नाटकयी मांचियेर पळेले. प्रतेक जावन खंयचे नाटक ताणें पळेले आनी त्या वर्वीं तो कसो प्रभावित जालो म्हळ्ळयाक दाखले मेळांनांत तरयी ताणें आपल्या मित्रांकडे तवळ तवळ सांगल्लीं उतरां बरयताना आपल्या स्वताच्या नाटकांचेर हांचो बरेच प्रभाव पडला म्हण तो म्हणटालो. त्या काळार मराठी रंगमंच नाटक कलेंत भोव मुखार पावल्लो. मराठी भाशेंत उंचल्या गुणमट्टाचे नाटक बरयताले आनी रंगमंच्यार आनी रेडियोंत खेळयताले. मराठी कला-प्रेमी नाटकांक बरेच प्रोत्साव दिताले. मराठी सिनेमा परस चड मराठी नाटकांचो प्रभाव अधीक आसल्लो म्हणयेत. त्या काळाचे सुप्रसिद्ध आनी लोकामोगाळ नाटककार जावन आसल्ले राम गणेश गडकरी, एम.जी. रांगणेकर, आचार्य प्रह्लाद केशव अत्रे, ना. पेंडसे, वी.वी. शिरवाडकर, वसंत कानेटकर, पु.ल. देशपांडे, विजय तेंडुलकर, गंगाधर गाडगील, अनंत काणेकर, रत्नाकर मतकरी, महेश एलकुंचवार, बाळ कोल्हटकर आनी हेर. तवळचें थोडे सुप्रसिद्ध मराठी नाटक जावनासल्ले '*एकच प्याला*', '*संशय कल्लोळ*' (गडकरी), '*नटसम्राट*' (शिरवाडकर), '*शांतता कोर्ट चालू आहे*', '*सखाराम बाइंडर*', '*घाशीराम कोतवाल*' (तेंडुलकर), '*गारंबीचा बापू*', (पेंडसे) '*प्रेमा तुझा रंग कसा*', '*अश्रूंची झाली फुले*' (कानेटकर), '*तुझे आहे तुजपाशी*', '*ती फुलराणी*', '*सुंदर मी होणार*', '*एक झुंज वाऱ्याशी*' '*तीन पैशांचा तमाशा*' (देशपांडे) '*वाडा चिरेबंदी*', '*यातनाघर*' (एलकुंचवार), '*लग्नाची बेडी*', '*जग काय म्हणेल*', '*तो मी न्हवेंच*' (अत्रे) आनी '*दुरितांचे तिमिर जावो*' (कोल्हटकर).

बर्तोल्ट ब्रेश्ट, मोलियर, हेन्रीक इब्सन असल्या युरोपी नाटककारांच्या नाटका विशीं इस्कोलांत ताणें आयकाल्लें. आतां तांच्यो कृतियो वाचची सुसंधी ताका मेळ्ळी. मराठी नाटक पळेवन आनी युरोपी नाटक वाचून मेळ्ळल्या अनभोगाथावन कोंकणी रंगमंच्याचें स्वरूप ताणें बदलिलें. मुंबयच्या ताच्या लगभग वीस वर्सांच्या वसतेंत विशेस कल्पनांचे, आधुनिक तंत्रणाचें, आनी मुख्य जावन, अलंकारीक भाशेचें श्रेष्ट दाखले दिवचें एका परस एक परिणामकारी

नाटक ताच्या लेखणेंथावन उदेलें. गुरुथावन आकेर, तुटानातल्लें चलन आसोन पडटं नासतां एकाच टिकाण्याचेर साद्या सेट्टिंगाचेर मांडून हाडल्ल्या काणयेंत रसिकांक एक नवाल दिसलें. सवार जणांक चाफ्राची भास, ताची शैली, अलंकार आनी ताचीं कल्पनां कोंकणी नाटकाच्या खऱ्या वाडावळिचो संकेत म्हण भोगताना हेरां सवारांक ताचे नाटक गिळूंक जायनातल्ली उंडी जावन ते मूक प्रेक्षक जाले.

विदेशी नाटकांचो प्रभाव

'*ह्यामलेट*', '*म्याकबेथ*', '*रोमियो-जूलियेट*' तसले अमर नाटक बरयिल्लो विलियम शेक्सपियर, '*मॅन ॲन्ड सूपरमॅन*' आनी '*पिग्मेलियन*' बरयिल्लो बर्नाड शॉ, '*ले बूर्ज्वा*', '*तार्तुफ*', असले जगतप्रसिद्ध नाटक बरयिल्लो मोलियर, '*दि एनिमी ऑफ दि पीपल*', '*ए डॉल्स हौज*' असले प्रख्यात नाटक बरयिल्लो हेन्रिक इबसन, '*थ्री पेन्नी ऑपेरा*' बरयिल्लो बार्टोल्ट ब्रेश्ट, '*ऑल मैं सन्स*' आनी '*डेत ऑफ ए सेल्समेन*' बरयिल्लो आर्थर मिल्लर, असल्या पाश्चात्य आनी प्रमुख जावन येरोपी नाटककारांथावन तो जायतें शिकलो. ह्या आनी हेर महान नाटककारांच्यो कृतियो ताणे वाचून काडल्यो. सवार वर्सां आदीं बरयिल्लें तें नाटक जाल्यारयी तांतलें तंत्रण, भास आनी नाटक कलेची जाणवाय पळेवन तो विस्मित पावलो. ह्या विदेशी नाटकांनी ताचेर बरो प्रभाव घालो म्हणयेत. तितलेंच न्हंय, ह्या नाटककारांचे श्रेष्ट नाटक मराठी नाटककारांनी आपल्या भाशेंत रूपांतर व भाशांतर करुन यशस्वी तरान प्रयोग केल्लें जावनासल्लें. चाफ्राक त्या काळाच्या यशस्वी मराठी नाटकांचेर विशेस आसक्त आसल्ली. अत्रेचे फकत तीन नाटक - '*लग्नाची बेडी*', '*जग काय म्हणेल*' आनी '*तो मी नव्हेच*' - हांचे त्या दशकांनी हजारों प्रयोग जाल्ले. असलें नाटक पळेनच चाफ्राक एका नव्याच संसारांत प्रवेस केल्ल्या बरी भोगल्ल्यांत नवाल ना. ताणे हांतले थोडे तरयी नाटक पळेलें आनी अभ्यास केलो म्हणच्यांत दुबाव ना. येरोपी नाटकांचो प्रभाव मराठी नाटकांचेर पडल्ल्याचे तीनच दृष्टांत दिवचे जाल्यार, बार्टोल्ट ब्रेश्ट हाचो '*थ्री पेन्नी ऑपेरा*', '*तीन पैशांच्या तमाशा*' नांवार पु.ल. देशपांडेन रूपांतर केलो आनी मोलियरचो '*स्कूल फॉर वैव्स*' नाटक प्रल्हाद केशव अत्रेन '*अशी बायको हवी*', आर्थर मिल्लराचो '*ऑल मैं सन्स*' नाटक लीला चिटणीसान '*दोन जगांच्या मध्ये* ' अशे रूपांतरीत केले आनी हे सगळे नाटक रंगमंच्यार वरेच गाजले.

गोयांत आनी मंगळूरांत कोंकणी नाटकांची परंपरा कांय चड पोरनीय न्हंय, नवीय न्हंय. 19व्या शेकड्याच्या निमाण्या वर्सांनी ती फुलोन आयली. गोंयच्या क्रिस्तांवांच्या नाटकांक 'तियात्र' म्हण आपयताना हिंदू भावांच्या खेळांक 'नाटक'च म्हणटाले. पुर्तुगेजांच्या प्रभावाखाल चड मापान आयिल्ल्या क्रिस्तांवाचे तियात्र, नाटक आनी पदांचें एक मिश्रण जावनासतालें. जायते पावटी हांतूं नाटकापरस पदां व संगीताक चड महत्व आसल्लें. अशें, संगीताच्या व्हाळयांत नाटक वुडोन

व्हेतालो. नाटकांत संगीताक महत्व आसोंकच जाय पूण ताका मीत आसोंकजाय. नाटक जर उंचल्या मट्टाचो आसलो तर्यी हीं धारगळ पदां नाटकाच्या सुलभ व्हाळयाक एक आडकळ जातालीं म्हणयेत. आनी जरतर कांतारां व पदां बऱ्या गावप्यान गायल्यांत तर प्रेक्षक पदांनींच तृप्ती पावोन खुशाल जातालें. पूण नाटक आनी पदांक समासम महत्व मेळचें भोव अपरूप आसतालें. आनी नाटक जर बरें ना, तर प्रेक्षक फकत मुखलें पद आयकोंक आतुराय दाकयताले शिवाय नाटकाच्या मुखल्या दृश्याक न्हंय. थोडे पावटीं प्रेक्षकाक पदांमदें नाटक एक आडकळ म्हण भोगल्लेंय आसा. 'तियात्र' म्हळयार, नाटक आनी पदांचें एक मिश्रण म्हण लोकाच्या मतींत खंचोन गेल्लें.

मंगळूरांत परिस्थिती कांय वेगळी नातल्ली. थंयसर धार्मिक आनी चारित्रिक नाटकांक चड महत्व दिताले. हांतूं त्या-त्या काळाच्या न्हेसणाक आनी रंगरूपाक चड महत्व आसल्लो. नाटकाची काणी कथानायकाच्या भुरग्यापणाथावन तो म्हातारो जाता पर्यांत लांबल्ली आसोंक सकताली. सगळो नाटक पळेतच एक लांब कादंबरी वाचल्लो अनभोग प्रेक्षकाक जाल्ल्यांत नवाल ना. नाटकांत पदांय धाराळ आसतालीं. थोडे संगीत-प्रेमी आपल्या मोगाच्या गावप्यांथावन फकत कांतारां गांवचीं आयकोंक येताले. पडदो बोडटेल्यांक तीन चार वोरां जागरूत रावोंक पडटालें; चुकी जाताल्यो. खंयसर पुरतें ध्यान आनी मन नाटकाचेर केंद्रीकृत जायजाय आसल्लें तें जायनातल्लें. अशें जावन, नाटकाचो उद्देश आनी संदेश कोनशांत लिपतालो.

देकोस्ताच्या उण्यान उणे तीन नाटकांनी तरूय आनयेक विशेषण आसल्लें. '*सागीरचें सागीर* ', '*सुणे माजार हासता* ' नाटकांनी ताणे संसारा भायल्या अदृश्य व्यक्तींक नाटकाचे सूत्रधार केले. '*सागीरचें सागीर* ' नाटकांत सर्गवयल्या सरगीष्ट पेद्रू आनी समाधानी सिरेलीक सांगाता हाडून तांकांय मनशांचे गूण-अवगूण दीवन जीवंत पात्र केल्यात. जावयेत, नाटककाराचो उद्देश प्रेक्षकांक हासंवचो तरूय नाटक एका खऱ्या पाटभुंयचेर मांचियेर सादर करूंक हाच्ये परस बरें साधन दुसरें नातल्लें म्हणयेत. निमाण्या दृश्यांत मोग-करणार कथानायक मोरताना सां पेद्रू ताका व्हडा मायपासान आपल्या वेंगेंत धरून सर्गाक व्हरता. तशेंच '*सुणे माजार हासता*' नाटकांत भोडवो गाब्रियेल सूत्रधार जावनच न्हंय तरूय सर्गावयल्या आपल्या निवासाथावन मदें मदें मांचियेर प्रत्यक्ष जावन देवाचो संदेश नाटकाच्या कथानायकाक सांगता. '*पयणाऱ्यांचो मित्र*' नाटकांत यमकोंडांतलो देंवचार व सैतान मनशारुपार संसारांत येवन मनशाकुळाची अस्कतकाय उगताडाक हाडटा तशेंच '*जुजे दयाळ*' नाटकांत दोन हजार वरसां आदीं जियेल्ल्या सां जुजेक आधुनिक मनशाचें रूप दिलां.

'नवप्रभा' मराठी दैनिकाच्या 1990 जानेर 7 अंक्यांत गोंयचो कोंकणी फुडारी रवींद्र केळेकार म्हणटा "चाफ्रा जशे कवी आसात तशे नाटककारय. तांच्या '*तर्नें तर्नें मोरनें* ', '*सुणे माजार हासता* ' ह्या नाटकांचें भारतीय

भाशेंनी अनुवाद जावना. जाल्लें जाल्यार देशांतलो एक श्रेष्ट नाटककार म्हण तांची ख्याती भारतभर पसरती, म्हाका हांतूं दुबावच ना. कोंकणी साहित्य ह्या देशांतल्या साहित्यांत मिसळोन मुखार येंव म्हण तळमळ आसल्ल्या सूटभर साहितिकांमदें चाफ्राक समावेश करिजायिच पडटेलें."

देकोस्ताच्या नाटकांनी सैत ताची कविता कशी उमाळोन येता म्हळें प्रसिद्ध कवी डॉ. मनोहर सरदेसाय ह्या उतरांनी सांगता: "नाटकाच्या मांचियेर जाल्यारयी तो मुळाव्यान एक कवी म्हणयेत. चलन आनी कथावस्तु परस चड तो संभाषणाक महत्व दिना. ताची भास सुंदर काव्याळ गद्य म्हणयेत. साहितिक आनी लोकाची कोंकणी भास तो भोव चतुरायेन एक करता आनी ह्या प्रक्रियेंत आमच्या गार्दीचे आनी सांगण्यांचें भंडार उघडटा." *('इंडियन लिटरेचर' माय / जून 1990)*

मुंबंयत गोंयकारांचे तियात्रयी जाताले, मंगळूरकारांचे नाटकयी जातालें. अशें खऱ्या नाटक प्रेमीक हे दोनूंय प्रकार उपलब्ध आसल्ले. मुंबयांतल्या नाटककाराक एक चडीत सुविधा आसल्ली. मुंबय शहार भारतीय तशें पाश्चात्य कलेचें एक केंद्र जावनासतां, नाटक-कलेंत जांवची उदरगत कार्यारूपाक आयिल्ली हांगासर पळेंवक मेळटाली.

पुण आमचे नाटककार परिस्थितीनी बदलाल्यारयी आपल्या संप्रदायाथावन भायर येंवक आयकालेनांत. मंगळूरांत मड्तीन डेसा आनी वि.जे.पी. सालदांज, मुंबंयत ए.टी. लोबो आनी जी.एम.बी. रोड्रिगस तसले आनी हेर बरे नाटककार आसल्लो तरयी सामाजिक परिवर्तनाचीं लक्षणां तांच्या नाटकांनी दिसोन आयिल्लींनांत. आधुनिक तंत्रणाचें वारें तांच्ये कुशीन व्हाळलेंना. हेरां भाशेंच्या नाटकांनी जाल्ली बदलावण आनी उदरगत तांणी पळेलीना. नाटक-कला कितली विशाल आसा, ती कितली गूंड आसा आनी कितली संकीर्ण आसा म्हळें ते शिकलेनांत. गुड्डायिल्ले वाटेनच ते चल्ले. सामाजिक जागृणेचे विषय तांच्या नाटकांनी नातल्ले म्हण न्हंय. आमाल पियोण्या विरोध, दोती विरोध, दुबळयांच्या शोषणा विरोध आनी तसल्या हेर सामाजिक वायटां विरोध नाटककारांनी आपलें ध्यान दिलां. पुण तांणी दीवक सोधल्लो संदेश तंत्रणाची कुशलता नासतां व पात्र-चित्रीकरणाच्या अशक्ते वरवीं व गंभीर समस्सो प्रेक्षकां मुखार दवरताना गरज नातल्लो विनोद मदें हाडून अपेक्षिल्लो परिणाम प्रेक्षकांचेर जालोना. लांब संवाद आसोन (ते संवाद म्हणच्याकयी शेर्माव म्हणोंक आडकळ ना) प्रेक्षकांक उबगोण येंवक कारण जातालीं. सबार नाटक चारित्रिक व धार्मिक कथा-वस्तुचेर अवलंबून आसताले. धर्म आनी चरित्रेथावन प्रेरण जोडटेल्यांक आनी हेर थराच्या मनोरंजनाथावन वंचित जाल्ल्यांक असले नाटक तृप्ती दिताले तरयी साद्या नाटक प्रेमीक कसलो तरयी अथवो अनभोग नाटकाथावन भोगची आशा काळजांत आसताली.

असल्या परिस्थितींत आनी पाटभुंयचेर पन्नासाव्या दशकांत नाटक-कला शेतांत

चाफ्राचो प्रवेश जालो. शेळल्लो हवा भरून बंद आसल्ल्या घरांत जर दारां-जनेलां उगतीं जावन एकाचफारा नितळ वारें व्हाळोंक लागल्यार कितें परिणाम जाता तोच परिणाम चाफ्राच्या नाटकांनी जालो. अशें म्हणटच सांप्रदायिक नाटक पळेवन आसल्ल्या सगळ्या प्रेक्षकांक ताचे वेगळ्या थरचे नाटक पसंद जाले म्हळ्ळो अर्थ न्हंय. सबार जणांनी ताचे नाटक समजानासतां व पारंपरीक नाटकांच्या आवाटाथावन भायर येंवक मन नासतां ते तिरस्कार केले. पुण हेरां भाशेंच्या नाटकांची, मुख्य जावन हिंदी, मराठी आनी इंग्लिश नाटकांनी जाल्ली प्रगती जाणा आसल्ल्या चिंतपी नाटकप्रेमींनीं, ताच्या नाटकांक उगत्या मनान स्वागत केलो.

चाफ्रान बरयिल्ले नाटक

वेवेगळ्या सूत्रांथावन मेळल्ल्या आधारां प्रमाणे, चाफ्रान बरयिल्ले नाटक बावीस. तांतले भोवच थोडे छापल्यात. थोडे हात बरपांनी उपलब्ध आसात तर हेर पळेंवक मेळानांत. तो जीवंत आसताना ताच्या मित्रांनी ताचे नाटक घेवन खेळवन दाकंवचे आसल्ले. आपल्याकडे आसल्ली एकमात्र मुळावी प्रती तो दींवक पाटीं सरानातल्लो. ताणेंच सांगल्ल्या प्रकार, ताच्या वेगवेगळ्या नाटकांच्यो वट्ट 50 प्रतियो तरयी ताच्या मित्रांनी आनी वळकिच्यांनी घेवन दवरल्यात. त्यो ताका पाटीं मेळोंकनांत. ताचे नाटक जावनासात:

1. निष्टूर बोल्ल 2. सोबीत संसार 3. आंक्वार मेस्त्री 4. पयणाऱ्यांचो मित्र 5. तर्नें तर्नें मोर्नें 6. विशेंतिचे भाव 7. कुवाळयाची वाल 8. टोमेटो 9. मांकडाचो पाय 10. भांगार मनीस 11. मागिरचें मागीर 12. दोरो 13. जोर्जी बुतेल 14. शिरिगुंडी शिमांव 15. सुणे माजार हासता 16. म्हज्या पुताचो खिणकुळो 17. बोंचो बंद 18. जुजे दयाळ 19. बोक्लाक सात जीव 20. हांडो उटला 21. मासो 22. दाक्तेर दुस्मान.

हे नाटक लगभग चाळीस वरसांचें साधन म्हणयेत. ताचो *'निष्टूर बोल्ल'* नाटक भुरग्यापणाचें साधन म्हण सोडल्यार, 1955 वरसा ताणे बरयिल्लो *'सोबीत संसार'* ताचो पयलो साहितिक मोलांनी भरल्लो नाटक जावनासा. ह्या नाटकाचो विषय जावनासल्लो 'दोत' म्हळळ्या पद्धतिचो वायट परिणाम. त्या तेंपार मंगळूरी क्रिस्तांव समाज अधीक प्रमाणार दुर्बळी जावनासल्ली. 1958 वरसा, जेदना मुंबयांत कार्मिक फुडारी जोर्ज फेर्नांडिसान थोड्या उत्साही युवकांक संघटित कर्न दोती विरोध चळवळ सुरु केली, तेदना *'पयणारी'* सातोळयाचो संपादक जावनासल्ल्या चा.फ्रा. देकोस्तान ह्या चळवळिचो फुडाकार घेतलो. ताच्याकयी चार वरसां आदीं मराठी आनी इंग्लिश नाटकांचो प्रभाव नासतां बरयिल्लो *'सोबीत संसार'* नाटक 9 दृश्यांनी आटापलल्लो. दोती विरोध चळवळिचो एक भाग जावन ताणें हो नाटक परतें बरवन एकाच पडद्याचो म्हणजे नाटकांतलें सगळें चलन एका घरच्या आंगणांत चलता तशें बदलिलें. चडीत नैजता प्राप्त करच्या खातीर ताणें आंगणांत काटें आनी लाटां आसची बांय, नळयांचें पाकें,

पाक्यावयर उमकाळच्या रुका-फांट्यांचें सॅट्टिंग उबें केलें. उपरांतल्या वरसांनी ताणें म्हळें आसा. " *सोवीत संसारांत* हांवें आतांच्यो थोड्यो रेग्रो रिवाजी मोडल्यो. भोव थोड्यांनी त्यो पुरकारल्यो. हांव तांका आभारी आसां. चार हजार लोकान तो नाटक पळल्या उपरांत मारस्वत भावांनी ताका दिल्ल्या स्वागताक हांव मांज्या समाजीथंय आसल्ल्या प्रास चडीत आभारी आसां. आचार्य अत्रेन हो नाटक कोल्हटकराच्या '*दुरितांचे तिमिर जावो*' मराठी नाटकाक सरी केला. म्हज्या नाटकान आमच्या कला संसारांत थोडो पुणयी प्रभाव फांकलोच. जायत्या नाटककारांनी आपल्या नाटकांत भायलीं पदां (तीं, अस्कत नाटकांक कांवीचे धिरे) रद्द करुन नाटका भितरच विणलीं. त्या भावांथंय हांव आभारी आसां. नाटकांचो खर्च उणो करूंक एकाच दृश्यार विणल्ले नाटक तयारसितात म्हळी खबारयी जाल्ली."

ह्या वदलावणेचो परिणाम प्रेक्षकांचेर जायनासतां गेलोना. 1964 वरसा मांचियेर हाडल्ल्या ताच्या '*पयणाऱ्यांचो मित्र*' नाटकाच्या स्मारक पुस्तकांत देकोस्ता म्हणटा. "देव नवो उज्वाड नाटक कलेंत भरेंदी. तो अपेक्षितेल्यांक आयकोंक आनी सोमूंक मेळयार ते क्रिस्तोफरवरी (नाटकाचो नायक) सोसुंदीत. कित्याक, कोणेंय झरनातल्ल्या वाटेन चलोन ताचे वयले कांटे-खुंटे गुड्डावन सफाय केल्या बगार दुसऱ्यांक चलोंक धैर मेळाना. असलें सेट हांव काडटां म्हळेंच म्हाका समाधान."

गोंयचो नाटककार, कवी पुंडलीक नारायण नायक म्हणटा, "चाफ्रा श्रेष्ट कवी आसल्लो म्हण उंचलो नाटककार जांवक सकलो. तांच्या नाटकांचे संवाद पळेया. जे लोक ताचे नाटक पळेंवक येताले ते सगळे ताचे नाटक मानताले अशें न्हंय. पूण चाफ्राचे नाटक पळेजाय म्हण तांकां भोगतालें. ताची विचारधारा, ताचीं कल्पनां आनी भास हें पळेंवक ते येताले. तांकां सगळयांक ताचे नाटक समजाताले अशें म्हणोंकयी जायना. मनोरंजनाखातीर पळेताले अशेंय न्हंय."

1984 दसेंबर थावन 1985 जानेर परयांत देकोस्ताचे पांच नाटक प्रदर्शित केल्लें 'चाफ्रा नाटकांचें फेस्त' जालें. हांतूं '*भांगार मनीस*', '*तनें तनें सोनें*', '*देव पळेत आसा* ', '*मारिरचें मारीर*' आनी '*सत्य पनडे*' ('*आंकवार मेस्त्री*' नाटकाचो तुळू अनुवाद) नाटक आसल्ले. मंगळूरच्या चरित्रेंत पयले पावटी एका नाटककाराचे पांच नाटक अशे दाकयिल्ले. ह्या नाटक फेस्ताच्या स्मारक पुस्तकांत नाटक विमर्शकांनी आनी दिग्दर्शकांनी चाफ्राच्या प्रतिभेथंय आपली सुडाळ अभिप्राय उचारली. 'राकणो'चो आदलो संपादक वाप मार्क वाल्डार तांतूं बरवन म्हणटा, "मनशाच्या जिविताचे समस्ये आनी घुट, सैंवाचे गूण, अवगूण, वेवेगळया मनशांचें वेवेगळें वर्तन आनी हाका कारणां, मनशाच्या मानसिक संसारांतलीं वेवेगळीं कुसां इत्यादी पिंत्रांवच्यांत ताचे इतलो प्रवीण कोंकणी नाटक क्षेत्रांत हेर कोणयी ना म्हणयेत. ताचे नाटक चिंतपाक आनी नियाळाक आमकां साहेत ओदरावन दितात.

ताच्या नाटकांतल्या संवादांनी भाशेची सोबाय, चिंतनांची गूंडाय आनी अनभोगाची विस्तारगाय दरवस्त आसा. विशेस एक्शनान व कारयान आनी त्वरित घडितांनी ताच्या नाटकांतलीं दृश्यां आनी सन्निवेशां प्रेक्षकांचें गुमान आनी अभिरूच नाटकाथंय केंद्रीकृत करतात. ताचे नाटक पळेताना वेळ गेल्लो कळांच ना. नाटकांतल्या सन्निवेशाच्या काळा स्थळाचो एकवट, काणियेंतलें सस्पेन्स, संवादाचो व्हाळो आनी वांदावळ, उणीं दृश्यां, तवळ तवळ पडदे वदलुंचे नासतां हाका वेळ पाड जायनासतां आमचें ताच्या नाटकांत ताची एक विशिश्टता हाडून दिता."

1964 व्या वरसा चाफ्रान आपलो '*पयणाऱ्यांचो मित्र*' नाटक मुंबंयत रंग-मांचियेर हाडलो. हो एक चारित्रिक नाटक. पयणाऱ्यांचो शागेती म्हण वळकाल्ल्या संत क्रिस्तोफरच्या जिण्येचेर आधारून हो नाटक ताणे वरयिल्लो. हांतूं चाफ्रान चरित्रा आनी कल्पना हांचें दोनांयचें मेळाप एका आकर्शित थरान मांडून हाडल्लें. चरित्रेंतली पात्रां आसल्लींच आनी '*यमकोंडांतलो राजा*' म्हण देंवचाराचो पात्रयी ताणे रचलो. हाड-मास आसल्ल्या संसारी मनशांवरी तोयी एक मनशारुपाचो वेस धेवन मनशाकुळाची अस्कतकाय उगताडाक हाडटा. त्या तेंपार हें एक नवेसांवच म्हणयेत. त्या शिवाय नाटकाचें नांवयी कोंकणी लोकाक एक उलंवचो विषय जालो. तें कशें म्हळयार, तेदाळा '*पयणारी*' आनी '*मित्र*' म्हळीं दोन सातोळीं मुंबंयत आसललीं. तांचे मधें वरेच पंताट आसल्लो. ह्या दोनयी पत्रांचीं नांवां ह्या नाटकाक कित्या दिलींगाय म्हळें एक सवाल लोकाच्या मतींत उबजोंचें सहज. पुण नाटक पळेल्या उपरांत सगळयांक कळ्ळें की नाटकाच्या काणयेक आनी ह्या सातोळयांक कांय संबंद ना, हें सहज जावन झळकाल्लें नांव व नाटकाच्या प्रचारखातीर केल्लो एक खेळ म्हण पातयेंवक कारण जाता. ह्या वरयणाराक ह्या नाटकांत देंवचाराचो पात्र दिल्लो आसतां ताका चाफ्राची दिग्दर्शनाची रीत आनी शाथी लागशिल्यान पळेंवक मेळ्ळी. अशेंच ताणे दोडो अर्थ दिंवचो '*विशेंतिचे भाव*' म्हळलो आनयेक नाटक वरयलो. क्रिस्तांव समाजांत विशेंतिचे भाव (Brothers of St.Vincent de Paul) म्हळलो दुर्वळयांक मजत करचो संस्थो आसा. नाटकांतल्या काणयेंत एक दुबळो मनीस आसा ताचें नांव विशेंत आनी ताका दोग भाव आसात. ह्या विशेंत आनी ताच्या भावांक 'विशेंतिचे भाव' संस्थ्याचे मजत करुंक आयल्यात. अशें नाटक पळेतेल्याक दोन विंगड विंगड '*विशेंतिचे भाव*' दिसतात. 'विशेंतिचो भाव' संस्थो आनी 'विशेंतिचे भाव' - कुटाम ह्या नाटकांत एकामेका सहज रीतीन मिसळोन गेल्यात. कुटमांत कुडीची दुरवळकाय दिसता जाल्यार संस्थ्यांत मतीची आनी समजोणेची दुरवळकाय उटोन दिसता. गरिबांक मजत करतेले गरिबां भाशेन वर्तन करिनांत वगार आपुण तांकां व्हड एक उपकार करतांव त्या भाशेन चलतात. समाजसेवेचें खरें भावन नासतां ती एक व्यास कशी वापरयेत म्हळें ह्या नाटकांत दाकयलां.

सवार नाटक प्रेमी आनी विमर्शक '*भांगार मनीस*' नाटक ताचो अती श्रेश्ट

नाटक म्हण उल्लेख करतात तर्‍यी देकोस्ताच्या खुद्द अभिप्राये प्रकार *'तर्नें तर्नें मोर्नें'* आपलो अत्युत्तम नाटक म्हणटा तो. हे दोनूय नाटक तंत्रणाच्या दिष्टीन वेगळेच आसात. *'भांगार मर्नीस'* खंयच्याय एक व चडीत मराठी नाटकांच्या प्रभावान वर्यिल्लो म्हण देकोस्ताच सांगता. सगळें चलन व कार्यभाग माळयेच्या एका फ्लॅटांत जाता. हांतूं आमचें पात्र फकत चार. हांतूं खंयचोय एक पात्र नायकाचो आनी हेर पात्र ताका पूरक जावन आसात म्हण सांगोंक जायना. ह्या चोवगां मदलो एकामेकाचो संबंध परिस्थिती प्रमाणे कसो जिवाळटा, कसो बदलता, कसो ना जाता हें नाटककारान भोव कुशलतेन पिंतरायलां. घोव, बायल आनी प्रेमी कशें लागीं येतात आनी पैस सरतात - ही पिंतरावणी परिणामकारी थरान दाकयल्या.

आपलो एक नाटक तर्‍य एका प्रख्यात येरोपी नाटकाचेर आधारीत जावन वर्यिल्लां म्हणं चाफ्रानच सांगलां. हो जावनासा *'दाक्तेर दुसमान'*. हो ताचो निमाणो नाटक म्हळळी अभिप्राय आसा. हो नाटक प्रख्यात येरोपी नाटककार हेन्रिक इबसन हाच्या *'People's Enemy'* ह्या नाटकाचें रूपांतर जावनासा. पुण देकोस्ताचें रूपांतर वाचताना खंच्याय भायल्या संस्कृतेच्या मुळाथावन हुमटून काडल्लो न्हंय बगार एक खरें भारतीय संस्कृतेच्या पाटभुंयचेर वर्यिल्लो मुळावो नाटक कसो दिसता.

देकोस्ताच्या नाटकांनी सबार विशेषणां आसात म्हण पयलेंच सांगलां. नाटकाचीं दृश्यां, काळावधी, कथा-वस्त, समाज जागृणेचो संदेश, झरल्ल्या वाटेथावन वेगळी दिशा आपणायिल्ली आनी प्रमुख जावन ताणें वापरल्ली भाशेची शैली. चाफ्राचे नाटक आज इतले प्रसिद्ध जांवक खंयचेंय एकच कारण खंयचें म्हण विचारल्यार दुबावावीण सांगयेत की ताची अलंकारीक, काव्याळ, सहज विनोद आटापची, जिणयेचीं कोडु-गोड सतां दाकंवची भास. सबार विमर्शकांनी ताच्या भाषा-शैली वयर ताचे विशेस गूण गायल्यात. ताच्या नाटकांतलो शिकपी धरल्लो सादो मनीस सैत एका वेगळ्याच थराच्या काव्याळ भाशेंत उलयता. म्हालघड्यांचें विवेक, आपल्या परिसराची अदभुत जाणवाय, त्या त्या संदर्भा प्रमाणे वेळायोग्य म्हण्ण्यो ज्यो ताणेंच रचल्ल्यो - ताची भाषा- शैली पाचारता. ताच्या नाटकांनी ताणे परिस्थिती अशी मांडून हाडली की कृत्रिम आधाराची ताका गरज पडलीना. आमच्या खासगी, सामाजीक, धार्मिक आनी राजकी जिणयेंतले दोश तशें व्यंग ताणे उगताडाक हाडलें. हामोंवच्या एकाच इराद्यान ताणे नाटक वरयले म्हण सांगोंक जायना कित्याक, ताच्या हरयेक नाटकांत नाटक-कलेचो उत्तीम गूण आसा - कथा-वस्त, तंत्रण आनी संवाद. पुण गंभीर दृश्यांनी सैत संभाषणांतल्या भाशे-शैली वर्वीं उदकांत बुळबुळे उटोन आयिल्ल्यावरी प्रेक्षकाथावन हासो फुटोन येतात. हांतूं नाटककाराची चूक म्हणच्या बदलाक प्रेक्षकाची अपक्व जाणवाय कारण म्हणयेत.

नाटकांतले साहितीक गूण

देकोस्ताच्या नाटकांतलो आनयेक विशेस गूण म्हळयार ताचे नाटक मांचियेर पळेंवक कितले योग्य आसल्लेंकी तितलेंच मझेन ते वाचूंक जातात. खंयच्याय

भाशेंत नाटक-साहित्याक एक महत्वाचो जागो आसता. वळाधिक नाटक मांचियेर किल्लो परिणामकारी जाता तितलोच व ताच्याकी वोरत्या थरान वाचप्याचेर परिणाम करूंक सकता. दुरदृष्टान, ताचे फकत स-सात नाटक छापल्यात. कोंकणींत छापललें नाटक-साहित्य भोव विरळ आसा आनी तशें जाल्ल्यान चाफ्राच्या नाटकांचें साहितिक मोल आनिकूय चडटा. भाशेची गिरेस्तकाय, सोवाय, अलंकार, लोकवेदाची वुन्याद तांतूं भरोन गेल्या.

देकोस्ताक खासगी थरान वळकातेल्यांक आनी ताचीं सामाजिक लेखनां वाचून जाणा आसल्ल्यांक ताचें दाव्या पंगतिचें चिंतप कळीत आसतालेंच. सांप्रदायिक चिंतपाथावन तो पैस आसल्लो मात्र न्हंय सवार पावटी ताच्ये विरोध गेला. हेर नाटककार कितें सांगोंक भियेताले तें तो धयरान पाचारतालो. *'तर्नें तर्नें मोर्नें '* नाटकांत एका फिर्गजेचो विगार आनी ताच्या सहायका (पालवी विगार) मदलो संवांद त्याच दोन पात्रां मदल्या संभाषणावरवीं धारेक धरला शिवाय तिसऱ्या पात्राच्या अभिप्रायें व व्याख्यानावरवीं न्हंय. पुर्वीतयी आमचेवरी रगता-मासाचे, आमचेवरीच पूर्वाग्रहान, दवलतेन, अशीर चिंतपान भरल्ले आसतात म्हळें चाफ्रान उरताडाक हाडलां. *'तर्नें तर्नें मोर्नें '* नाटकांत एक विशेषण आसा. ह्या नाटकाची नायकीण मोर्नें. आनी तें तर्नें तर्नें आसा म्हण नाटकाचें नांवच सांगता. पुण नाटकाच्या सुर्वेरथावन आकेर परयांत मांचियेर मोर्नें दिश्टीक पडाना. तितलेंच न्हंय, पडद्या पाटल्यान सैत ताचो आवाज आयकाना. पुण हरयेका दृश्यांत मोरन्याचो उल्लेख येता. आतुरायेन भरल्लो प्रेक्षक मोर्नें आत्तां येतेलें, न्हंय तर मुखल्या दृश्यांत तरयी आसतालेंच म्हण राकोन रावता. निमाण्या दृश्यांत सैत तें मांचियेर येना तें पळेवन तो निराशी जाता. पुण हें कोणेंय नेगार करूंक जायना की नाटकाच्या सुर्वेर थावन आकेर परयांत मोर्नें प्रेक्षकाक आपल्या मुटींत धरून खेळयिल्ल्यावरी परिणाम करता. इंग्लिशांत ड्याफ्नी दु मोरियर म्हळ्ळया लेखिकान बरयिल्ली *'रेबेक्का'* कादंबरी उडास येता. तांतूयी नायकीण रेबेक्का मोरोन सवार वर्सां जाल्यांत तरयी सगळ्या कादंबरींत ती जीवंत आसल्ल्यावरी वाचप्याक भोगता. तशेंच चाफ्राचें *'मोर्नें '* आमच्या दोळ्यां मुखार ना तरयी आमच्या मनांत राज करता. *'सारीरचें सारीर'* नाटकांत कमुनिस्त वाद, दुबळ्या गिरेस्तां मदलो संघर्ष, शोषित वर्गाच्यांनी धनिकां विरोध बंडाय उटंवच्यांत स्पश्ट केला. *'विशेंतिचे भाव'* नाटकांत दुबळ्याक मजत करचे मनीस समाजेंत प्रतिष्ठावंत, अनकूलवंत जावनासोन दुबळ्यांक मजत करचें तांच्या मोगान व तांचेर विर्मत पावोन न्हंय, तांचेलागीं जायते पयशे आसात म्हणोनयी न्हंय - पयशे ते धा जणांकडचे मागोन दितात - बगार तो एक प्रतिष्ठावंत व्यक्तिची व्याप्त, मजत घेतेल्याक सक्ला घालून ताचे परस आपुण श्रेश्ट म्हण दाकंवचें एक साधन म्हण देकोस्ता प्रतिपादन करता.

चाफ्रान एकच टिकाण्यार अखंड चलन आसचे नाटक बरयले. हांतूं पडदे बांडचें काम ना, पडद्या मदलीं कांतारां नांत. उपलब्ध आसल्ल्या नाटकां

पयकीं थोडे ताच्याच हात बरपांत आसात जाल्यार हेर थोडे हेरांच्या हात बरपांनी आसोन मूळ कृतियो लिपोन गेल्यात. चाफ्राच्याच हात बरपांनी आसच्या थोड्या नाटकांनी सवार दुरुस्ती आसात. थोड्या दिग्दर्शकांनी ताचे नाटक रंगमंच्यार हाडटाना अनकुलते खातीर थोडी बदलावण केल्या. अशें आसतां, जे नाटक ताच्या स्वताच्या हात बरपांनीच उरल्यात तांचें मुळाव्या कृतियेंत अंतिम रूप कशें आसल्लें आनी आतां कशें आसा म्हळळेंय निश्चित सांगोंक जायना. कित्याक, ताचे हातबरपाचे सवार नाटक आतां उपलब्ध नांत. छापिनातल्ल्या नाटकां पयकीं पूर्ण लांबायेचे खंयचे आनी मोटवे खंयचे म्हळळें सांगोंक कष्ट.

चा.फ्रा. डेकोस्ताचो मित्र आनी ताची माहितीक जीण लागशिल्यान वळकाल्लो एरिक ओझेरियो म्हणटा, "चाफ्रावाव मुंबयथावन मंगळूराक आयल्या उपरांत ताणे एक एकांकी नाटक बरंवक चितलें. त्या वेळार हांगाच्या एका नाटककारान ताका धमकी दिल्ली आसा 'तूं आमच्या पोटाक पाय दींवक आयलायवे? हांगा आमी नाटकां मधें पदां म्हणटांव. तूं एकांकी नाटक कर्न आमच्या पोटाक पाय दींवक आयलाय. तूं आयल्ल्यावरी पाटीं व्हच.' ताच्या नाटकांतलें साहित्य, पात्र चित्रीकरण, कथा-वस्न आनी संवाद आज खंच्याय हेर नाटकांनी नांत. हें हांवें मात्र म्हणचें न्हंय ताच्या भांव कठीण टीकाकारानी सैत सांगलां. एका स्फर्ध्यांत चाफ्राच्या नाटकांक प्रवेस नातल्लो. ही ताका लाभल्ली अधीक व्हड प्रशंसा. कोंकणी नाटकांत ताणे गुणमट्टाची क्रांती हाडली. हांवें ताचो बऱ्यांतलो बरो नाटक विंचो जाल्यार 'शिरगुंडी शिसांव'. चाफ्रावावाचें विशेषण कितें आसल्लें म्हळयार, कॉमेडींतर्यी ट्राजडी हाडूंक तो सकतालो. '*सागीरचें सागीर*', '*पुणे साजार हासता*', '*विशेंतिचे भाव*' ह्यो सगळयो कॉमेडी तरयी तांतूं ट्राजडीय आसा. '*जोर्जी वुतेल*' म्हाका तितलो विशेस दिसोंकना. '*दोरो*' म्हाका बरो लागलो. तांतूं दार्शनिक सत्व आसा. ताच्या नाटकांनी विशेस कथा-वस्त ना. नाटक आकेर जाताना 'नाटक जालांगी?' म्हळळो उदगार थोड्यांच्या तोंडांतथावन येता."

थोडे विमर्शक म्हणटात की ताचे नाटक प्रस्तुत काळाच्या प्रेक्षकाक समजोंचे न्हंय बरार पंचवीस-तीस वर्सां उप्रांतल्ली नाटक-कला ताणे प्रस्तुत काळार दाकयल्या. सांप्रदायिक नाटक पळेवन आसल्ल्या आमच्या कोंकणी लोकाक नवें स्वीकार करचे इतली शाथी व इच्छा नातल्ली. सवार पावटी ताचे नाटक समजानासतां निराशी जाल्ले प्रेक्षकूय आसात.

पयलेंच्या नाटककारांनी वळाधीक सब्द, वळाधीक वाक्यां आसल्ले संवाद बरयल्यात, तांच्या उत्रांनी अलंकार घाल्यात, विनोद घाला. पुण त्या नाटककारांचो एकच इरादो आसल्लो खंयच्याय थरान प्रेक्षकांक हासंवचो व रडंवचो. नाटकाचें संपूर्ण तंत्रण उंचल्या पांवड्याक व्हरिनासतां ते अशें करताले. पूण चाफ्रान फकत हासंवच्या खातीर व रडंवच्या खातीर नाटक बरयलेनांत. वेगवेगळया सन्निवेशांनी मनशाच्या जिणयेंतलीं संतोसाचीं, दुकाचीं खिणां, गुस्पोड गोंदोळ,

ताणें आपल्या भाशेंत वापरलें. ताच्या भाशेंत आमच्या गांवच्या मातयेचो वास आसा. साद्या लोकान मदांच्या जिणयेंत वापरची भास तो वापरता तरीय ताच्या शैलींत एक अदभुत आकर्पण आसा. शेकड्यांथावन, पिळगेच्या पिळगेन वापरून आयिल्ली भास तांयी वापरता पूण तांतूं आपले अलंकार आनी उपमां घालून कोंकणी भाशेची गिरेस्तकाय तो संसारक पाचारता. लोकाच्या जिवेर गोळच्या सादींक आनी म्हण्ण्यांक तो वेगळेंच रूप दिता. साद्या लोकामदलोच तो एक तरीय तांचेथावन तो वेगळो आसा. आपल्या नाटकांनी कोंकणी भाशेचो अदभुत प्रयोग ताणे केला. शारांत व गांवांत लोक कसो जियेता, कसो उलयता, तांचीं भावनां कितें, तांच्यो आशा, आकांक्षा कितें, हें तो पूरा शिकला. मंगळूरांत आनी मुंबयंत आपल्या दुबळया कुटमा सांगाता जियेवन आसताना ताका आपल्या कोंकणी संस्कृतीथंय चड वोडणी भोगली आनी त्याच वेळार मराठी आनी इंग्लिश नाटकांचो प्रभाव पडलो. ह्या दोनांचें मिश्रण ताच्या नाटकांनी खूब दिसोन येता. थोडेकडे ताची भास काव्याळ आसा तर हेर थोडेकडे ती व्यंग्यात्मक आनी विनोदिक भास जाता.

❑

अध्याय 5

विंचणार नाटक

चा.फ्रा. डेकोस्ताच्या थोड्या विंचणार नाटकांथंय आमी वारकायेन एक दीष्ट घालची गरज आसा. ह्या खातीर ताचे थोडे चड नांवाडदीक नाटक विंचल्यात. हांतूं नाटकांतले प्रमुख पात्र, नाटकाच्या काणयेचो सारांश आनी नाटकांतलीं थोडीं स्वारस्यभरीत अलंकारीक उतरां दृष्टांत म्हण दिल्यांत.

'भांगार मनीस':

हो नाटक खंयच्या वरसा बरयल्लो म्हळ्ळो उल्लेख ना. पुण 1968 वरसा तो पयलें पावट प्रदर्शनाक घालो जाल्ल्यान त्या वरसाच बरयिल्लो म्हण अंदाज करयेत. 1996 वरसा मंगळूरच्या सां लुविस कॉलेजिच्या कोंकणी अध्ययन संस्थ्यान तो प्रकाशित केलो. मंगळूर विश्वविद्यलयान तो पाठ पुस्तक म्हण स्वीकारला. ह्या नाटकांत फकत चार पात्र आसात आनी तांकां सगळयांक लगभग एकाच थराचें महत्व आसा.

नाटकांत विशेस संघर्श उबजोंवची परिस्थिती जांव, भोगणांचें विशेस प्रदर्शन जांव दिसाना तें खरें. पयल्या दिश्टीक ही एक अनिरीक्षित सन्निवेशांनी आनी योगायोगान भरल्लेली कॉमेडी तशी दिसना तरयी हांतूं उंचले नाटकीय गूण आसात. जन्ना आनी इन्नाच्या काजारी जिणयेंत सदांचें झगडें, चूक समजोणी आसा. त्या पाटभुंयचेर जन्नाचो आदलो ईष्ट आनी ताच्या बायलेचो आदलो प्रेमी मोन्ना एकाचफावट तांच्या जिणयेंत प्रवेस जाता पुण वेगवेगळ्या थरान. मोन्ना चिंत्ता तो चोर म्हण पुण इन्ना ताका वळकाता. अशें हांगासर जिणयेंतली थोडीं सतां उगडाप्पीं जातात खूब हास्य विनोदाक अवकास आसा. एकाच रतीच्या थोड्याच वोरांच्या ह्या कथा-वस्तूंत चाफ्रान आपल्या भाषा शैलीचो वरो प्रयोग करून नाटक उंचल्या मट्टाक हाडला. चारच पात्र जाल्यारयी सुरू थावन आकेर पर्यांत नाटक प्रेक्षकाचें ध्यान मन वोडूंक सकता. नाटकाच्या सुर्वेरच चालू जाल्लें चलन खळ्ळोमित नासतां सरार व्हाळोन प्रेक्षकाक कुसाळां दुखासर हासयता मात्र न्हंय ताका कदेलाच्या टेंकाक हाडून पायता. ह्या नाटकाचेर मराठी नाटकाचो प्रभाव पडला तसो दिसता.

'भांगार मनीस' नाटकाचे मुंबय, मंगळूर आनी बेंगळूरांत सवार प्रयोग जाल्यात. आनी थोड्या नाटक स्पर्धांनी ताका पयलें इनाम फावो जालां.

ह्या नाटकाची विशिश्टता म्हळयार, घोवा-बायलेच्या टेंगांच्या संसारांत

तिमरां एकलो तांच्या तेगांयच्या पाटल्या जिणयेंतलें कांडू-गांड अनभांगांचें वोजें हाडून चिंतिनातल्ल्या वर्गी अकस्मात प्रवेस जालो तर, तांच्या तेगांयच्या जिणयेंत कसलें वादाळ उट्टा तें ह्या नाटकांत आकर्शक रितीन पिंतरायलां. नाटकाची सुरवात कशी मोन्नाच्या अकस्मात प्रवेसान जाता तशीच आकेरयी ताच्या अकस्मात निर्गमनावरवीं संपता. नाटकाचें अंत सवार नाटक प्रेमींक दोंग्राग व्हर्न सकैल उडयिल्ल्यावरी भोगात. कित्याक, नाटकाच्या आक्रेक प्रेक्षक जिणयेंतल्या थोड्या गूंड सवालांक जाप आशेता तर तो निराशी जांवचें सहज. ह्या नाटकांत तशें चाफ्राच्या हेरयी सवार नाटकांनी घोव-बायलांच्या समस्यांवयर एक क्षकिरण घालां शिवाय तांचो परिहार दाकंवचें प्रयतन ताणे करूंक ना. तें आपणाचें कर्तव्य म्हणयी तो पातयेना.

ह्या नाटकांतलीं थोडीं अलंकारीक उतरां:

"म्हजो घोव दळदिरो जाल्यारूय बरो मनीस, भांगार मनीस. गांवार मोगोल्यां थावन मडवळा परयांत तो जाय. भिकाऱ्या थावन बेवद्यां परयांत तो राय. ताका भुरगीं नांत पुण लागशिल्या सगळया भुरग्यांक तो पाय, विल्डिंगाचो कळो."

"आदीं घोवाच्या बोटाक सूय चाबली जाल्यार नाकाक वाग चावल्ल्यावरी नाचताल्यो बायलो. आतां पाय निसरोन तोडांत पडलो जाल्यारीय, आमाल देंवल्या उपरांत उटोन येतलो म्हण चलतच रावतात."

"कामाथावन पुरासाणेन घराभितर सरलों, तोंडार हास्याचो परजळ ना. बगार काळोकांत पुरपुरे. पुरासाणेन येवन बसलों, जिबेच्या पोंतार मयपासाचें एक उतार ना. बगार जिव्या लांकडाचे मुरमुरे."

"म्हजें पोट मासा पोळियेन सुजलां, दुधा पोळियेन भिजलां"

'तर्नें तर्नें मोर्नें':

हो नाटक पुस्तका रुपार 1989 वरसा उज्वाडायलो. ह्या नाटकांतलीं प्रमुख पात्रां जावनासात: *विगार* आनी *काजितोर* (पालवी विगार) - मुर्नाळ फिरगज मांवाळचे; *मोना कार्वाल* - मुर्नाळ गांवचो आस्तिदार आनी मासळे व्यापारी; *डोना कार्वान* आनी *विन्ना कार्वाल* - ताचो पूत आनी ताची धुव; *तुरूप जॉनी* - बेकार आसचो, मोर्न्याच्या मोगार पडला.

नाटकांतलीं पात्रां खळानासतां मांचियेर भायर भितर व्हेताना रेलवे स्टेशनांत प्रवासी भायर भितर व्हेचें दृश्य प्रेक्षकांच्या दोळयां मुखार येंवचें सहज. पूण हें सादृश्य इतल्यार आकेर जाता. रेलवे स्टेशनांत पाशार जांवच्या प्रवासींथंय आमकां वेगवेगळें व्यक्तित्व वळकोंक जायना. पूण *'तर्नें तर्नें मोर्नें'* नाटकांत चडशे पात्र आसात तरयी, मांचियेर दिसानासचें मोर्नेंच नाटकाची नायकीण तरयी. पात्रांमदली विविधता उटोन दिसता. चिंतिनासल्लीं सन्निवेशां एका पाटल्यान एक घडोन येताना हास्यांचो व्हाळोय खळानासतां व्हाळोन व्हेता. 'तांवडो' पिया कमुनिस्म वाद प्रतिपादन करताना देकोस्ताच्या कमुनिस्म चिंतपाची झळक दिसता.

नाटकांतलीं थोडीं अलंकारीक उतरां:

"गंदच्या कुडांतलें आंज तें आनी निदच्या कुडांतलो देंवचार"

"दर्यांत न्हांवक व्हेताना फाल्यांथावन भितरल्या मात्रिंचो लोव वरतां हांव"

"स्त्री मात्र घोळता. गळता. वोळता, आनी मांदी मुल्यांनी पोळता उंदिरलेवरी, वाघिणी बरी, गांयदोळा बरी"

"थोड्यांचे जीव आसतात पेरमरीयेदे आनी तांच्या हरद्यांत काळीज आसता सुकल्ल्यें सुपारीयेदें. तांच्या कङ्याभितर मेंदू आसता पिसोळयाच्या पिंता येदो."

"सिरसांगेलागीं गोडसाण विचारची न्हंय, आसाशेलागीं उजवाड विचारचो समा पूण मनशालागीं समाधान विचारूंक जायना."

"भंडवाळशाहिच्या फसवणेन कामागारांच्या दोळयांक मांडल्ली साय म्हळयार मोग."

'दाक्तेर दुस्मान'

हेन्रिक इब्सनाचो नांवडर्दीक नाटक *'दि एनिमी ऑफ दि पीपल'* ('The Enemy of the People') चाफ्रान *'दाक्तेर दुस्मान'* नांवाखाल कोंकणींत रूपांतर केला. हेन्रिक इबसन येरोपांतल्या नोर्वे गांवांत एकिणसाव्या शेकड्यांत एक आधुनिक नाटककार म्हण प्रसिद्ध जालो. नैजतेन भरल्ले संप्रदायाथावन पैस आसल्ले, ज्वलंत सामाजिक समस्यांचेर उज्वाड फांकंवचे सवार नाटक ताणे बरयले. *'आधुनिक नाटकांचो पिता'* म्हणयी ताका वळकातात. सार्वजनिक सेवेंत आसचे कितलेशे मनीस नितिची वाट सोडून आवळायेच्या लवधोणेक सांपडोन वांकडी वाट आधारतात पुण तांच्या पदवेक व व्यक्तित्वाक लागोन तांचीं काळीं कर्तुवां लिपोन व्हेतात. पुण ह्या नाटकाचो नायक सार्वजनिक सेवेंत आसोनयी सता खातिर झुजता तें मूळ नाटकांत कितल्या वळाधीक थरान पिंतरायलांगी तितल्याच वळाधीक थरान चाफ्रान रूपांतरीत केलां.

'रोजीक काजार'

1992 वरसा *'मांड सोभाणा'* चो गुर्कार एरिक ओझेरियोन येवजून हाडल्ल्या *'परब'* सांस्कृतिक फेस्तांत *'रोजिक काजार'* म्हळ्ळो सांप्रदायिक कोंकणी क्रिस्तांव काजारांचो सोवीत झळक दाकंवचो एक प्रयोग मंगळूरांत जालो. गोंयांत आनी मंगळूरांत आदलीं क्रिस्तांव काजारां लगभग एकाच थरान जातालीं. सयरिकेच्या माल्यान (दलाल्यान) सयरीक करची रीत, काजाराची वोवळीक (आपवणों दिंवचीं), 'रोसा' दिसा (काजाराच्या आदल्या दिसा) दायज्यांनी वोजीं हाडचीं, रोस पुसचो, सगळी रात व्यॉन्ड आनी नाच, नोवऱ्यान/व्होकलेन दुसऱ्ये दिसा रेस्पेराक भायर सरचें, इगर्जेंत रेस्पेराची रीत, रेस्पेर उपरांत वोगण व्हेचें, साडो न्हेसंवचो, सोव्यार वसंवचें, वोवियो आनी वेस, आयेर (कार्णीक) दिंवचो, व्होकलेक ओपसून दिंवचें आनी निमाणें पंगतिचें जेवाण. हें सर्व आटापचीं दृश्यां ह्या संगीत नाटकांत आदल्या न्हेसणाचेर घडून हाडल्लीं. ह्या संगीत

नाटकाचें प्रमुख आकर्षण जावनासल्लें प्रो. वंनंट पिंटांचें जस्या संगीत आनी चाफ्रान पात्रां खातीर आनी सूत्रधार खातीर बरयिल्लीं आनी वाचल्लीं उतरां - उतरां सुलभायेन विसरचे तसलीं न्हंय. दाखल्याक, गेस पुसच्या संतोसाच्या संदर्भार सूत्रधाराच्या तोंडांत थावन नारलाची स्तुती आटापचीं चाफ्रार्चीं उतरां असीं आसात:

"सुर्यो मोवाळोन अस्तमतेंत विशेव घेताना गेसाची तयाराय. गेस नारलाचो, हजारों वर्सांथावन अस्तमते करावळेंक पोसल्ल्या त्या त्या कल्परुकाच्या फळाचो. हो लोक ताका विसरना. आतांय तीन सेंट्स सुवातेर घर बांधचें बांधून दोन कावाते लायता. कित्याक मालघड्यांक त्या झडान घराक पकाशे, रांदणीक जळव, व्होडपांक सोडलां, पाक्यांक आडीं, मुल्यांक वेडसोलां, कडियांक कांतळी, सात्याक तेलां आनी सर्जेक सुर दिल्या. गोजिक आतां ते सोराळ कांतळेचो गेस पुसतात - पयलो पिळल्लो फेंड - फेंडेराचो आपरोस."

❑

अध्याय 6

प्रगतिशील पत्रकार

चा.फ्रा. देकोस्तान 1950 वर्सा स्थापन जाल्ल्या '*पयणारी*' हफ्ताळयाचें संपादकपण तीन वर्सां (1958-1960) चलयलां. त्या शिवाय '*जागमाग*' '*विशाल कोंकण*', '*उदेव*' आनी '*जिवित*' म्हळळीं नेमाळीं वेवेगळया अवदेंत काडून वेवेगळया अवदे पर्यांत चलयल्यांत. '*जिवित*' एक सोडल्यार हेर सगळीं थोडोच तेंप चलोन बंद पडल्यांत. '*जिवित*' ताणें काडल्ल्या नेमाळयां पयकी निमाणें आनी हें ताणें आपल्या मरणा पर्यांत लगभग 10 वर्सां चलयलें.

देकोस्तान केल्लें पयिल्लें नेमाळें जावनासल्लें '*जाग-माग.*' हें ताणें 1956 वर्सा स्थापन केलें. तें किनल्या तेंपाक चल्लें आनी खंयच्या वर्सा बंद पडलें हाचो उल्लेख खंयीं मेळाना. पूण 1958 वर्सा जेदना ताणें '*पयणारी*' संपादकपण हातीं घेतलें तेदना तें बंद आसल्लें. '*पयणारीचें*' संपादकपण सोडल्या उपरांत 1961 वर्सा, ताणें '*विशाल कोंकण*' सुरू केलें. तवळ मुंबयांत लेमिंग्टन मार्गार ताणें आपलोच ल्हानसो एक छापखानो काडिल्लो. पूण '*विशाल कोंकण*'*यी* पैशांच्या आनी वरपांच्या अभावान बंद करिजाय पडलें. हीं नेमाळीं जीवंत आसतानांय खळाप नासतां वायद्या प्रमाणें छापूंक ताका साध्य जांवक ना. पयल्या सुवातेर, कोंकणींत नेमाळीं वाचपी लोक नियमित आसोन तांचें ध्यान एकत्रित कर्न अंक्यान अंक वेळार तांच्या घरा दारार पावित केल्यार मात्र ते पत्र वाचपी प्रक्रिया चालू दवर्तीत. इंग्लिश आनी हेर सुधारित भारतीय भाशेंची पत्रां, वरपांनी, इस्तिहारांनी, आधुनिक तंत्रणांनी, वृत्तिपर पत्रकारांनी सुसज्जित आसोन वाचप्यांचें ध्यान लांब काळाक वोडूंक सकतात. ही तांक कोंकणी पत्रांक व पत्रकारांक खंडित ना. थोडेच अपवाद सोडल्यार, कोंकणी पत्रांक हें एदोळ साध्य जांवक ना. चा.फ्रा. देकोस्ता तसल्या ध्येयवादी, एक्सुऱ्या, खडाखड चिंतपाच्या आनी उलवण्याच्या मनशाक दोन थरांच्या वाचप्यांक तोंड दीवक पडलें. एका वाटेन सांप्रदायिक चिंतपाच्या व्हाळयांत बुडोन गेल्ल्या कोंकणी क्रिस्तांव समाजेक धार्मिक विषयांचेर कितेंय असंप्रदायिक व वेगळें चिंतप, उलवप, वरप व कार्य बरें लागलेंना. चाफ्राचें वरवप दाव्या पंथाचें मात्र न्हंय तें धार्मिक संप्रदायांत ल्हान व्हड जाल्ल्या समाजेक ह्या दिशेन स्वतंत्र चिंतपाच्या ताचीं वरपां कोडू लागलीं.

पत्रकारिकेंतलें वेगळेंपण

ह्या वेगवेगळया पत्रांनी विविध थरांचें यश ताणें जोडलां. जशें ताच्या काव्या आनी नाटक साहित्यांत ताणें एक वेगळेंपण हाडलें आनी तें कोंकणी

लोकाक विशेस मेचयालें, त्याच परीं ताची पत्रकारिकाय एका वेगळयापणान भरोन आसल्ली. पत्रिकोद्यमांत ताणे आपलीच एक क्रांती घडयली. पत्रकारिकेंत ताचें साधन मौल्य-मापन करचें जाल्यार, हांतूं दोन प्रमुख व्हाळे आमकां झळकातात. प्रथम जावन दिर्शीक पडटा ताची 'ट्रेड-मार्क' भाशे-शैली. जशें ताच्या नाटकांनी आनी काणियांनी ताची विशिश्ट शैली उबारोन दिसता, त्याचपरी ताच्या लेखनांनी ती शैली उठोन दिसता. थोडे पावटी त्या शैलेच्या आकर्षणेंत ताणे सांगोंक सोधचो विषय लिपोन व्हेतालो ती वेजारायेची गजाल. जाल्यारयी थोडे पावटी तीच शैली ताच्या उतरांक दोडतें वळ दिताली. ताच्या पत्रकारिकेचो दुसरो आनी चड महत्वाचो व्हाळो म्हळयार, समाज परिवर्तनाच्या दिशेन ताणे केल्लो वावर. सवार ज्वलंत विषयांक ताचीं नेमाळीं एक सकतेभरीत माध्यम जालीं. म्हार-कोरगारांचें शोषण, वीडी कामगारांची दुरवस्था, आमाल पियोणें आनी प्रमुख जावन, दोती विरोध चळवळ - हीं जावनासात ताणे हातीं धरल्लीं थोडीं सामाजिक वायटां.

जें धोरण, जी भाशे-शैली, जे विषय आपल्या नेमाळयांनी ताणे आपणायले, हांतूं स्पश्ट कळोन आयलें की ताचें संपादकपण न्हयिंच एका नेमाळयांत जागो भरच्या इराद्यान बरयणारांनी धाडल्लें छापच्याक मात्र मीसळ आसल्लें, बगार समाज परिवर्तनाचें एक भोव बळाधीक हातेर कशें ताणे वापरलें. साद्या लोकाचेर ताच्या आनी ताचेचपरी चिंतच्या ताच्या सांगाती बरयणारांथावन विशेस परिणाम जालो. लोकामधें एका थराची जागवण जाली. आपणाक कोणींय पळेनांत म्हण चिंतून दोळे धांपून दूध पियेंवच्या माजरावरी, समाजेंतल्या वायटांचेर दोळे धांपच्या सवारांक तकलेक कूट घालून जागयिल्ल्यावरी जालें. खंयसर ताका धार्मिक व्हडिलांची चूक दिसली थंयसर खडाखड उतरांनी तांची टीका करूंक तो पाटीं सरलोना. हाचो परिणाम शत प्रतिशत बरो जालो म्हणोंक जायना. कित्याक, सवार व्यक्तिंची उरत्यान व लिपतीं दुस्मानकाय ताणे जोडून घेतली. ताणे सुरु केल्लीं नेमाळीं कित्याक खळानासतां छापून येनांत म्हळें सवाल सबार जणांनी ताका सवार पावटी विचारल्लें आसा. हाका जाप जावन तो केदाळाय सांगतालो, *"एक नेमाळें एक व्यवहार म्हण चलंवची शाथी जांव, तालेंत जांव, म्हजे थंय ना. हांव म्हज्या वाचप्यांच्या विश्वासाचेर मुखार सरलां. म्हजी व्हडली अडचण जावनासा म्हज्या धोरणांक सरी जावन बरंवच्या लेखकांचो अभाव. समाजेंतलीं वायटां धेरान उगताडाक हाइून पोंत परयांत झुजचे लेखक मेळनांत. सवार पावटी सगळो अंको भरची जवाबदारी म्हजेर पडली. हें म्हाका सतत चालू दवरूंक साध्य जालेंना. म्हज्या मना-जोक्तीं बरपां मेळानातल्ल्या वेळार कितेंय बरवन एक अंको काडच्याकयी तो काडीनासतां रावल्लेंच बरें म्हण म्हाका दिसलें. व्हय, हांव वाचप्यांक, वरगणदारांक अन्याय करतां म्हण जाणा आसल्लों, पूण पत्रकारिकेच्या म्हज्या उंचल्या ध्येयांक मोडूंक तयार नातल्लों."*

17 वरसांच्या पिरायेर तो मंगळूरथावन मुंबय आयलो. मंगळूरांत आसताना

नेमाळयांखातीर तो बरयतलो व ना ताचो उल्लेख मेळाना. तो मुंबय पावताना थंयसर कन्नड लिपिचें एकमात्र मातोळें जावन '*सुख-दुख*' आसल्लें. 1950 वरसा '*पयणारी*' आनी 1953 वरसा '*मित्र*' मातोळीं उदेलीं. देकोस्तान मुंबय पावोन दोन वरसांनी म्हणजे 1950 वरसाच्या सप्तेंबर म्हयन्यांत, '*सुख-दुख* ' पत्राक प्रथम पत्र बरवन आपली एक कविता धाडली. त्या पत्रांत तीन प्रमुख विषय झळकानात. पयलो, कोंकणी भाशेचेर ताका आसचो अपार मोग, दुसरो, माय-भाशेचेर कोंकणी लोकान दाकंवची अलक्षा आनी तिसरो, ताचें खालतेंपण. त्या पत्राचो संपूर्ण पाठ हांगासर दिला:

इब्राहिम बिल्डिंग, पयली माळय, रूम नं.19
150 /150A रिपन रोड, बायकाला, बोंबय 8
तारीक :16वी सप्टेंबर 1950

मानाधीक संपादक महाशयाक,
'सुख-दुख' वोंवय
सायबांनो,

कोंकणी भाषाभिवृद्धेक तुमी दिंवच्या अगाध प्रोत्साहाच्या बोळान, स्वाभाविक मनाचा कावजेणेचेर जैत वरून दोन सब्द बोगेंवचें साहस हातांत घेतां.

कोंकण प्रजेच्या दुखास्पद अलक्षेबोरवीं, आनी हरयेका भाषा प्रेमीक लज उत्पन्न करच्या त्या परकीय भाषा प्रेमाबोरवीं कोंकणी भाषेचें नांवंच पुसुन गेल्ल्या ह्या वेळाचेर तुमी 'सुख-दुखा' मुखांत्र मातृ-भाषेक करच्या अपार सेवेक होगळाप फावो. ही केवल मुखस्तुती नंय आसोन, हरयेका हफत्याक प्रकट जांवच्यो 'सुख-दुख' प्रतियो या उतरांचें मत सिद्ध करतीत. सर्व भाषाप्रेमी सांगाता तुमच्या या कार्याक यश लाभोन, 'सुख-दुख' पत्र कोंकण प्रजे मधें चड आनी चड प्रीतिचें जांवदी म्हणोन प्रार्थन करतां.

ह्या पत्रा सांगाता हांवें तयारसिल्ली एक अल्प कृती धाडतां. नानांत्या चुकिंनी भरोन, प्रकटसूंक पुरतें अयोग्य जांवक पुरो. पूण तुमचेथावन दोन प्रोत्साहित सब्द हांव अपेक्षितां. वृद्धी करूंक तुमचे विंचणार विचार बरोवन तुमच्या अपार ज्ञानाचो वांटेलो जांवचें भाग लाभोवन दितेल्यात म्हण पातयेतां.

इती कोंकणी मायेक जैत मागोन तिरसितां

चा.फ्रा. देकोस्त

वी.सू. हाच्या सांगाता जवाब खर्च जावन दोन आण्यांची टपाल तिकीट आनी चार रुपय 'सुख-दुख' पत्राक वरसाची वर्गणी जावन धाडतां. दया कर्न वर्गणिदारांच्या नांवा मधें म्होजें नांव कुडसिया.

चा.फ्रा. देकोस्त

1950 वरसा, '*सुख-दुख*' पत्राक ताणें चार तरयी कविता धाडल्लो उल्लेख आसा. संपादकाक तो तवळ तवळ बरयतालो. तांतलो अर्धाक जावन खासगी

पत्रां. 1950 आक्तोबर 19वेर बर्गयल्ल्या पत्रांत आपणाक *'सुख-दुख'* वेळार मेळाना म्हळ्ळो शिण तो उचारता.

आपलें फुलोन येंवचें साहित्य उज्वाडांवक ताका आनयेक अवकास लाभलो.1950 वरसा स्थापन जाल्ल्या *'पयणारी '* सातोळयांत 1951 थावन ताणे बरंवक सुरू केलें. *'पयणारी '* चो स्थापक-संपादक आसल्लो तवळचो प्रख्यात कादंबरीकार वि.जे.पी. साल्दान्य. त्या दिसांनी *'पयणारी '*चो छापखानो मुंबयच्या कुलावा वठारांत आसल्लो. देकोस्ता थंय येवन साल्दान्याक मेळटालो. तशेंच हेरयी थोडे कोंकणी साहित्ती आनी मोगी थंय सांगाता मेळटाले. हांच्ये पयकी ए.टी. लोब, पी. डिसोज, आपोलिन जे. पींत, मार्क डिसोज आनी हेर आसल्ले. *ए.टी. लोबान* देकोस्ताक *'बर्नाड शॉ'* म्हण आपंवक सुरू केल्लें ह्याच वेळार, कित्याक, तो नाटकांविशीं आनी प्रतेक जावन येरेपी नाटकांविशीं केदाळाय उलयतालो. *'पयणारी '*त आपल्या संदर्भा प्रमाणे मटव्यो कथा आनी कविता ताणे बरवन धाडल्यो.

पयलेंच सांगल्ल्ये प्रकार, देकोस्तान संपादपी जावन चलयिल्लें पयलें नेमाळें जावनासल्लें *'जाग-माग '* सातोळें. ह्या सातोळयाचो म्हालक दुसरो आसल्लो. ताचो पयलो अंको 1956 जानेर 25वेर उजवाडाक आयलो. हें सातोळें थोडोच काळ चल्लें. कित्याक, 1958 वरसाच्या सुर्वेर तो *'पयणारी'* सातोळयाचो संपादक जाल्लो. *'जाग-माग'* पत्राचो संपादक जातना चा.फ्रा. देकोस्ता फकत 24 वरसांचो तरनाटो. पत्रकारिकेथंय, समाजेथंय ताचे विचार वोंग्यांतथावन फुलोन येंवचो काळ तो. मुखल्या वरसांनी ताणे दाकंवक आसल्ल्या प्रतिभेचो झळक आतां दिसोन येतालो मात्र. ह्याच अवदेंत ताणे *'लज'* म्हळळी सांकळ-कथा बरयली. सांकळ काणी म्हळयार, लांब काणयेचो एक ल्हान वांटो हरयेका हफत्यांत छापचो. हांतूं बरयणाराकयी फायदो, पत्राकयी फायदो. बरयणाराचो फायदो पयशांनी न्हंय पूण आपली कादंबरी वाचप्या परयांत पावली म्हळ्ळी तृप्ती ताका भोगताली. कित्याक,आपली कादंबरी पुस्तका रुपार छापची तांक ताका नातल्ली. आट वरसां आदीं मुंबयांत सुरू जाल्ल्या *'सुख-दुख'* सातोळयाचो संपादक जी.एम.बी. रोड्रिग्सान सांकळ-काणियेची परंपरा सुरू केल्ली.

'जाग-माग' नेमाळयाचो एक अंको (1956 फेब्रेर 8) पळेतना तांतूं थोडीं वेगळीं बरपां दिसतात. प्रसिद्ध कवी फेलिक्स पावल नोरोन्याचो कविता-संग्रह *'फुलांचो तुरो'* हाचो विमर्सो आनी नोरोन्याची एक कविता तांतूं छापल्या. नेमाळयाक बरें मागोन बरयिल्ली कविता ती. तांतल्यो निमाण्यो वोळी अश्यो आसात:

'सासाण जागृत वर्तवता मोल मानव स्वातंत्र्याचें'
सदां-चतुर आसची समाज जिकता झुज जिणयेचें
थांबोनासतां चलता प्रयतन कोंकण्यां हक्कां राकोंक
'जाग-माग' मित्रा, तुजी कृपा सदांय आमचेर आसों !

पत्राचें मोल फकत देड आणो आसल्लो तरयी तितले दीवन काणघेताना पन्नास पुरपुरे आयकोंक मेळतालें म्हणटा तो. 8 पानांच्या ह्या सातोळयांतल्या तिसऱ्या पानार संपादक '*चा.फ्रा. देकोस्ताथावन कानांतच थोडे फुसपुसे*' म्हळळया शिरोनांवाखाल आपल्याच विशिष्ट शैलेंत '*जाग-माग*' विषांत वाचप्यांच्या प्रतिक्रियेवयर आपली प्रतिक्रिया उचारता. कोंकणी भाशे विषांत तो कळवळटा, "*मतींतलीं चिंतनां सगळीं त्या भाशेंत व्हाळल्लीं जाल्यार ! पूण म्होजी भास खंय पावल्या देवा? म्हागच्या पांगान चिंवोन उडयिल्ल्या कोवाच्या चिंवडांक चड मोल आसा पूण त्या भाशेक आज देड आणो दितानांय पन्नास पुरपुरे आयकोंक मेळतातसू. ती समजाना. ती व्होडलें शिकलेल्यांक मात्र. आमकां दुबळयांक नहीं. ती वाचल्ली आयकोंक बरी लागात पूण वाचूंक नहीं. आनी हें कितलें म्हण आयकोवयेत ?*"

दोती विरोध चळवळ

पत्रिकोद्यमांत ताची भोव महत्वाची आनी उटोन दिसची चळवळ जावनासल्ली दोती विरोध ताणे केल्लो प्रचार. पत्रकारिकेंत हें ताचें विशेस योग-दान म्हणयेत. '*पयणारी* ' सातोळयाचो संपादपी जावनासतां, म्हणजे 1958 वरसा, ही चळवळ ताणे सुरु केली. एका वरसा भितर ती इतली विस्तारली की '*पयणारी* 'चीं अधिकांश पानां ह्या चळवळीखातीर मीसलात जालीं. युवजणांच्या मतींत दोती विरोध भावनां घट रोवलीं. विशेस संख्यान युवजणां चा.फ्रा. देकोस्ताच्या दोती विरोध संस्थ्यांत भरती जालीं आनी ताका पुरतो पाटिंबो दिलो. न्हंयींच मुंवयांत, वगार पुणेंत आनी कर्नाटकांत सैत देकोस्तान आपल्या दोती विरोध चळवळिचें तुरंवेत व्हाजयलें.

देकोस्ताच्या दोतीविरोध चळवळिचो प्रेरक जावनासल्लो तवळ मुंवयंत फुलोन येंवचो कामगार आनी सोशलिस्त फुडारी जोर्ज फेर्नांडीस. एक दीस एका कामगार संघटनेच्या जमातींत तो आनी देकोस्ता सांगाता बसोन आसल्ले. देकोस्ता तवळ '*पयणारी* ' सातोळयाचो संपादपी जावनासल्लो. देकोस्ता आनी फेर्नांडीस थोड्या वरसांथावन एकामेका वळकाताले. फेर्नांडीसान देकोस्तालागीं विचारलें ताच्या पत्राचो उद्देश फकत कोंकणी भाशेचो उद्धार मात्र या हेर कितेंय आसा?

"कसलो उद्देश आमी हातीं घेंवक जाय म्हण्टाय?" प्रतिसवाल घालें देकोस्तान.

"समाज परिवर्तनाचें कितेंय काम हातीं घेवयेत न्हंयवे?" सांगलें फेर्नांडिसान.

"प्रतेक जावन कितें अपेक्षिताय?" विचारलें देकोस्तान.

"आमच्या गांवांत काजारा माटवांनी शिरोतेर जेवन जाल्या उपरांत उडंवचें उस्टें, कोरगार आरावन घरा व्हरतात आनी जेवतात. हें आमी आडायजाय. ताचे विरोध तुज्या पत्रार प्रचार करिजाय आनी जाता जाल्यार तें वायट स्वता व्हचोन आडायजाय."

देकोस्ता चिंतूंक पडलो. "हें कार्यरत करूंक कष्ट" तो म्हणालो, "एक, मुंवंयत शिरोतेर जेंवचें भोव अपरूप आनी कोरगार उस्टें व्हरोंक येनांत. दुसरें,

गांवांत व्हचोन ही चळवळ करूंक आमकां साध्य ना."

"तशें जाल्यार, आमच्या समाजेंतल्या आनयेक वायटाचेर तुमची तलवार चलया. आमचे समाजेंत दोत दिवची आनी घेंवची रिवाज आसा. तांक आसल्ल्यांनी दिल्यार चलता. पूण तांचें पळेवन तांक नातल्लोय दोत दींवक प्रयतन करता आनी फोडांत पडटा. आनी तांक आसल्लोय दोत घेताना नाका म्हणाना. अशें दुबळ्या चलियेच्या आवय-वापायक सोगान पोसल्ल्या आपल्या धुवेक काजार कर्न भायर धाडिजाय पडटा मात्र न्हंय, ताचे वयर तिचें मोलयी फारीक करिजाय पडटा. आमच्या समाजेंतलीं असलीं वायटां हुमटून काडीजाय तर कायदे केल्यार पावाना. ताका गरज आसा सामाजीक जागृणेची. आनी ही जागृण उटयाजाय तर तुज्या हातांत एक वळाधीक हातेर आसा - एक पत्र - '*पयणारी.*' ताचो वापर कर."

असो सुरु जालो '*पयणारी दोती विरोध संस्थो.*' जोर्ज फेर्नांडीस हाचो पयलो अध्यक्ष आनी चा. फ्रा. देकोस्ता उपाध्यक्ष जाले. त्या काळार मुख्य जावन मंगळूरी आनी गोंयकार चलियो मुंबयंत गिरेस्तंच्या वोंगल्यांनी घर-काम करताल्यो. उण्या शिकपाच्यो, दुबळयो चलियो त्यो. कुटमाक आधार दींवक आनी आपलो फुडार नंदन करुंक ह्या पर्गांवाक आयल्ल्यो. तांकां एक जीवदान दींवक म्हळळेवरी हो संस्थो मुखार आयलो. थोड्याच म्हयन्यांभितर संस्थ्यांत 600 चले-चलियो वांगडी जालीं. हांतूं वांगडी जातेल्यांनी आपुण दोत दीवन व घेवन काजार जांवचीनांव म्हण वरवन दींवक आसल्लें. संस्थ्याच्या चिंतपा प्रमाणे, दोत विचारूंक नजो आनी घेंवक नजो, खुशेन दिल्यार तें देणें म्हण घेवयेत आसल्लें. संस्थ्याच्या सभेंक काजाराक तेंकल्ल्यो चले-चलियो भरपूर येतालीं. कोण वांगडी दोत दीनासतां व घेनासतां काजार जातात, तसल्या काजारांचो खर्च मुख्य जावन जेवणा-खाणाचो खर्च भोव सवायेर संस्थो चलयतालो. दोन हजार रुपयां भितर काजार जातालें. संस्थ्याचे आप-सेवक काजारा माटवांत खाण-जेवाण वाडचें काम फुंक्याक करताले. दोत दीनासतां, घेनासतां काजार जाल्ल्यांचो तसवीरे समेत पत्रार प्रचार जातालो.

देकोस्ता आनी ताचे थोडे लागशिले सांगाती दोती विरोध चळवळ विस्तारांवच्या इरादान मुंबयथावन मंगळूराक भायर सरले. तेदना ताचे सांगाता आसल्लो फेलिक्स डिसोज म्हणटा, "दोती विरोध चळवळिचो भाग जावन आमी पुणे वाटेन कर्नाटक गेल्यांव. पुणे आमची जमात जाली. थंयथावन आमी चिकमगळूर गेल्यांव. सवार माहिती आनी नाटककारांनी ह्या संस्थ्याखातीर काम केलां, वांगडी हाडल्यात. आमी गांवांत मस्तुकडे गेल्यांव. गेल्ल्या गेल्ल्याकडे मस्तू लोक येतालो आनी आमकां पाटिंबो भासायतालो. सकडा परस चड चिकमगळूरांत आमची जमात विशेस यशस्वी जाली." ह्या चळवळे उपरांत चा.फ्रा. देकोस्ता एक बरो भाषणकार आनी कोंकणी फुडारी म्हण प्रसिद्ध जालो.

'पयणारी'-'मित्र' तकरार

सगळेय ही चळवळ समर्थन करतालें म्हणोंक जायना. तांतल्यां पैकी एकलो

जावनामल्लो पत्रकार जोंकीं संतान आल्वारीस. कादंबऱ्यो बरवन आसतानांय '*मित्र*' आनी '*झेलो*' म्हळळीं नेमाळीं मुंबयांत चलयतालो. ताणे आपल्या '*मित्र*' मातोळयार '*संतानामाची भोंवडी*' म्हळळया नांवाखाला दोती विरोध संस्थ्याची आनी सांगाताच संपादक देकोस्ताचीय टीका केली. देकोस्तायी वोगे रावलोना. '*मित्राच्या संतानामा, हीं कसलीं बुर्शीं कामां ?*' म्हळळया शिरेनांवाखाल ताणे आल्वारिसाक सरसरीत जाप दिली. हातूं आपणाची खासगी जावन निंदा केल्या म्हण आल्वारिसाक भोगल्ल्यान ताणे देकोस्ताचेर कोडतींत मान-नष्टाक व्याज दाखल केलो. दोनयी पाडतिंनी बरे वकील धरले. दोगांयचीं संबंधीत बरपां न्यायाधीशाखातीर इंग्लिशांत अनुवाद केलीं. तीं दोनयी वाचतच न्यायाधीशाक भोगलें की ही केज चिल्लर. हांतूं मान-नष्ट जांवचे तसलें कांय ना, पूण हे दोगयी मानेस्त शिकपी, प्रसिद्ध साहिती आनी पत्रकार तशें समाजेंत मान आसल्ले. तांणी दोगांयनी राजी जायजाय. आल्वारिसाच्या व्यक्तित्वाक चिक्के दुखलां तें खरें देकुन देकोस्तान आपल्या पत्रार माफ मागोन एक प्रकटण छापीजाय म्हण ताचें नीर्माल जालें. देकोस्ता हाका ओपलो. ह्या मान-नष्ट केजिची खबार सबार म्हयने '*मित्र*' आनी '*पयणारी*' पत्रांक एक प्रमुख विषय जावन वाचप्यांची अभिरूच उकलून धरूंक सकली.

1958 वरसा देकोस्ता '*पयणारीचो*' संपादक जालो. तांतूं थोडी बदलावण जाली. तवळ ताचो सांगाती जावनामल्लो सन्नी ए. डिसोज म्हणटा, "चाफ्रा '*पयणारींत*' येतच त्या पत्राचें रूप बदल्लें; तांतूं एक नवेसांव हाडलें; क्रांतीकारी भास हाडली; दोन कॉलम आसल्ले चार जाले; रंग हाडलो; तवळ चालू आसची भास पाटलाव करिनासतां आपलीच नवी भास, नवे सब्द ताणे हाडले." देकोस्ता स्वता एक उंचलो साहिती जावनासल्ल्यान आपल्या पत्रांनी बऱ्या कवींक तशें हेर बरयणारांक उज्वाडाक हाडूंक ताका कष्ट जालेनांत. '*पयणारी*' पत्राचो संपादक जांवच्ये पयलें देकोस्ता '*जाग-मार*' मातोळयाचो स्थापक-संपादक जावनासल्लो म्हळें पयलेंच सांगलां. पूण '*पयणारी*'चो तो संपादक जाताना तें नेमाळें स्थापन जावन आठ वरसां जाल्लीं. त्या वरसांनी प्रख्यात साहिती वी.जे.पी.सालदान्न ताचो संपादक जावनासल्लो. पूण पत्राची चड वाडावळ जांवक नातल्ली. देकोस्तान सांगल्ल्या प्रकार, "*800 छापून 400 प्रतियो विकानासतां पाटीं हाडचें 'पयणारी' म्हज्या हातांत दिल्लें. म्हज्या हातांत ताचो विक्रो साडे-तीन हजारांक पावताना म्हाका सोडूंक सांगल्लें.*"

'*पयणारी*' पत्राचो संपादक तो जावन आसतां तो आपल्या खऱ्या नांवान तशें लिखणे नांवांनी बरयतालो. ताचें एक वळकिचें लिखणे नांव जावनासल्लें '*शनिकुमार.*' ह्या वेळाचीं ताचीं उल्लेखित बरपां म्हळ्यार, मोटव्यो कथा '*वारें झोड*', '*पयणाऱ्यांचो ईष्ट*', '*वोलाची मर्याद*', सांकळ-कथा '*संयवाचें पातक*', '*नोवरो*', '*वाटे वयली वाल*' आनी कविता '*खंय पुरला कवीक*' आनी '*तुकाय आसा वांटो*'. देकोस्ता ल्हान आसताना दाक्तेर कास्मीर सोतिच्या

वकतान पिडेंतलो वरो जाल्लो. तो उडास दवर्न दाक्तेर मोर्तो मरण पावल्ल्या वेळार (1958) ताच्ये विषांत एक लांब लेखन *'पयणारींत'* ताणे वरयिल्लें.

वऱ्या कोंकणी साहितीलागीं संपर्क दवर्न तांका *'पयणारी'* खातीर वरंवक लांवचें सतत प्रयतन तो करतालो. तो संपादक जाल्ल्याच 1958 वरसा, *'कोंकण टायज'* म्हळें एक नवेंच मासिक मुंबयांत उदेलें. इंग्लीश *'रीडर्स डैजेस्ट'* मादरेचेर काडल्ल्या ह्या मासिकाक तीन संपादक आसल्ले, आ.आ.सालदाञ, जे.वी. मोरायस आनी वी.एम.फेर्नांडीस. कोंकणी पत्रकारिकेंत हें एक नवेसांव जालें. ह्या तेगांयनयी कोंकणी साहित्यांत खूब वावर केल्लो तें चा.फ्रा. देकोस्ता जाणा आसल्लो. ताच्या मतींत एक विचार गेल्लो की *'कोंकण टायजाक '* वरंवचे लेखक हेरा पत्रांक वरयनांत म्हण. पूण जेदना जे.वी. मोरायसान आपलो एकांकी काव्य-नाटक *'पुतिफारची बायल ' 'पयणारीक '* धाडलो, तेदना चा.फ्रा. चो विचार बदल्लो. 1958 आगोस्ताच्या 12 तारिकेर ताणे मोरायसाक वरयिल्लें पत्र गुमान दिंवचें तसलें जावनासा:

पयणारी कोंकणी हफताळें
209 फ्रीयर मार्ग, बोंबय - 1
12.8.1958

मोगाळ श्री मोरायस,

'पयणारी' खातीर वावरूंक तुमची तयारी आसल्ल्यांनच ह्या कागदाक बुन्याद पडली शिवाय तुमी म्हजी समजोणी तर्काविणे समजाल्ल्याक न्हंय. 'पयणारी' खातीर एक वावराडी मेळटा जाल्यार हांव रान मोडुंकयी तयारच.

16 या 20 पानांच्या कोंकणी पत्राक एक बळिष्ट वावुरचो संपादकीय विभाग, समाजींतल्या गजालींची सोदनां करीत रांवचे मनीस, बरपी, कवी गरज पडताना पत्राच्या नावीं मनशांक भेट दिंवचे या बरोंवचे वावराडी, बरयल्लें कच्चें बरप परत बरोवन नितळांवक सकचे संपादक भोव गरज. आमकां 'पयणारींत' ह्या वावुरप्यांचें भोव उणेपण आसा. एकामेका नव्यो आलोचन्यो आदली बदली करून आमच्या प्रकाशनाचो विकास करचांनी जाता. तुमचो हात हांव असल्या वावरांत अपेक्षितां शिवाय फकत पैस रावोन तपालार बरपां धाडचो न्हंय. तुमची तांक फकत इतलीच म्हण तुमकां दिसता जाल्यार दया करून तुमचीं बरपां धाडीत रावा, हांवयी पैसथावन देव बरें करूं म्हणतां आनी छापतां. दुसरें हांवे कितें करयेत? म्हाका मोज्या पोटाचें काम नांवे?

पूण तुमची तांक हाच्या प्रास इलीशी वाडवयेत म्हण तुमकां दिसल्यार तुमकां मेळोंक हांव अपेक्षितां. वेळ आनी काळ एका कार्डार बरया.

मोग आसों,

सदांच तुमचो
चा.फ्रा. देकोस्ता

1960 दशेंबर 25वेर उज्वाडायल्लो *'पयणारी'* नतालांचो विशेस अंको (पुस्तक 11, अंको 16) विश्लेषण केल्यार, 62 पानां आसल्ल्या ह्या अंक्याचें मोल आसल्लें 30 पयशे. ह्या अंक्यांतली थोडीं विशेस वरपां जावनासल्लीं. चा.फ्रा. देकोस्ताचो *'शनिकुमार'* म्हळळया लिखणे-नांवाखाल वरयिल्लो *'जिल्लाचे नोवरे'* एकांकी नाटक. हो नाटक वाचताना येरेपी नाटकांच्या प्रभावान वरयला तशें भोगता. ह्या अंक्यांत प्रख्यात पूर्वी-संस्कृती पंडित, दोतोर एच.ओ. मस्करेञान वरयिल्लें *'आमच्या बापा'* म्हळळें संशोधनात्मक लेखन आसा. जेजून शिकयिल्ल्या मारण्याचीं पाळां उस्तुचें लेखन तें. *'शांती दूताक राष्ट्रांचो स्वागत'* म्हळळी जे.वी. सोरयसाची कविता, *'नाताळ'* नांवाची डोंगरकेरी उमानाथराव हाची कविता - हीं वरपांय त्या अंक्यांत आसात.

तांतल्या *'आमची खबार'* म्हळळया संपादकीयांत देकोस्ता सांगता, "...*ह्या 'आमी' म्हळळया विचित्र वोडणेन आमी सुरु केल्लो 'दोती विरोध संस्थो' आतां संपूर्ण थरान आमचो जाला. ताच्या समाजीक आनी आर्थिक कारयावळेंनी आतां आमी एकामेका सहाय जावन विचित्र एका सक्तेन मुखार येतांव.* "

दोती विरोध चळवळ शिखराक पावल्ल्या अवदेंत *'पयणारींत'* त्या चळवळी विषांत संपादकीय, वाचप्यांची अभिप्राय, लेखनां, कविता, खबरे इत्यादी म्हणटाना हेर वाचाप उणें जावन आयलें. विविधतेचेर मार बसलो. थोड्यांक हें बरें लागोंकना. चळवळ कितलीय सामाजिक महत्वाची जाल्यारयी वाचतेल्याच्या नदरेंत चावल्लेंच चावोंक पडटा म्हळळें दुर्मोणे आयकोंक मेळळें. देकोस्ता विरोध एक लिपतो वंड जालो म्हणयेत. तो *'कमुनिस्त'* म्हळळो अप-प्रचार सुरु जालो. हाचो प्रतिफळ जावन चा.फ्रा. देकोस्ताक संपादकाचें कदेल सोडूंक पडलें. तीन वरसां वयर *'पयणारी'* पत्राचें संपादकपण चलवन तें प्रगतिच्या वाटेक हाडल्ली कीर्त ताका फावो जाता.

सांप्रदायिक चिंतपी कोंकणी मनशांनी ताची टीका केली. क्रिस्ती धर्मा विरोध तो वरयता आनी युवजणांक चाळवायता म्हळळो आरोपयी ताचेर सांडलो. ताचे समकालीन जावनासल्ले ताच्याच गांवचे दोग महान फुडारी - प्लासिड डिमेल्लो आनी जॉर्ज फेर्नांडीस - हांकांय ह्याच अडचणेंथावन उतरोंक पडल्लें. हें आमी उडास दवरूंक फावो की हे तेरयी फुडारी मंगळूरच्या दुबळया क्रिस्ती कुटमांनी जलमाल्ले. तांचे भंवतींची दुबळीकाय तांचेर प्रभाव घालूंक लागली. संवेदनशाली जावन आसल्ल्या तांचें चिंताप सहज जावन दुबळया-धाकट्यांच्या शोषणाथंय व्हाळळें. हें चिंताप धार्मिक शिकवणेक विरोध व्हेता म्हण तवळच्या धार्मिक व्हडिलांक भोगलें आनी तांच्या पुस्त्या बळान तें दांवून धरचें साधन ताणी केलें. ह्या तेरांयकयी तांच्या जिणयेच्या एका न्हंय एका हंतार *'तो कमुनिस्त'* म्हळळें नांव पडलें. तेदाळाच्या काळार कमुनिस्त म्हळयार *'देव ना'* म्हण पातयेंवचो - असो एक अर्शीर अर्थ लोकाच्या मतींत घाल्लो. हाचो परिणाम जावन ह्या तेरांयकयी सोसूंक पडलें. डिमेल्लो आनी फेर्नांडीस आपल्या युवप्रायेर मंगळूरांत

वस कामागारांखातीर झुजलें. तांकां जीक मेळिळना तरयी तांणी पेटइल्लें कामगार चळवळिचें किटाळ उजो जावन मुंबयांत विसतारलें. चा. फ्रा. देकोस्ता ह्या दोगांपरी प्रत्यक्ष जावन कामगार चळवळींत वुडलोना तरयी आपल्या नेमाळयां मुखांतर तेंच झुज ताणे मुखार व्हेलें. तवळच्या प्रतिकूल परिस्थितींत तरयी ताणे आपलें धोरण मांडलेंना आनी मोरता परयांत तो आपल्या खऱ्या पातयेणेचेर थिर रावलो. समाजेंतलीं थोडीं वायटां, पाळां रेंवोन घट जाल्लीं, हुमटून काडचें प्रयतन ताणे केलें. दोत, असाल पियोणे, कामागाराचें आनी दलित वर्गांचें शोषण, फितिसपण (अंध-विश्वास) असल्या वायटां विरोध ताणे पेंकाट वांधलें. हेर कोंकणी पत्रांनी फकत काणियांक, काव्यांक आनी खब्रांक जागो दितानां सामाजिक परिवर्तनाचीं आनी राजकी जागवणेचीं वरपां वरेवचें महत्वाचें काम देकोस्ताच्या वांट्याक आयलें. ताच्या नेमाळयांचे 99% वाचपी मंगळूरी क्रिस्ती लोक आसल्ले आनी त्या तेंपार ते ताच्या क्रांतिकारी वरपांक तयार नातल्ले.

'विशाल कोंकण'

1961 वरसा '*पयणारी*' थावन भायर येतच देकोस्ताक आपलेंच एक पत्र काडची उरवा वाडोन आयली. '*जाग-मार*' आनी '*पयणारी*' सातोळयांचे म्हालक हेर आसल्ले. ताणे अपेक्षिल्लें संपादकीय स्वातंत्र्य जांव, पयशांचो पाटिंवो जांव, ताका मेळोना. पत्रकारिकेंत नवीं कल्पनां, नवी क्रांती सपणेवच्या देकोस्ताक आतां नवी एक संध उबी जाल्ली. ताचीं सपणां ज्यारी जायजाय तर ताचो संपूर्ण वेळ ह्या कामांत घालिजाय. पूण कोंकणी पत्रकारिकेंत तेदोळ परयांत कोणेंय पोट भरल्लें तो नेणा. तरयी ताणे दोळे धांपून म्हळळेवरी त्याच वरसा '*बेस्ट*' बस कंपेनिंतल्या आपल्या नौकरेक राजिनामो दीवन प्रोविडेंट फंडाचे कितले मेळळे त्या पयशांनी मुंबय, लेमिंगटन रोड वठारांत एक ल्हान छापखानो उघडलो आनी '*विशाल कोंकण*' म्हळळें सातोळें सुरु केलें. हांतूं साहित्याक ताणे चड महत्व दिलो. '*पयणारी*' सोडटच ताचे थोडे लागशिले सांगाती ताचेथावन पैस जाले. दोती विरोध चळवळिची ऊब निवोन आयली. आपल्या आनी हेरांच्या नाटकांथंय ताणे चडीत ध्यान दिलें. जे.बी. मोरायसान '*स्थानिक*' लिखणे नांवान '*विशाल कोंकणांत*' वरयल्ले थोडे नाटक विमर्शे विस्तारीत आसोन विमर्शी केल्ल्या नाटकाच्या विविध अंगांचेर तांतूं परिशीलन जातालें. प्रतिकूल टीका पडल्ल्या नाटककारांक हे विमर्शे कोडू लागले. पूण देकोस्तान आपल्या विमर्शकाक पुरतो पाटिंबो दिलो.

खंचोय विषय घेवन वरयताना त्या विषयाचीं पाळां-मुळां उस्तून, पाटभुंय विवरावन वरेवची ताची रीत जावनासल्ली. अंतर्राष्ट्रीय मट्टार कितेंय विशेस घडीत घडलें जाल्यार हेर कोंकणी पत्रांनी थोड्याच उतरांनी ताची खबार छापताले. पूण देकोस्ता तसो न्हंय. आमेरिकाचें प्रख्यात '*टायिम*' सातोळें तो सरास वाचतालो. तांतूं महत्वाच्यो खब्रो विश्लेषित करून वरेवची रीत ताका पसंद आसल्ली आनी त्याच पत्रांत ताका सगळी तपशील मेळटाली. तशें जाल्यान

अधिकांश कोंकणी वाचप्यांक समजासारकें विश्लेषण तो दितालो. तवळच ताची *'आदांव आनी एव'* म्हळळी सांकळ कथा *'विशाल कोंकणांत '* प्रकट जाली.

'विशाल कोंकण' तो चड काळ चलोवंक सकलोना. *'पयणारी'* थावन सोडून व्हेताना ताचे सांगाता आसल्ले थोडे मित्र थोड्याच काळान ताचेथावन पैस जाले. पयशांचो अभाव जालो. 'हाताथावन तोंडापरयांत मात्र' तो जियेवंक शिकलो. अंक मधें मधें खळटाले. चुंगडी प्रती विकऱ्याक घेवन वाचतेल्यांनी कांय विरोध प्रतिक्रिया दाकयल्लिना तरयी लांब अवदेची वरगणी भरल्ल्यांक ताचेर राग आयलो. 1961थावन 1969 पर्यांतलीं आट वरसां ताका मुंबयंत विशेस संघर्शाचीं जावंक पावलीं. दोन वेगवेगळ्या व्हाळयांनी तो शिरकालो - पत्रकारिका आनी नाटक. दोनयी विषय ताचे भोव मोगाचे. ह्या वरसांनी ताणे सवार नाटक बरयले. *'पयणाऱ्यांचो मित्र '*, *'आंकवार मेस्त्री '*, *'भांगार मनीस '* हे तांतले थोडे श्रेष्ट नाटक जावनासात.

'विशाल कोंकण' दैकोस्तान अपेक्षिल्लें यश दींवक सकानातल्ल्या वेळार ताणे आपलें कारया-शेत मुंबयथावन परत मंगळूराक वर्गावण करूंक ठरयलें. पत्र बंद पडोन थोडीं वरसां जाल्लीं. मुंबयांतल्या म्हारगायेवरवीं थंयसर पत्र चलोवचें काम कठिणायेचें म्हण ताका भोगलें. सैबान कवी आसल्ल्या ताका मुंबयची कृत्रिम शहरी जीण ओंबवाल्लीना. आपल्या मांयगांवांत आपली साहितीक प्रतिभा फुलोवंक चड अवकास मेळटले म्हळळो ताचो भरवसो आसल्लो. मंगळूरची नैसर्गिक सोभाय आनी कोंकणी लोकांची पारंपरीक जिणये रीत ताका आवडली. अशें 1969 वरसा, तो परत मंगळूर आयलो आनी थंयींच ताणे वसती केली.

ह्या काळार स्वताचें पत्र ताचेलागीं नातल्लें तरयी हेर पत्रांक मुख्य जावन *'राकणो '*आनी *'मित्र '* सातोळयांक तो अपरूप बरयतालो. ताचे प्रमुख विषय जावनासल्ले कोंकणी साहित्य आनी संस्कृती. *'राकणो'* पत्राच्या 1974 फेब्रेर म्हयन्यांत *'रेडियोचेर कोंकणी वितरावणी - आमी कितले तयार ?'* म्हळळ्या विषयाचेर ताणे दोन भागांचें लेखन बरयलें. रेडियोंत येवच्या विविध कारयाक्रमां विशीं समीक्षा करून तांचें गुणमट्ट कशें वयर हाडयेत म्हळळीं सूचनां ताणे दिलीं. पत्रांनी कविता छापच्या रितीविशीं टीका करून ताणें बरयलें, "*आमचो खंचोय बरयणार समर्थिच्या आवरणाथावन भायर येना. गोंवापिटांत लोळल्ल्या आक्रुटावरी समर्थ तांच्या शिरा शिरांनी रिगल्या. आनी स्वताचें चिंताप सोडयलां ...जायते आमचे बरवपी हेरांचें कांय वाचिनांत. चडावत नाटकीस्त मेट्रिक या ताचे उणे शिकल्ले म्हणताना तांची साहितीक जाणवाय भोव अस्कत. ह्या वरवीं बरप कीळ वर्गाचें जालें.*" पत्रांनी कविता छापच्या विशीं बरवन तो म्हणालो, "*कोंकणी पत्रांनी कविता छापची रीतच भोव कीळ. जागो आसल्यार 'अर्गो ' छापल्ल्यावरी कवन छापोन येता. हें ऊण भरती करूंक ह्यो समाजीक सवार वरसांची वांवट लागतेली. तीयी ह्यो कुशीन दोळे उगते जाल्यार मात्र ती सुफळ जातेली "*

'*जिवीत*' म्हयन्याळयाचो पयलो अंको 1983 माय म्हयन्यांत मंगळूरांत उज्वाडाक आयलो. ताच्या संपादकपणाचें हें पांचवें आनी निमाणें नेमाळें जांवक पावलें. पत्रकारिकेंत जीणभर संघर्श कर्न आसल्ल्या ताका हें पत्र *जिवीत* नांवाचें तर्यी तें जिवें दवरूंक ताका विशेस कष्ट मार्ले. मधें मधें अंके खळळे. वाचपी, वर्गणदार, हितैशी तशें जाहिरातदारांनी नाखुशी दाकयली. थोड्यांनी म्हळें आसा की चा.फ्रा. दोकेस्ता म्हळयार जिणयेंतली एक सलवण (पराजय). ताणे हातीं घेतल्लें कितेंय यशस्वी जांवक ना म्हळो एक आरोप ताचेर ताणी मांडलो. पुण ताची वायल स्तेल्ला देकोस्ता हो आरोप कठीण उतरांनी खंडन करता. ती म्हणटा, "*थोड्यांच्या अशीर स्वार्थी नदरेंत तो एक सलवाल्लो मनीस तसो दिसता जावयेत. ताणे साहित्याच्या विविध शेतांनी केल्लें साधन आनी जोडल्लें जैत, मुखल्या पिळगेक ताणे दवर्न गेल्ली आमच्या साहित्याची गिरेस्तकाय पैशांनी मेजची तसली न्हंय. कवितेंत तशें नाटकांत, पत्रकारिकेंत तशें कथा-साहित्यांत, ताणे पुसूंक जायना तसली म्होर दांवल्या. हें एका सामान्य व्यक्तीन कर्चें तसलें काम न्हंय*."

'*जिवित*' माय 18, 1985 अंक्यांत 'कोंकणी बरप्यांची खरस' म्हळळया लेखनांत देकोस्तो म्हणटा, '...*ह्या मनशांनी (वि.जे.पी. सालदान्न, जोकीं संतान आल्वारिस, ए.टी. लोब आनी श्री रव्वू) कोंकणींत आपलीच म्होर दांवल्या. ए.टी. लोब म्हाका म्हणटा भोव कर्कश्या ताळयान, "तूं हो दंदो सोड, उजो लागोंदी. तूं हांतूं पडल्लो पुरो. तुजें पोट भरूंक कोंबियो पोसतायसू ? तूं तेंच कर, हें सोड." आतां हांव 53 वर्सां प्रायेर कोंकणीची पिसाय सोडूं ? 13 वर्सांचे प्रायेर हांवें पयलो नाटक बरयिल्लो. तो खंय पडला हांव नेणा. आतां 13 लांब नाटक हांवें बरवन तांतले दोन छापल्यात. म्हज्यो पन्नासां लागीं नाटकांच्यो प्रतियो कोंकणी मोगियांनी भायर घाल्यात. आतां हांव हो वावर सोडूं ? 800 प्रतियो छापून 450 विकानासतां पाटीं हाडचें 'पयणारी' म्हज्या हातांत दिल्लें. ताचें छाप्याचें ओर्डर साडे तीन हजारांक पावताना म्हाका 'देव ना' म्हण तांतलो भायर घालो. ह्या घायाची माव आनिकयी सुकोंक ना. एक कसव म्हज्या हातांत आयलें म्हण संतोसताना दुसऱ्या दिसा हांव वाटेर पडल्लों. "तुवेंच नवें पत्र काडिजाय ताका तूंच योग्य मनीस" म्हण एक भिरेंच म्हज्या पाटीक लागल्लें. हांवें प्रेस उबें कर्न नंतर तीन पत्रां एदोळ काडलीं (विशाल कोंकण, उदेव, जिवित) तांतलें एक कोंकणी मनशा, तुज्या हातांत आसा. त्या नादांत आनी त्या पिसायेंत हांवें 'वेस्टां' तलें (बस कंपेनी) काम होगडायलें. सोसोर आनी दुस्मानकाय पाटीक बांधून घेतली. 17 पावटी ह्या दळिद्र पिसायेंतलो सुटलों. 17 पावटी 'तूंच ह्या कामाक लागल्लो' म्हण कोंकणी मोगी आपलें काम म्हजे कर्नी कर्यलागले. कास्कारचें सुणें गोव्राच्या रासींत लोळल्लेबरी परतून परतून, परतून परतून, ह्या पिसायेंत लोळळों. आतां सोडूं ? ना ! आतां पिसायेक हांव सोडल्यारयी पिसाय म्हाका सोडिना! हे कोंकणी पिसायेबरवीं, आर्थिक*

जिणयेची वीदवावळी जाल्यारयी तेच पिसायेन ती सारकी करतलों म्हण खतखती आशा आतां आंगापांगांन पेटता. आतां कोंकणी मायेलागीं म्हजें मागणे, "माये, ही जीण सगळी तुजेखातीर झगयिल्ल्याक तुवें कांय हात उकलून दिंवचें जाल्यार गाडी घोडो मात्र जाय. दान, भिक, पेज या लोणच्या कडी नाका. तुजे पूत आनी धुव आदीं इंग्लेज कातरतालीं. तीं सुधारतेलीं म्हळो भर्वसो म्हाका आसा. वेळा काळार तांकां वरी बुदवंतकाय आयल्या आनी फुडेंय येतेली. म्हाका त्राण दी, म्हाका मानसिक वळवळयांत दगदीनाका. कोंकणी वावरांत म्हाका आनी म्हज्या सांगात्यांक सोवारेची जोड दी. आमच्या मात्यार घटमूट पाकें उबार. चिमणे तेलाच्या दिव्यांथावन आमकां राक."

हींच भावनां चा.फ्रा. देकोस्ताच्या सांगात्यान एरिक ओझेरियोन उचारल्यांत. तो म्हणटा, "हेर खंच्याय वाटेन ताका मारूंक जायना म्हण कळल्ल्या वेळार ताच्याच माहिती वर्गाच्यांनी ताचेर 'पैशे खांवचो' म्हळो आरोप मांडलो. तो सुर-सोरो पियेनातल्लो; अपरूप कांय एक विरय - अपरूप - घेतालो. विडी-सिग्रेट वोडीनातल्लो. जुगारेचें पिशें नातल्लेंच. पैशे हातांत मेळल्ल्या तक्षण एक अंको भायर काडटालो. आपली बुन्याद घट करची जांव, फाल्यांचें चिंतचें जांव, तो शिकोंक ना. मागीर ताणे मोरच्या वेळार घर बांधूंक सुरू केलें. तें सल्या उपरांत वायलेन संपयलें. दुबळो आपल्या पोटाखातीर कितेंय घेता जाल्यारयी संसार ताका 'पयशे भितर घालचो' म्हणटा. आमचे समाजेंत कोणयी स्वार्थ नासतनां काम करूंक मुखार आयलो तर समाज ताका समजाना. ताच्या वावराक कितें तरयी मतलाव लायता. चाफ्रान तसले पयशेच पळेंवक नांत. इल्ले पयशे मेळयार तो न्यूसप्रिंट हाडटालो; अंको काडटालो; विक्रापाक घालतालो. विक्रापाक घाल्ल्या अंक्याचे पयशे हाडूंक व्हचानातल्लो. कित्याक म्हळयार, तो व्यापारी मनीस न्हंयच न्हंय. ओट्टार, ताका पेपर भायर काडूंक आसल्लें. कांय रुजवात नासतां ताचेर आरोप मांडल्यात. हें पूरा आयकोन सोसून जियेल्लो मनीस तो. कोणायकयी तो वागवोंक ना. आपलें काम ताणे सोडूंक ना."

'*जिवित*' सातोळयाच्या पयल्या अंक्यांत प्रख्यात कोंकणी विदवान स्वामी सुप्रियान 'जिविताक आशीर्वाद' लेखनांत म्हळां, "आतां श्री चा.फ्रा. डिकोस्ता '*जिवित*' नांवाचें कोंकणी मासिक उज्वाडांवचें धैर धेवन उबो जाला... जिवित म्हळयार कोणे बांधून दिंवचें आनी कोणे बांधून दवरचें भुतयेचें खाण न्हंय तें. आमच्या एकीनपणाक, सात्विकतेक आनी सामर्थ्याक घाल्लें एक सवाल. हरयेकल्यान आपापल्या आपवण्या आनी पाटवणे प्रकार हें सवाल सोडवन जोडचें जैत जावनासा जिविताचो खरो फळ. ह्या दर्शन-सूत्रा प्रकार श्री डिकोस्ताचें नवेंच उदेल्लें *जिवित* मासिक कोंकणी जनतेक जागवन, तांडून व्हरोंदी म्हण हांव अपेक्षितां आनी सोमया देवाचें आशीर्वाद जिवित पत्राचेर, ताच्या संपादका आनी शिवंदेचेर मागतां."

'जिवितां'तलीं वरपां

'जिविताच्या' वरपां विषांत आनी धोरणां विषांत संपादक देकोस्ता पयल्या

अंक्याच्या पयल्या पानार एकाच वोळींत सांगोन सोडटा. तो म्हणटा, "आमचो एकच हुस्को 'जिवित.' आमचो भर्वसो तुमी. आमचें उलोणें, भोव उणें - हे एक वोळी तेकीद. आमचो वावर चड - ह्या मुकलीं सर्व पानां. आमच्या जिवितांतलो एक तरयी विषय, पाळां-मुळां समेत आमी वोग्यतांव. से कामागारांचो महिनो, पांच तारिकेर कार्ल मार्क्साचो जाल्लो दीस. ताच्या प्रास चर्डीत मापान कामागार विशीं चिंतल्लो या वावरिल्लो कोण ना. देकुन ताची आनी भारताच्या कामागारांची पुरती ओळक आमी दिल्या. ह्या शिवाय मनशा जिवितांतले हेर विषय आमी सोडिनांव. कोंकणी म्हळयार कन्नडगार नहीं. ती विशाल. देकुन तीन कथा - एक गोंयकारांची, एक आमची, एक संसारची. थरावळ कविता, फोकणा, तमाशे - फुडें लेक नातल्ले विषय पर्गटतेले. एक लांब कथा जिवित उज्वाडांवक.

त्याच अंक्यांत 'आळवाल्ले गुमटांगार' म्हळया लेखनांत तो वरयता, "*गुम्टांची विद्या पुरातन काळाथावन कोंकणी लोकामधें रुजल्ली, वापायथावन पुताक, पुताथावन नातवाक, नातवाथावन पणतुराक. पणतुराथावन शेणतुराक, केवल तोंडाचेर अप्रतिम नाजूक उतरां मात्र ताळ लयबद्ध आसल्ल्या अस्सल कवितेंत गुंतलेली. असली सोभायेची कणस-कविता संसाराच्या खंच्याय जानपद कलेक तकली पोंदा घालयता.*

आतां आयिल्लो आनी गेल्लो हे विद्येक उबगाता, सोऱ्यागारांची काट पोदां म्हण वोलायता आनी संशोधनकार सोडीं उस्तिल्ल्यावरी दोन गीट हांगाचे आनी दोन गीट थंयचे क्यासेटिंचेर गांटायतात.

केवल पन्नास वरसां आदीं गुम्टां भोव उंचल्या स्थितयेर आसोन हरयेक काजारचो सेसा माटव सोभयतालीं. म्हणटाना ताचे कवी नवीं नवीं पदां घडीत आसळे. क्रिस्तांवपण गोंयांक येवच्या आदीं ह्या व्हाजपा सांगाता नाचयी आसल्लो. आतांय गोंयच्या हिंदू संस्कृतींत तो जिवो आसा.

धर्म मनशा जिवितांचें एक केंद्र. त्या केंद्रांत ताची कविता या व्हाजांत्रां रिगानांत जाल्यार तीं समाजेंत ससारायेचीं जातात. लोव न्हेसल्ल्या गोऱ्या पाद्रिंनी गुम्टांक कास्तेगारांची व्हाजपा साधनां म्हण रेटी भितर रिगोंक दिलींनांत.

देकुन तीं माळयार गेलीं. फेस्ता परबेक आनी काजारा सोभाणाक थोडो तेंप उरलीं. मागीर विलायती संस्कृती सगळे समाजीकच गिळताना तीं आपापींच उणीं जालीं.

('जिवित' माय 1983)

आपल्या कवितें परस नाटकांनी तो चड लोकामोगाळ जालो म्हणयेत. कविता, साहित्यांत अभिरूच आसच्या रसिकांक मात्र रुचता. रेडियोर कविता सगळयांनी आयकांवयेत तरयी तसल्यो कार्यावळी अपरूप जाल्ल्यान तसलो संदर्भ उणो. नेमाळयांनीय भोव अपरूप ताच्यो कविता छापताल्यो. ताचो कविता-जमो छापल्लो जाल्यार ताच्या हजारों अभिमानींक ताच्या काव्याचें रस-ग्रहण करूंक एक अवकास लाभतो. पूण नाटक तशें न्हंय. तें एक मनोरंजनाचें साधन. दुबळो-धाकटोयी,

उण्या शिकपाचो आनी अशिकर्पीयां नाटकांवयर्वीं आनंद जोडूंक सकता. प्रेक्षका आनी कलाकारां मधें एकामेका प्रतिक्रिया जाता. नाटककाराक लोकांची नाड धरूंक मेळटा. 'बरें नाटक' म्हण प्रेक्षकाक भोगल्यार ताचो बरयणार आनी दिग्दर्शक तांच्या मतींत एक पेडार चडटा. लोकांची ही आपापींच उबजोंची प्रतिक्रिया समाजेंत नाटककाराक ऊंच स्थान लाभयता. अशें चा.फ्रा. देकोस्ता साहित्याभिमानिंच्या मनांत एक बऱ्यांतलो बरो कवी म्हण वळखालो तरयी, साद्या लोकांच्या काळजांत तो एक उंचलो नाटककार म्हण राज करतालो.

1969 थावन 1974 पर्यांत कोंकणी चळवळींत आनी नाटकांनी ताचें ध्यान गेलें. *मित्र* पत्रार मधें मधें बरयतालो पूण स्वताचें पत्र काडची आशा गोंयांतल्या केंडावरी काळजांत सुरसुरेनंच उरली. 1974 वरसा धृड मन करून ताणें '*उदेव*' सातोळें भायर काडलें. त्याच वरसा कर्नाटकांत *कोंकणी भाषा मंडळ* अस्थित्वांत आयलें. मंडळाचो तो पयलो अध्यक्ष जालो. दोन वरसां उपरांत मंगळूरांत जांवक आसच्या इकराव्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेचो मुळावो वावर ताणें हातीं घेतल्लो. त्या वेळार तो चिंतूंक पडलो की परिशदेचो प्रचार फावोत्या परी जायजे तर एका पत्राची गरज आसा. आपणाकयी मंगळूरांत एक पत्र काडचें सपण आसल्लें. तर एकाच फात्रान दोन सुकणीं कित्याक मारूंक नजो? ह्या इरादान ताणें '*उदेव*' सुरू केलें. हेंयी सरार काडूंक तो सकलोना. पूण जेदना 1976 वरसाच्या फेब्रेर 20, 21 आनी 22 व्या दिसांनी कोंकणी परिशद मंगळूरांत जमली, तेदना ताणें कोंकणी पत्रकारिकेच्या चरित्रेंत एक नवाल केलें. एक नवो प्रयोग करून '*उदेव*' सांजे-दिसाळें केलें आनी परिशदेच्यो सविस्तार खबरो, लेखनां आनी विश्लेषण दिवन खूब प्रचार केलो. दिसाळयाचो संपादक ऑस्टीन डिसोजा प्रभू जालो आनी प्रकाशक खुद्द चा.फ्रा. देकोस्ता आसल्लो. आनी महत्वाचें म्हळयार, '*उदेव*' सांजे दिसाळयाक दोनंच पानां आसल्लीं तरयी ताचो गात्र इंग्लीश दिसाळयांचो आसल्लो.

'उदेव' अस्तमलें

थोडीं वरसां '*उदेव*' चलयतच देकोस्ताक तें जीवंत दवरचें काम भारधीक जालें. तें बंद पडलें. सवार वरसां उपरांत (बहुशा 1987) वरसा सिल्वेस्टर डिसोजान तें परत जिवाळ केलें आनी परतें देकोस्ता ताचो संपादक जालो - तेंयी थोड्याच तेंपाक . सिल्वेस्टर डिसोजान देकोस्ताच्या मरणा उपरांत तीन वरसां म्हणजे, 1995 वरस पर्यांत '*उदेव*' चलयलें.

'*उदेव*' चलवन आसताना ताणें भोगल्लें कष्ट-नष्ट सबकास विसरोन येनाले. अयरकांत कशें लोकडाक वोडता तशें परत एक पावटी पत्रकारिका ताका वोडटाली. ताणें केदाळाय म्हणचें आसल्लें, "*कारकाराचें गुणें परतून परतून गोंयांत लोळचेवरी म्हाका पत्रिकोद्यमांत लोळची वोडणी येता*" पत्रां यशस्वी थरोन चलोवच्या विद्येंत तो परत परत सलवाल्ल्या वेळार आपलें चोवतें पत्र काडूंक तो सरसालो. मित्रांच्या आनी हितचिंतकांच्या बत्तायेक लागोन ताणें

आपलें मुखलें पत्र '*जिवीत* ' काडचें योजन पाटीं घालें. बुन्याद घट करच्या इगाद्यान पयशे जमंवच्येखातीर ताणे इष्टांक एक जेगल पत्र बरयलें.

" 'जागमाग ', 'पयणारी ', 'विशाल कोंकण ', 'उदेव ' अशें सबार पत्रां म्हज्या हातांनी, थोडीं उबजोन, थोडीं पोसवोन, शेवटीं तांतलीं चडावत आतां उगडासांतलें सारें जाल्यांत. पुण तशें म्हज्याच हातांनी जालां. अयिन्न बरतार जावयेत तूं लागीं नासताना या म्हजो अस्कत ताळो तुज्या तित्तुन पावानासताना तीं आज जीवंत नांत. देकून आतां खंडित मतींत ठरायलां, तूं नामतां 'जिवीत ' न्हंय.

'जिवीत ' एक मासिक म्हण येवजिलां. संसाराच्या खंच्याय भागांत कोंकणी उलयतलो आमों, ताचें मदांचें जिविंत आरांवचें, फुलंवचें, फांकंवचें, सजोंवचें आनी शेवटीं कोंकणी उलोवप्याक संतोसांवचें हेंच 'जिविताचें ' साधन.

आज उटल्लो आनी बसल्लो उटल्ल्याक आनी बसल्ल्याक गांवाथावन गल्फाक पळेता. पयलेंच्या दिष्टींत हांवयी तसोच करतां म्हण तुका दिसात. पुण हें पत्र आकेर जांवच्या आदीं दुसरेंच कांय भोगात. हांव उटल्लो आनी बसल्लो न्हंय. गेल्या तीस वरसां थावन कोंकणी कविता संसारांत सुरु केल्लें, पत्रगारिकेंत धरून, मांचियेच्या दिव्यां परयांत हांवें म्हजोच एक उस्वास सोडला, म्हजीच एक म्होर दांवल्या. पडल्ल्याकडें बिलकुल रडोंक ना. देकुन आदीं थोडीं पत्रां म्हज्या हातांनी पडल्यांत म्हळें एकच कुस्कुट नीव दीवन जिवितांतलो पैस सरशिगी ?

तुजेविणे ***जिवीत*** *न्हंय. तुजे जापीक राकतां. "*

'*जिवीत* ' मातोळें तो आपल्या मरणा परयांत चलोंवक सकलो. ताच्या साहितीक जिणयेच्या शिखराक पावल्लो काळ तो. एका वाटेन ताच्या नाटकांचें महत्व खऱ्या नाटकप्रेमींक सुस्ताताना, एका परस एक उंचलो नाटक ताच्या लिखणेथावन उदेताना, आनयेका वाटेन काव्य-शेतांत ताची लोकप्रियता चड आनी चड व्हाडली. अशें '*जिवीत* ' लगभग धा वरसां ताणे चलवन आसताना कोंकणी साहित्यांत ताचें नांव थिर जाल्लें. ताच्या उतरांक खार आसल्लो, भार आसल्लो. पत्र चलंवच्या कामांत ताची पतीण स्तेल्ला ताका मजत करताली. पत्रांतले थोडे विभाग ती चलयताली. तितल्या मट्टाक देकोस्ताचें बोजें हाळू जालें म्हणयेत.

ताची प्रतिभा वळकोन कर्नाटका, गोंय आनी महाराष्ट्रांत ताचो मान-सनमान जालो. साहित्यांतलो अती श्रेष्ट साहितीक पुरस्कार - साहित्य अकादमी पुरस्कार ताका लाभलो.

'*जिवीत* ' पत्र सुरु जांवच्या तीन म्हयन्यां पयलें आपलो कवी-मित्र जे.वी. मोरायसाक बरयिल्ल्या पत्रांत तो आपल्या जिवितांतलें संघर्श पिंतरायता. ह्या संघर्शाच्या सुळी गुंडियेंत सांपडोन आपुण नित्राण जालां म्हणटा तो. तरयी

आशावादाचीं किरणां निराशेच्या कुपांथावन झळकोंचीं ह्या पत्रांत आमकां दिसतात:

दुसरो सांकोव, जेप्पू,
मंगळूर 575001
7.2.1983

मोगाळ मोगयस,

तुजें चार तारिकेचें अपरूप पत्र पावलें. संतोस जालो.

पूण एक भिरांत हे चार सब्द सुरू करतानांच सुरू जाल्या. गोंयांत जांवक आमच्या वर्प्यांच्या जम्याचो गुरकार म्हण म्हाका विंचल्ल्यान, जीं दोन मोगाचीं उतरां. कितलेशा वर्सांनी तुजेथावन आयलीं तीं गुरकारगिरी हांवें तेच घडिये नाकारल्या. फकत तो पयलेंचो प्रसार पत्रांनी पसारला आनी सवकास ताच्यो तिडवोण्यो आतां विसतारताना तुका मृहजेवयलो भैपास नांच जालो जाल्यार हांव फाडच्या म्हण चिंतून भोव कंगाल जालां.

कितेंगी तुका जांतूं झळक दिसता, या सबार वरसांच्या वनवासाचो सुभागी प्रतिफळ दिसता, तांतूं म्हाका स्वताच्यो चेष्टायो आनी त्या वनवासांत विकासलेले म्हज्या मतिचो मानभंग दिसता. हांव दिव्यां मुखार उबो रावचो एकच वेळ आतां मांचियेर खंच्याय खेळांत पात्र खेळताना, म्हाकाच विसरोन, म्हज्या पात्रांत लिपोन वेताना. पूण अध्यक्षाच्या पीटार हांव योग्य कसोयी न्हंय, वगार हेरां मुखार एक अण्वें फुगासांव, आतां हे 51 वरसांचे पिरायेर म्हाका म्हज्या चिंतपाक अतीं विरोध दिसता - देकून हांवें तें नाकारलां. म्हाका उकलून वयर दवरच्या खंच्याय कार्यांत हांव भाग घेना.

हाचेर बेजाराय, शिण करिनाका. तुज्या मोगाचें दूख आनिकयी म्हाका दी, दाक्षेनाका - हांव अध्यक्ष जाल्यारयी ना जाल्यारयी.

आमचे मधें पत्र व्यवहार नातल्लों अजाप न्हंय. हांव कट्टचा भितरलो कासव, कुट्टिल्यार आनकयी भितर येतां, शिवाय भायर येना. त्या देकून कसलेंय कारण नसल्या पत्र व्यवहाराक प्रचोदित करूंक नातल्लों जाल्ल्यान, तशें जालें. म्हाका खायना, तुकायी खायनाये.

कोंकणींत म्हाका पोट भरूंक साध्य जालेंना. जें प्रेम हांवें वांधल्लें तेंयी कोंकणी लागीं काजार जाल्लें जाल्ल्यान आतांयी म्हजेवरी भागोनशें आसा. त्या देकून हांगाथावन 11 किलोमीटरां पैस (गुरपुर वाटेन) वामंजूर म्हळ्ळेकडें ल्हानसो जागो विकत घेवन थंय गेल्या अडेज वरसांथावन हांव कुंकडां पोसतां व तीं म्हाका पोसतात कोण्णा. आमकां गर्व थोडेपावटी मत रजाल उळटी सांगोंक लायता.

700 कुंकडां आतां म्हाका पोसताना, घरांत एकच वायल तीयी टीचर आनी दोगां ल्हान भुरगीं मात्र आसताना तांकां सोडूंक साध्यच जायना जाता. म्हजेलागीं आसचीं 700 कुंकडांयी कोंवियो, हांव मात्र कोंवो. तीं म्हाका सोडीनांत आनी हांव तांकां सोडिना! हाकाचरी तुजेंतसले कवी मोग म्हणटात ?

सं पयलेंर म्हजें नवें मासिक ***जिवीत*** *काडतां. तुजी सजत जाय. गोंयां मेळल्यार उलयां नातल्यार पत्रांक बरगाल ना. वरयतां.*

मोग आसों,

सदांच तुजो
चाफ्रा

पत्रांतलें सगळें बरप ताचें

एरिक ओझेरियो म्हणटा, "*पत्रांवरवीं ताणे सलवणी भोगली. उपरांत सलवणेक तो जाड्या-कातिचो जालो. 'सलवाल्यार कितें जालें ?' तो म्हणोंकलागलो. हफ्ताळें या म्हयन्याळें म्हण सुरू करतालो आनी तीन म्हयन्यांत एक अंको काडटालो. ताच्या रगतांतच कोंकणी चळवळ रिगल्ली. वळकिच्याकडे, हितचिंतकांकडे पयशे मागतालो आनी ताणी पयशे दिल्ल्या वेळार एक अंको भायर काडटालो. पत्रांतलें सगळें बरप ताणेंच बरंवचें, ताणेंच छापचें आनी ताणेंच विक्रापाक घालचें - पूरा काम एकल्याचें. पूण एक मात्र - तीन म्हयन्यांत एक अंको काडल्यारयी तो जोके कर्न दवरचे तसलो. तो आसल्ल्यो गजाली आसल्ल्योवरी बरयतालो. आपणाक बरें दिसल्लें ताणे बरयलें. सामाजिक न्याय खंय मेळाना म्हण ताका भोगतालें तो थंय व्हचोंक तयार आसल्लो. व्हचोन खरी गजाल सोधून काडूंक प्रयतन करतालो आनी धा जणांक समजोंच्येवरी बरयतालो. समाजींत कोणाक सकत ना ताका सकत दींवक पळेतालो आपल्या पत्रकारिकेंत.*"

कोंकणी संस्कृतीथंय ताची वोड ताच्या रगतांत गेंवोन गेल्ली. मंगळूरी जिणयें गीत, तांचीं सुखावरां, तांचें सब्धां-भंडार तो जाणा जाल्लो. '*आमी कितें हांगडायलां* ' म्हळल्या लेखनांत मंगळूरच्या घरण्यांनी वापरच्या थोड्या सब्दांचो उल्लेख ताणे केला *विजा नंदना, गोपीण, भांगोळ, मोतीं, चोकुसर, गळसर, पांयजण, टांकय, लल्लाट, निदळा, कुरू, तळी, वोग्ले, मांड, समदीर, सेकळें, पोव, चेंरल, सांत, चिरमुर, चिनेल, मोट्टेल, जुस्त, पितोळ, गोवाय, एसगाद, गोंस्त, शेरूल, दुसके, फुगदोर, एडो, कोस, वोंचो, चोळी, वोसवोशी, इत्यादी.* हे सब्द आतां रूढीर नांत म्हण तो कळवळटा. तशेंच आमच्या परन्या संस्कृतिचो एक भाग जावनासल्लीं गुमटां पदायं आळवोन गेल्यांत महण ताका दूक भोगता.

सगळें आरावन सांगचें जाल्यार, चा.फ्रा. देकोस्ताच्या पत्रकारिकेंत विशिष्ट भाशे-शैली आसल्ली, नवेंसांव आसल्लें, क्रांती आसल्ली. पूण ताच्या पत्रकारिकेन कोंकणी मनाचेर एक शास्वत म्हार घाली अशें म्हणोंक जायना. हाचें एक कारण आसा 35 वरसांच्या अवदेंत ताणे पांच पत्रां चलयलीं. तांतूं '*पयणारी*' एक सोडून दुसरीं खंचींय पत्रां एकयी अंको सोडिनासतां सरार चलोंवक तो सकलोना. ताच्या पत्रांनी छापल्लें ताचें कथा-साहित्य ताच्या कविता आनी नाटक साहित्याच्या प्रतिभे मुखार मंद दिसता. पूण पत्रकारिकेंत तांचें उठोन दिसचें एक महान समाज परिवर्तनाचें साधन म्हळ्यार '*पयणारी* ' पत्रांत आसताना ताणे चलयिल्ली दोती विरोध चळवळ. हेर कितेंय न्हंय तरयी, आमचे कोंकणी समाजेथंय ह्या वायटा

विरोध ताणें एक स्पष्ट जागृती उठयली आनी ह्या खातीर तर्‍यी सवार दुबळीं कुटमां ताचो उडास सदां दवरतेलीं.

❑

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY • विश्व कोंकणी केंद्र ग्रंथालय •
598

अध्याय 7

पदांचीं 'मोतियां'

1986 नवेंबर 30वेर मंगळूरच्या संगीत-शेतांत 'मांड सोभाण' म्हळ्ळो एक नवो प्रयोग सुरू जालो. खऱ्या कोंकणी लोक-संगीताचीं पाळां-मुळां सोधून काडून, तें वृद्धी करचें, पाश्चात्य संगीताक पुरतें पैस करिनासतां, कोंकणी लोक-संगीताची खरी सोवाय आनी गिरेस्तकाय आयकोप्यांमुखार दवरचें, तांचेथंय कोंकणी संगीताचो मोग उबजाशें करचें - हे जावनासल्ले मुळावे उद्देश ह्या नव्या प्रयोगाचे. 'मांड सोभाणा'च्या कल्पनेपाटलें प्रेरण जावनासल्लें चा.फ्रा. देकोस्ता आनी एरिक ओझेरियोचें. चा.फ्रा.न जीवंत आसतां परयांत 'मांड-सोभाणा'च्या संगीत कार्यांखातीर देडशांवयर पदां व गीतां बरयलीं मात्र न्हंय, 'मांड सोभाणा'च्या संगीत कार्यांनी सूत्रधार जावन आपल्या विशिष्ट शैलेन त्या कार्यांची सोवाय आनी आकर्षण व्हाडयलें. हांतलीं सवार गीतां एरिक ओझेरियोच्या संगीताखाल ध्वनी-कोवळेंनी मुद्रित जालीं.

1991 आक्तोबर 20वेर मंगळूरांत 350 गायक आसल्लें 'मांडो फेस्त' मंगळूरांत चल्लें. ह्या फेस्तांत देकोस्तान सक्रियात्मक भाग घेतलो. ह्या संदर्भार उज्वाडायल्ल्या स्मारक पुस्तकांत बरवन तो म्हणटा, "पुडतुगेजांनी नवें दिवें कोंकणीक दिलें. येरोपाचें संगीत ओपसून दिलें. 'वोल्ज' आनी 'पोल्का' वोटांक लुंवां बसल्ल्यावरी कोंकणी उतरांक वसलीं. पुड्तुगाल, स्पेय्नाचीं मोगाचीं पदां आसातशीं कोंकणेंत उतरां आनी व्हाजपा समेत तर्जुमो जालीं. पोन्र्या पदांक येरोपी व्हाजपां गुटलायलीं. म्हळ्यार संगीताच्या भाषेन येरोपाचीं 'वोल्ज', 'पोल्का' आनी कोंकणींतलीं दुल्पांदां सांगाता मेळोन पदांचे घोस जाले. कोणे कित्याक वोलायलें कळाना. 'मांडो' म्हळ्यार सोभायेन मांडल्ल्या संगीत आनी पदांचें कार्यें जावयेत."

'मोतियां' पदां-जमो

चाफ्राच्या कवितांचे दोन संग्रह उज्वाडाक आयल्यात. पयलो संग्रह तो जीवंत आसताना उज्वाडाक आयिल्लो '*सोंशाचे कान*'. हो 1988 वरसा गोंयांत प्रकाशित जाल्लो. चाफ्राच्या मरणा उपरांत एक वरसान, म्हणजे 1993 वरसा ताच्या पदांचो संग्रह '*मोतियां*' मंगळूरांत प्रकाशित जालो. नीज जावन सांगचें जाल्यार, चाफ्राच्या कवितां आनी पदां मधें विशेस कांय फरक ना. ताचीं कवितां लय, ताळ आनी संगीतान भरोन आसल्ल्यान संगीत बसवन गांवक सुलभ आसात. ह्या नदरेन पळेल्यार तीं पदां म्हणयेत. पदां म्हण जीं '*मोतियां*'

पुस्तकांत जमा केल्यांत तांतूंतल्या हरयेका पदाक कवितेचो गूण आसा. तीं वाचताना व आयकाताना आमचे मुखार एक प्रतिमा उबी जाता. त्या पदांनी उंचलीं भावनां, कल्पनां, प्रास, मात्रीं आसात. चार-पांच पदां सोडल्यार, *मोतियां* पुस्तकांतलीं सर्व पदां एग्कि ओझेग्यिोन संगीत बसवन गायल्यांत. *मोतियां* पुस्तकांतलीं थोडीं पदां विंचून एक नमुनो म्हण हांगा दिल्यांत. तांतूं काव्या-गूण आसा व ना तें वाचपीच सांगोंक सकतीत.

उतरां क्रोधान जळंवयेतात
उतरां मयपासान लोळंवयेतात
उतरां शिणान कांपुयेतात
उतरां भियान धांपुयेतात
उतरां कोडसाणेन चिर्डुयेतात
उतरां अलक्षेन उडंवयेतात
उतरां रागान जडंवयेतात
उतरां मोगान मात गांवुयेतात

(उतरां)

पेंकटांत म्हज्या मूंज
चिंतूंक येना ऊंच
कुडको एक दीनांय जाल्यार
दोनय दवर तूंच

(मागणे)

आंज भडवो खांदीर बसोन भंवर तिचें किसयता
उदेंतिचें रगत पुसून कपलार तिळो बसयता
आंजू आतां फातरा तसलें अंतस्करण भुलयता
कीर शिमटी हालयता
मती मना चाळटासताना
मस्तें सवाल कालयता
किरागा किरागा शिमटी कित्याक हालयता?
हर्यावयल्या वोंगुल्यांचेर केसां गशी खेळटाना
चंद्रेमाचें चांदणें कुडीर आगटें जावन जळटाना
असल्या वेळीं मन्नेशी मैत नागडें पेंकाड धलयता
कीर शिमटी हालयता...

(किरागा किरागा)

मावद मागप्याक मावद मागूंक कोंकणी उतर मेळाना
उपकार वावडूंक नवऱ्या बावाक तेंक्यू शिवाय कळाना
कोंकणी मतींत अशी कशी कोंकणी वात जळाना
पुडवें पावलां पेजागक गुलाम जाल्यात इजाराक

(कोंकणी काजर)

आडकुलोगो बुडकुलो तेला तुपाचो
वायेगेर बाबू जाला फिरंगी रुपाचो
आंगणादारा सुरंगार करा इंदासोपाचो
वायेगेर बाबू जाला फिरंगी रुपाचो
बटाट्याचो बियाळो मातयेंत जर वोंपलो
बटाटोच जातलो दुसरो वाद संपलो
पियाव गेयल्यार लोसणी कांदो किरलोन कसो येंवचो
भावोजीगो आमचो, बायेक फिरंगी कसो जांवचो?
इगर्जेच्या दारारगो बाय आमचें जाल्लें
दिसाक तीन तेर्सां लेखान ल्हानव्हड केल्लें
वारें ना वादळ ना गाग्रो कसो उबचो
भावोजीगो आमचो, बायेक फिरंगी कसो जांवचो?

(आडकुलोगो बुडकुलो)

हांव पोवलेंत जागो जातां
पेटेंत वोगो जातां
तांचे मदें आतां
उस्तून उस्तून दितां
जिवितार्ची सतां

(हांव पोवलेंत जागो जातां)

आज मुगेली आसडी वोली कोंकणी म्हजें नांव
काळजाक मारिल्या बुग्र्यांनी भाली तांचें बरें जांव
आलतारीर म्हजी बली भेटयली
इस्कोलांत म्हजी शिर तुटयली
दोगांयनी मेळोन वोडल्योगा साली
मेलीं मुंगा हांव!
व्हडां व्हडांनी बोतलीक पावयली
दुबळ्या ल्हानांनी दिपती बावयली
उतरांची म्हज्या कसाय केली
कशीं सोसूं हांव!
पिरायवंतांनी कानाक खोवयली
तरन्या तरन्यांनी कुजनाक पावयली
काजरा होलांनी घालतात गुळी
गुळी जाली हांव!

(कोंकणी मायेचें रुधान)

सुडसुडे रेंवेचेर आपटाताली ल्हारां
चिंतून बसतां मोगा हांव लांब दीग वोरां
ल्हारांक रेंव जाय, रेंवेक ल्हार जाय
चिंतून लाचार जालां कोणाक कोण जाय
हांव जर जाय तुका
हांव जाय हाका ताका
हांव जर नाका तुका
सगळया संसाराक नाका, हांव नाका

(सुडसुडे रेंवेचेर)

कोंबल्या बाबानो सादरे घाला
आमगेर एक बाबू जाला
आमगेर एक बाबू जाला
बाबू जाला
घरांत तेगी चलियो आमी
माम्मी सदांच शिणताली
मागचीं घरांत आयलीं जाल्यार
"व्हगत हांकां" म्हणताली
आमगेर एक बाबू जाला
बाबू जाला

(आमगेर एक बाबू जाला)

तकलेक एक वोट आसा आमच्या देसांत
मोल ताचें रिगयतात रगता मासांत
वोट जसो पेटेंत गालो
दिवोड तसो बिळांत गेलो
कोणे तरी गिळून सोडलो एका घासांत
वोट म्हजो ल्हान तरी घेतेल्याक म्हान
पोट म्हजें माट्याक वेता, ताचें जाता भाण

(टिक टिक पान)

फुल जालें देव हासताना
फळ जालें देव गायताना
आनी फळाची ती दाळ जाली
देव नाचतां नाचताना
मुगादाळ मानाची, मोग वागयता
तोरिंदाळ ल्हानांची, भुक थांबयता
मासळी गांव घाणयता, मास नांव म्हेळयता
दाळ मात सगळया गांवार एकवट घडयता

पंजाबाची तेलती दाळ, काळीज धलयता
उत्तराची तालती दाळ, तोंड फुलयता
मराठ्यांची मसूर दाळ दूक भिजयता
अपरूपशें, पोटांत मात घांटी व्हाजयता
केरळाची उडदा दाळ, गाल फुगयता
तमिळांची पातळ दाळ, तान भागयता
गिरेस्तांचें जिरयता दुर्बळयांक उरयता
काश्मीराथावन तेनका परयांत, एकवट घडयता

(दाळ)

❑

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY ★ विश्व कोंकणी ★
598

अध्याय 8

लेखक सम्मेळनाचो अध्यक्ष

1987 वर्साच्या माय 16 आनी 17व्या दिसांनी गोंयच्या सांखळींत णववें साहित्य सम्मेळन भरलें. ताचो अध्यक्ष म्हण चा.फ्रा. देकोस्ताक विंचून काडलो. आपणाक वेंडीर दवर्न मान-सम्मान करच्या कसल्याय कारयाथावन तो पाटीं सरतालो. पुण 1987 वर्सा गोंयकार कोंकणी फुडाऱ्यांनी, प्रमुख जावन रवींद्र केळेकारान ताचेर चड दबाव घालो आनी णवव्या साहित्य सम्मेळनाच्या अध्यक्षपणाक तो तयार जालो.

खंच्याय सम्मेळनांत, जांव तें साहितीक व हेर खंचेंय, तांतूं अध्यक्षीय भाषणाक विशेस महत्व आसता. सम्मेळनाक एक दिशा दीवन मार्गदर्शन करची जवाबदारी अध्यक्षाची आसता. साहित्य सम्मेळनांत तर ही अध्यक्षाची जवाबदारी चड आसता. ह्या दिश्टीन पळेंवचें तर चाफ्राच्या भाषणांत कोंकणी साहित्याच्या प्रस्तुत परिस्थिती विशीं जांव, व तिच्या भविष्याविशीं जांव, उल्लेख करचें तसलें कांय नासल्लें म्हणयेत. पूण चार करवळी प्रदेशांच्या कोंकणी लोकाक एक करचो हुस्को ताच्या उतरांनी दिसोन येता. निदर्शनां दीवक ताणे वापरल्ल्यो काव्याळ पंक्ती एका महान साहिती आनी फुडारी आमच्या दोळयां मुखार उबो करतात. कोंकणी लोक आपणाकच ल्हान ल्हान वांटे करून वांयतल्या वेव्या दारी अशीर चिंतपांत रवडोन आसात तांतलो ताणे भायर येजाय म्हणटा तो. पुण ह्या भाषणाचो नक्षण जांवचो प्रभाव सन्हळयार हें एक भाषण तरयी एक उंचलें साहितिक रचन म्हणयेत. *'रिवाजी प्रकार आवाज जाता'* हें चाफ्राचें अध्यक्षीय भाषण ताच्या अपूर्व, अलंकारीक भाशेशैलीचें एक खरें दृष्टांत जाल्ल्यान ताचे प्रमुख अंश हांगा दिल्यात:

"अखिल भारतीय कोंकणी संमेळनाचें आठवें अधिवेशन जावन वरावर दोन वर्सांनी णववें अधिवेशन जायजायच म्हळ्ळी आतां एक रिवाज. ते रिवाजी प्रकार हो आवाज. पुण लाज लज्जा, दया दाक्षेण कांयच नासतां जीवितभर रिवाजींचो तात्सार करच्यांत तर ह्या वेसाचो वण वदल्ला.

बुडकुलो तो आयलोना / तळया उदका लकलोना / रिवाजीचे पाजेमुखीं / तरनो तकलो टिकलोना.

म्हणून गायत गायत या रडून रडून तरूय. तरनो तकलो पोरनो जायसरूय रिवाजीं लागीं झगडचें तर सोडुनंच दिलेंना. आतां रिवाजींच्या पाजेमुखार हें

तोंड आपटाताना. हो तुमी म्हाका दिल्लो अध्यक्षपणाचो मांड म्हजी जडाय कशी सोंशीतगाय म्हण दुभाव खांवक लागला. पुस्तकां छापुंक तांक वा त्राण दोनयी पावलींना तरी हांव एक लेखक म्हण हे धरणीची माती सर्गाक वोवो मारता, व्हय. त्या निमित्तान. आतां भारताच्या कोनशा कोनशासावन कोंकणी लेखक भाव रिवाजी प्रकार ह्या मूळपीटार जमलेल्यावेळीं रिवाजी प्रकार आपलो म्हण म्हाका हे उंचायेर चडयल्या आसयेत म्हळ्ळेंय भोगता. लेखकांचे हे मेळींत आपलोय ताळो मेळोंवक हेर कोंकणी भक्तय हांगा जमिल्ले आसतां, लेखकां मधल्या एकल्याक रिवाजी प्रकार मातशें उंचायेर रावोन दोन उतरां उलोंवची म्हालघड्या मावन चलून आयिल्ली रिवाज अक्षरश आसा तसी हांवें पाळीजाय म्हळ्ळो मोनो आगरो म्हजेर थापिल्लो तेंय कळटा. आनी जीवित भर रिवाजींक काटाळिल्लें काळीज आतां आधार नासतां थरथऱ्यां कांपून कळवळटा:

हो मांड तुमी दिल्लो / म्हजी जडाय कशी सोंशीत / धाम म्हजो जाता रगत / कोण आनी कशें पुशीत.

देखून न्हंय रिवाजी, न्हंय म्हजे पिरये सांगाड्यो चतरायो वगार फुलतो, धलतो, तेलतो, गळटो, जळटो, सळसळटो, तुमचे थावन म्हाका ह्या अखिल भारतीय लेखक सम्मेळनाच्या अध्यक्षाच्या मांडार पोरन्या रिवाजीक लागून न्हंय वगार नव्या मोगाचे फुगासाणेंत उंचायता. म्हजी खालतीमान आसा.

वेळघडी मनां वोडी

वेळघडये शिवाय काडी हालाना, वोडी सुखाना, पान चंवराना, खोली झडाना आनी घडीत घडाना भावार्थी लोक हें पातयेता. कित्याक तो जाणा की तो सासणाक वांचाना. तरी जल्मा आनी मरणा मदीं बिलकुल आमसरना सुशेगाद तरेन वेळघडयेक राकता. तीच ताका घडयता. तो चिंत्ता की सुर्या-चंद्राचो प्रवास ताच्या घडितांचो हिशोब दवरता. नेखेत्रां घडयेन घडी हिशोब-लेकां करतात आनी ताचें घर नंदन दवरतात, या ताच्यो पिडा-शिडा गूण करतात, या ताच्या भुरग्यावाळांच्यो सैरिगो जोडटात, या तांची भाटां-पोटां वाडयतात. या तांच्या रोरवां करना वासरूं घालयतात या तांचे भाशेचें वरेपण घडयतात आनी तांच्या साहित्याचीय वाड करतात.

त्या मानान एदोळ जाल्या खंयच्याय कोंकणी फेस्ताक हें अधिवेशन वाटेक लायता. कित्याक तें असले वेळ घडयेर घडलां की कोंकणी लोकाचीं मनां मुर्गटूंक हेर वेळ घडयोच नाकात. ही आमची हजारों वरसां खरशेल्ली भास. इतिहासांत पीडल्ली भास, वाद-विवादांनी तुटल्ली भास, देवाचे पूजेंतूय विकळाल्ली भास, तरी हजार हजार वरसां लोकाच्या जिवांनी घोळल्ली आनी खेळल्ली भास, मेकळेल्ल्या जनांगाक जोडल्ली ही भास. आज पन्नास लाख कोंकणी लोकाची राजभास म्हण मिरल्लो हे वेळघडयेक हें अधिवेशन जाता म्हणटाना हे वेळघडयेक सर ना. तिच्या मूळपीटाक एक विंगड भाषिक राज म्हण भारतांच्या एकवटांत पंचवीसावें राज म्हण पाचारलेल्या हे भांगराळ वेळघडयेर हें अधिवेशन भरता

म्हणटाना कोंकणी लोकाच्या पेंकटार संतोसान कुडको ना.

आमची भास राजभास जांवची तशें कोंकणीच्या ह्या कुळाराक एक वेगळें राज जांवची.

पुण आतां गोंयकारांक सुशेगाद म्हणटल्यान जीव सांभाळूंक फाव. पोरुंच्या वर्साच्या निमाण्या दिसांनी गोंयकारान पांयशीं वर्सांचीं पूराय पातकां धामा आनी रगतान धुवन काडलीं.

आतां ताणे आपल्या मळबाक पळेवन गांवुयेता:

हांव सुशेगाद न्हंय हांव निवळ जालां / म्हजें कपालमाथें चंद्रान धुलां / वोंट-पोल्याक तुज्या मोगान धुलां / सुशेगादपणाक धामान धुलां / म्हज्या पापांक म्हज्या रगतान धुलां / हांव सुशेगादपणांतलो नितळ जालां.

...आतां दंतकथा साहित्य निर्मितात व्हय. पुण सभाव वांधून हाडटात. मोयजेच्या दंतकथेन साहित्य केल्लेंना. पुण आमचीं पातकां, आदलीं, आतांचीं आनी फुडलींय धुवन काडूंक एक सोडवणदार आसा म्हणटाना आमीं कितलींय पातकां करतात. फुकट धुंवची आवय आमल्यार भुरगीं कितलेय कपडे म्हेळयतात. भारतांत देवान आपल्याच तोंडान म्हळां न्हंय "जेन्ना जेन्ना तुजेर आकांत येता तेन्ना युगायुगांत हांव जलमून येतां" तर आकांत येताना हांव म्हिनत कित्याक करूं ? आकांत दूर करपाक तो येता न्हंय वामन जावन किंवा नरशिंव जावन ? मोयजेच्या दंतकथेचेर आधारून आतांय कितले जण सोडवणदाराक राकोन बशिल्लेनांत ?

आतां विलायतांत सामाजीक विषम स्थितयो जलमातां जलमातां आदल्या दंतकथेंच्यो फोडणीश्यो जाल्यो त्यो आमचे कोंकणींत जाल्योच नांत. साडेपांच हजार वर्सां आदीं मोयजेक आदांवक रचची गरज जी पडली ती आमच्या लेखकांक फकत शेंबर दोनशीं वर्सां आदींची जाली. ताचें वाहन ताणे पळेलें. ताची घटमूट तरी तेलती सेलती भास देवाचें बेसांव तिका चुकलां आसयेत, तरी यमकोंडाचीं दारां तिचेर आड आयिल्लीं नांत. ती हजारो वर्सां लोकाच्या तोंडार खेळत आसा. पुण तिचो लेखक सुशेगाद भारतीय धार्मिक दंतकथांनी ताका सुशेगाद केला. पोरुंच्या निमण्या दिसांनी तर ताच्या सुशेगादपणाचो जाडो सुटला आसयेत. ताच्या पयली तो सुशेगाद आनी तांचे मधें आडवेतिडवे गेल्ले आपल्योय दंतकथा रचतात - मोयजेन साडेपांच हजार वर्सां आदीं केल्ल्या भाशेनूच.

कोंकणी भाशेक हिमवाभायर सरस्पत आशिल्ली. ती पाखळ्यांनी भाणाचे गंधणीक घालून हुलपायली. ही आमची भोव पोरनी Myth या दंतकथा. आमचे भाशेंत कांय गिरेस्तकाय ना म्हण उवगुंच्या लोकाक वनांवक सारिल्ली फट.

खरें म्हळयार पुरावे सांगतात कि पुर्तुगेज न्हावपाक फाटीं. म्हणकूच आमची सरस्पत हुलपावन ताणी उदक तापंवची गरज नाशिल्ली. शिवाय लोक कागदा कुडक्याक वळवळटालो. शितळाचीं चड्डां दोनूंच कामांक वापरतालो - गोड वांधूंक

आनी साहित्य वर्गेवक. त्या वेळीं मनशाक गोडाचो वालोर मीहित्या परस अधिक आशिल्ल्यान साहित्य रचतल्यांचो दुष्काळ आशिल्लो या वर्गवपी नाशिल्लोच म्हणूं येता. हुलपांवचें कितें कपाळ ?

आतां हांव कोण ? तें म्हाका विचारनाकात. देवाधिन वर्दे वालावलीकर उर्फ शेणय गोंयबाबालागीं विचार ताचो स्पिरीत म्हज्या आधाराक येंव. ताच्या वर्‍या मनान हांव गोंयकार. इतिहासाच्या खरयेंत भाजून करपून वेळोवेळाक कोण वेंगुर्ल्याक, कोण सावंतवाडीक, कोण सुपा, हलयाळ, कारवारक, कोण कुमटा, होनावर, मंगळूराक, कोच्ची, तालचेर, कोडग, मैसूर, धारवाड आनी बेळगांवाक पावल्यात आनी आपली भास ताणी जगून दवरल्या ते ताच्या प्रकार सगळेच गोंयकार. आमी फाटीं आयल्यार मायामोगान वेंगोंवक ते तयार.

पुण इतिहासिक राजकारणाची एक दंतकथा आमच्या शिरंत्रांनी चेपून बसल्या. 1510 इसवेंत आल्बुकरान पुर्तुगेजां खातीर गोंय आनी तीसवाड जिकलें. मागीर कांय वर्सांनी सास्टी तशें बारदेजूय घेतलो. उपरांत थोड्या वर्सांक तांची साम्राज्यशाय मदनमस्ती थांबली. ज्या जाग्यार आमी आतां आसात तें वाठार आल्बुकराच्या नंतरच्या पुर्तुगेजांनी अडीजशें वरसां नंतर तांचे सत्ते भितर हाडलें. आतां तें गोंय. जर पुर्तुगेज व्यापारी पोकरीपण बारदेज-सास्टींत संपुल्ली तर म्हजे भाशेनूंच सांखळेकार गोंयकार आसतोना.

...ह्या ऐतिहासिक पुराणकथेच्या गोंधळांत म्हाकाच हांव मिसळून धेताना हांवय गुसपतां. आरे बाबा, तर हांव कोण? हांव अडेक मंगळूरांत रावलां, देखून म्हाका 'मंगळूरकार' विल्लो. पुण म्हजीं म्हालघडीं हांगा वसती करतालींच. तांची भास हांव आजून उलयतां. पोयर पर्यंत म्हजो आजो (बापायचो बापय) खंय तरी सास्टीच्या एका गांवांत रावतालो. हांव ताचो खासा नातू आनी हांव गोंयकार न्हंय. हांगाचो कवी वडामुळांत पायंजणांचो नाद आयकाता. आनी हांव आबोल्याच्या फुलांत जळटो उजो पळेतां. तरी तो कवी गोंयकार पुण हांव कोण? हांव गोंयकार न्हंय ?

अशें हांव कोण, हांव कोण म्हण हाक हुयेल्यो मारतां मारतां आमच्या घडिल्ल्या आनी रचिल्ल्या पुराणकाण्यांची पुजा करतल्यामदीं हांव गुसपतां.

...आतां तशें न्हंय. भास एक मनीस विंगड. आनी हें सार्थक करूंक एक दंतकथा! भास एक तरी जात विंगड, कालेती विंगड, चिंतप विंगड सगळें छिद्र विच्छिद्र! वांटे फांटे तीर तिरकुटे. ह्या मनशाकुळा मदें आतां खरो कोंकणी मनीस कोण ? खरो गोंयकार कोण ? हांचीं आपसामधी सोदनां.

...धर्मान, गांवान, जातीन, चिंतनेन, कातीन, कालेतीन, देवान, देवचारान, खाणान, जेवणान, हांसपान, न्हेसपान, करणेन, मोडणेन, वाचपान. लिपीन इतलें विंगड. विकळाल्लें आनी सेकळेल्लें हें कोंकणी कुटम - आनी ताचो हर दुर्गुण रुजू करूंक एक दंतकथा ! व्हड एक नांवाक कोंकणी समाज, खर्‍यान ल्हान ल्हान जम्यांची चिंदी !

...एदोळ तीन लिपयांनी आमगेल्या लेखकांनी जी संस्कृती, कालती आनी कालेती रचून घाल्या ती वारकायेन तेळी तर हें उठून दीसता. कन्नड लिपींतलें साहित्य ताणी विलायती कालेतीक पयस करून, विस्तीद आनी नाचाच्या भष्टावणे सावन आपणाले संस्कृतीक वांचोवन कशे खरे जेजुचे सेवक जाले म्हण पाचारता. तांतलीं आंतोन परोक्ष, सरियाणाम आनी आंजेलवाय तसलीं पात्रां आधाराक टीप्पु सुलतानान व्हाळयल्लें 80.000 किरिस्तांवांचे अडेजशें हजार रयालनां रगताचें तिळे करून आपल्या कपालाक पुशीत रावतात. गोंयच्या हिंदुच्या नागरी लिपींतलो विटूदाद, पोकेंवाव आनी शेंवतुलें आपणे राकून दवरिल्ली शुद्ध संस्कृती उकलून धरता. तशें रोमिंतलीं किरिस्तांवांली आक्किलीन, रोझालीन आनी ओलांन्डो 'दाळभात' कालेतीक ल्हान करून आपणे वागयिल्ली अर्धी विलायती कालेती श्रेष्ट म्हणटा.

म्हणटच आतां निर्शेवन हांवें गांवचें पडटा,

धात म्हणा मेणालागीं हांव कोण? / मेण म्हणात कित्याक चिंतप जबोर / तुका म्हाका खंयरो आसा आपलेपण / जळ म्हज्या वांगडा आनी जा गोबोर.

कुडीक कशीं सवयो जातात, तशो सर्तीकूय जातात. पुण कूड पोरनी. सत तरनी. कुडीची वस्त्रांय तीं फापडून उडयत. पुण मनांत रिगल्लो कावळो य पारवो भायर काडूंक कठीण आसता. हो सेकळो, आनी विंगड रंगाचो कावळो आमच्या लोकाच्या मनांत रिगला ताका ह्यो दंतकथाच कारण. तांच्या मस्तकांत रिगिल्ली भ्रांत भायर काडून, तिका एकवटींत करची जापसालदारकी आयच्या लेखकाची.

ही अंतस्करणाची झडती हांगासर संपयताना जींय सवालां उठल्यांत आसतीत ताका जापो सोदची जापसालदारकीय आमच्या लेखकांची. हांव तितलो शिरवंतूय ना या बुद्धिवंतूय ना की सेकडों वरसांचे दुयेंसाक आतांच्या आतां ओखद सोदून दींव. फकत तीं भोगणां उचारूंक म्हाका आस्पद करून दिल्लो आयचो वरयणार हें पिडेक वोखद सोदतालो म्हळो भरवंसो म्हाका आसा. तशें उगत्यान तीं भोगणां उचारूंक म्हाका हे उंचायेर चडयिल्ल्याकूय हांव उपकार आठयतां. कसलोय शीण जाला आसयेत तर भोगस मागता म्हणटा.

...नाका हो मांड म्हाका / व्हावचें उदक खंयीं व्हावतें / नाक लागतां तुज्या नाका / तुज्या केसांत फुलतें शिंवतें / म्हाका तेंच पावतें, तेंच पावतें.

❑

अध्याय 9

हेर कोंकणी वावर

जेदना 1969 इस्वेंत चा.फ्रा. देकोस्ता मंगळूराक आयलो तेदना कोंकणी लोकाचो प्रातिनिधिक संस्थो थंय नातल्लो. मुंबयंत 1942 इसवेंत आनी गोंयांत 1962 इसवेंत *कोंकणी भाषा मंडळी* स्थापित जाल्ल्यो. आतां कर्नाटकाकयी असली एक भाषा मंडळ जाय म्हण कोंकणी लोकाची उरबा आनी मागणी आसल्ली. ह्या विषांत गोंयच्या कोंकणी फुडाऱ्यांचोय हुसको आसल्लो. 1974 वरसाच्या फेब्रेर म्हयन्यांत गोंयच्या पणजेंत धावी अखिल भारतीय कोंकणी परिशद जमची आसल्ली. गोंयच्या कोंकणी फुडाऱ्यांक कर्नाटकाच्या कोंकणी लोकान भरपूर संक्यांनी परिशदेंत भाग घेजाय म्हळळी उरबा आसल्ली. त्या इराद्यान कर्नाटकांतल्या कोंकणी लोकाक संघटित करूंक आनी कोंकणी भाशेखातीर वावरूंक *'कोंकणी भाषा मंडळ कर्नाटक'* 1974 जानेर 1 तारिकेर अस्थित्वाक आयली. मंगळूरचो नगरसभापती, काथोलिक धर्माध्यक्ष मुखेल सयरे जावन आयल्ले तशें गोंयांथावन 20 कोंकणी माहिती आनी सालभर लोकामुखार भाषा मंडळाचें स्थापन जालें आनी चा.फ्रा. देकोस्ताक सर्वानुमतेन पयलो अध्यक्ष विंचलो.

उपरांतल्या एका म्हयन्यांत भाषा मंडळाची बुनयाद घट कर्न गोंयच्या परिशदेक एक बळाधीक प्रतिनिधी मंडळ व्हरूंक तो वावुरलो. त्या परिशदेंत जाल्ल्या युव-सम्मेळनाचो तो अध्यक्ष जालो आनी तांतू ताणे दिल्लें भाषण सगळयांनी वाखणलें. परिशदेचें मुखलें अधिवेशन म्हणजे इक्रावें अधिवेशन पयले पावटी मंगळूरांत करूंक कर्नाटकाच्या कोंकणी भाषा मंडळी तरफेन ताणे उलो दिलो आनी तो परिशदेन मांदून घेतलो. तेदोळ परयांत कारवारांत परिशदेचीं दोन अधिवेशनां (1939 आनी 1960) आनी उडुपींत एक (1940) अधिवेशन जाल्लें तरयी मंगळूरांत परिशद जमोंक नातल्ली. 1976 फेब्रेरांत इक्रावी परिशद मंगळूरांत दबाज्यान जाली तरयी देकोस्ताक तांतू कांय महत्वाचो पात्र नातल्ली वेजारायेची
गजाल जावनासा.

'जागे-कवी'

सत्तराव्या आनी अयश्यांच्या दशकांनी मंगळूरांत *'जागे-कवी'* म्हळळो तरन्या कविंचो जमो आसल्लो. हांनूं देकोस्तानयी सक्रीय वावर केला. *'जागे-कवि'*चो

स्थापक मेलवीन रॉड्रिगस म्हणटा. "*मंगळूर फातिमा मंदिरांत एक कार्यावळी उपरांत हांवें एका मनाच्या सर्वंय कवींक एकटांयलें. ह्या पंगडाक 'जागे-कवी' म्हण नांव दिलें. 'जागे-कवीं' चीं पयली कवी गोश्टी चाफ्रान चलोवन व्हेली. उपरांतल्यो चडुणे वीस-पंचवीस कवी-गोश्टी हांवें आनी म्हज्या इश्टांनी मांडून हांडल्ल्यो. चाफ्राक आमंत्रण आसतालें. तो येतालो. ताचो सहकार दितालो. 'जागे-कवी' न चाफ्राच्या वामंजूर गांवांत ताच्या घरा मुखार, आंब्यामुळा मांडून हाडल्ली कवी-गोश्टी आमी ताका दीवयेत जाल्ली/दिल्ली विशेस सरयाद. चाफ्राक त्या दिसा जाल्ली खुशी इतली आनी तितली न्हंय. त्या कार्याक गोंयच्या भाषा मंडळाचो अध्यक्ष (नांव विसरलां) आयल्लो. तवळच अंतरल्ल्या र.वी. पंडितांविशीं हांव उलयलों. एरिकान पदां गायलीं. चडुणे पन्नास-साट लोक जमल्लो.*"

'*जागे-कवी*' पंगडांत मेलवीन रॉड्रिगस, फ्रेड कुमार कुद्द्रिकाडू, मिज्येस ताकोडे, नेरी नजरेत, टेटस नोरोन्ञ अमले फुलने तरने कवी आसल्ले. देकोस्ताच्या काव्याथावन आनी ताच्या व्यक्तित्वाथावन तांणी विशेस प्रेरण जोडलें. तांच्या पयकी दोगांच्या कविता-जम्यांक ताणे उत्तेजनात्मक प्रस्तावना बरयल्यांत. '*जागे-कवीं*'तल्या फ्रेड कुमार कुद्द्रिकाडून प्रकट केल्ल्या '*वांवळां*' (1990) काव्या-जम्यांत बरयल्ल्या प्रस्तवनेंत देकोस्ता म्हणटा , "*जागे-कवी कवितेची, बरे रसाळ कवितेंची जाग्रूतकाय आसल्ल्या कविंचो जमो. एदोळ तांच्या सात जमातेंक पंचवीसथावन पन्नास रसीक सांगाता मेळयात... ताचें संगीत विंगड - कावळयाची काकाय, कोंगळिचें पेंपारें, किर्डी-मुसांचें सुंयपण, नत्तुंग-गुर्गिच्यो कुकवो. तांचो गांव विंगड, रान आनी बोलें, रुकाचें काटें, काजुची पाड, सिरवोलेंचें मळें. ताचें जेवाण विंगड - पेज, नीस, कांडी करमल, सिटाखोळ, तेरें, कीर्ल, बोर्न आनी गेस, आनी मागीर "ये, येवन व्हच, ये जेवन व्हच, ये खावन व्हच" म्हणचें उद्धार काळीजयी विंगडच.*"

मेलवीन रॉड्रिगसाच्या '*सांगा पेळां*' (1989) कविता-जम्यांत दिल्ल्या प्रस्तावनेंत कोंकणी कवितेंच्या आपल्या अध्ययनाविशीं देकोस्ता म्हणटा, "*गेल्या पांचतीस वरसां हेवशीं कोंकणी कवितेंचें अध्ययन करीत आयलां. भोव खाल्लतेपणी, प्रदेश, प्रकार, लिपी, उचार हांचो भेद म्हाका अनवयसूंक ना. प्रदेशांनी भोंवलां. प्रकारांचें विश्लेषण केलां; चरित्रा चाळळयां; लिपयो शिकलां; आचार विचार गाळळयात. कोंकणी कविता-जगत्तांतयी प्रकृतेन अशेंच केल्लें भोगलां.*"

देकोस्ताथावन प्रेरण जोडल्ल्या कवीं पैकी मुंबयचो वलेरियन डिसिल्वा एकलो. देकोस्ता सांगाता दोनी विरोध चळवळेंत डिसिल्वानयी काम केलां. ताणें उजवाडायल्ल्या '*अमृत*' (1997) कविता संग्रहांतल्या 'अर्पणांत' देकोस्ता विषांत तो म्हणटा, "*म्हजी पयली कविता 'रेत' चार्ल्यावान (देकोस्ता) 1960 वरसा 'पयणारीत' छापली. हें पळेवन म्हाका वरतो संतोस जालो. मतींत नवे नवे विचार गुंवोंक लागले. उपरांत चार्ल्यावान म्हाका सांगलें की जें कितें तुज्या मतींत येता तें सगळें एका कागदा कुडक्यार बरवन दवर. उपरांत ते सगळे विचार सांगाता मेळय आनी कसें ताळ पडटा पळे. जे सव्द गूंड अर्थाचे मेळटात, ते कवनांनी घालूंक पळे. ताचे निमतीं कवितांचो अर्थ वाडटोलो... तूं बरय, कितेंय बरय, उपरांत आपूण आसां... तवळथावन एदोळ म्हणासर, कितेंय हांव बरवन आयलां तर ताका चार्ल्याव कारण जावनासा.*"

❑

अध्याय 10

सनमान-पुरस्कार

1969 वर्सा देकोस्ता मंगळूर पावतच चार-पांच वर्सां नाटक बरोवन मांचियेर हाडच्या वावरांत मग्न जालो. कर्नाटकांत कोंकणी लोकाक संघटीत करचें कामयी ताणे हातीं घेतलें.

1989 वर्सा साहित्य अकादमी पुरस्कार लाभल्या उपरांत देकोस्ताक मंगळूरांत, गोंयांत आनी मुंबयंत सनमान केलो. थोडेकडे थैल्यो अर्पिल्यो. ह्या पयकी 1990 आगोस्त 19वेर मंगळूरांत कर्नाटक कोंकणी भाषा मंडळातर्फेन केल्लो सनमान चड वैभवीक म्हणयेत. त्या दिसा, चाफ्राच्या साहित्याच्या विविध कुसांवयर चर्चा जाली. गोंयचे आनी मंगळूरचे प्रसिद्ध साहिती वेगवेगळ्या विचार गोश्टींचे अध्यक्ष वसले. गोंयाथावन पुंडलीक नायक, नागेश करमली, श्रीधर कामत, प्रताप नायक, चर्चिल आलमांव आनी हेर आयले जाल्यार मंगळूरथावन श्री रव्वू आनी लीना फेर्नांडीस आनी सागरथावन ना. डिसोजा आयले. चाफ्राक त्या दीस '*साहित्य कुल रत्न*' म्हळें बिरुद दिलें आनी सनमान केलो. मंगळूरांत खंच्याय एक साहितिच्या कृतियां वयर अशी विशाल चर्चा जांवची हीच पयले पावटी.

केंद्रीय साहित्य अकादमिच्या वेगवेगळ्या साहितीक कार्यक्रमां पैकी 'लेखक तुमच्या भेटेक' (Meet the Author) म्हळें एक विशेस महत्वाचें कार्यक्रम आसा. ह्या कार्यक्रमांत साहित्य अकादमी, प्रख्यात ग्रंथकारांक तांकां आवडच्या ठिकाण्यार आपयता. त्या ग्रंथकाराचे अभिमानी आनी हितचिंतक ताच्या भेटेक थंय येतात. सुरवेर तो ग्रंथकार आपल्या साहितीक जिणये विषांत उलयता. उलयताना आपल्या थोडच्या लोकामोगाळ पुस्तकांचो उल्लेख करून तांतलीं थोडीं वेंचणार वाक्यां वाचता. आपणें जिणयेंत केल्लो संघर्श तशें जोडल्लें यश आयकोप्यांकडे वांटून घेता. उपरांत लेखक आनी ताच्या अभिमानी मधें सवालां जापिचें एक सत्र चलता. ह्या वरवीं त्या लेखकाची वळक चड सापान साहित्याभिमानींक जाता. तांका त्या साहितीलागीं खासगी जावन उलोवंची संध मेळटा. सवार पावटीं साहित्याभिमानींक आपणाक आवडच्या लेखकाच्यो कृतियो मात्र वाचूंक मेळटात शिवाय त्या कृतियांचो निर्मातो पळोवंक मेळना. तसल्यांखातीर हें कार्यक्रम येवजिलां.

1992 नवेंबर 28 तारिकेर गोंयच्या मडगांवांत चा.फ्रा. देकोस्ताच्या मानाक

साहित्य अकादमीन 'लेखक तुमच्या भेटेक' कार्यक्रम मांडून हाडलें. आपल्या साहित्य साधनां विषांत उलयताना चा.फ्रा. देकोस्तान आपल्या भुरग्यापणाचो उडास काडून कशें आपणाक कोंकणीथंय मन वोडलें तें सांगलें. उपरांत आपुण मुंबय पावनच देश-विदेशी साहितिंच्यो सवार कृतियो वाचून काडल्यो. शेक्सपियर, वर्डस्वर्थ, मिल्टन, शेले, बेंद्रे, पुट्टप्पा आनी हेर महान साहितिंच्या कृतियांवरवीं आपुण विशेस प्रभावीत जालों. आपल्या कवितांथंय चड मोग दाकयिल्ल्या गोंयच्या साहित्याभिमानींक आपली कृतज्ञता ताणें पाटयली. प्रस्तुत आपुण दलितांच्या उद्धारा खातीर मंगळूरांत वावूर्न आसां म्हण तो म्हणालो.

1988 मार्च म्हयन्यांत देकोस्ताचो पयलो काव्या-जमो '*सोंशाचे कान* ' गोंयच्या 'जाग प्रकाशना'न प्रकट केलो. ताची काव्य-प्रतिभा जाणा आसल्ल्या कोंकणी साहित्याभिमानींक 1989 वर्साचो '*साहित्य अकादमी पुरस्कार* ' निर्धारीत जावन देकोस्ताक मेळटलो म्हण भोगलें. त्या पुस्तकांत छापल्ल्यो कविता रेडियोर प्रसारित कर्न, वेगवेगळ्या गांवांनी कविसम्मेळनांनी वाचून, वेगवेगळ्या पत्रांनी छापून लोकामोगाळ जाल्ल्यो आसल्यो. प्रकाशक रवींद्र केळेकार म्हणटा, "ताच्या पाटल्यान लागून लागून ताच्यो कविता जमो केल्ल्यान तें सरगीप ताका मेळळां. सुमार तीन वर्सां लागलीं आमकां तांच्यो कविता तांचेथावन घेतासर. तांकां आपल्यो कविता खंय पडल्यान म्हळ्ळी खबार लेगून नातल्ली. असलो निस्प्रह मनिसच आमकां कोंकणी साहित्याच्या मळार पळेंवक मेळोंकना."

कोंकणी लोकाच्या निरीक्ष प्रमाणें 1989 दसेंबर 27व्या दिसा भारत सरकाराचो अतीं श्रेष्ट - साहित्य अकादमी पुरस्कार - चा.फ्रा. देकोस्ताक ताच्या '*सोंशाचे कान*' पुस्तकाक फावो जाला म्हळें घोशण रेडियो आनी दूरदर्शनावयर प्रसारित जालें. देकोस्ताच्या हजारों अभिमानींक इतलीं वर्सां राकोन रावल्लें सुफळ जालें म्हण भोगलें. गोंयांत एक उल्लासाचें वातावरण निर्माण जालें. ताच्या कवितेची खूब चर्चा जाली. एक हफ्तोभर थंयच्या नेमाळ्यांनी देकोस्ताच्या साहित्याचेर विश्लेषणां येंवक लागलीं. 'सुनापरांत' दैनिकांत उदय भेंब्रेन, 'गोंयचो आवाज' दैनिकांत वाप फ्रेड्डी डिकोस्तान, 'जाग' म्हयन्याळ्यांत रवींद्र केळेकारान आनी 'राष्ट्रमत' दैनिकांत चंद्रकांत केणीन लांब संपादकीयां बरयलीं. रवींद्र केळेकारान 1990 जानेर 7 तारिकेच्या 'नवप्रभा' मराठी दैनिकांत बरवन म्हळें, "*चाफ्राक साहित्य अकादमीन पुरस्कार दिल्ल्यान चाफ्राची व्हडवीकाय व्हाडल्या म्हण ना. साहित्य अकादमिनंच आपल्या व्हडविकायेंत थोडी वाड करून घेतल्या म्हणयेत. जाणे ताचें साहित्य वाचूंक ना ताका कोंकणी म्हणूंक फावो ना. तांचीं तीन नाटकां आनी एक कविता-जमो नागरींत आसा त्या कविता संग्रहाक अकादमी पुरस्कार मेळ्ळा. तें 'सोंशाचे कान' पुस्तक म्हज्या 'जाग प्रकाशनान' छापलां म्हळळयांत म्हाका अभिमान आसा. आपणाकच मराठी परंपरेंतले म्हणटल्यांनी तर ही कविता वाचिजायीच. आपुण कितले ल्हान आसात म्हळें तरयी तांकां कळात. समजायां. फाल्यां कोणाय कोंकणी एक दोन लेखकांपैकी ज्ञानपीट पुरस्कार*

दींवक पडात. तर तांतलें एक नांव चाफ्राचें जरूर आसाजाय. हो भारतीय आकारांचो साहिती आसा."

1990 फेब्रेर 20वेर देल्लींत चलल्ल्या संभ्रमिक कार्यावळींत साहित्य अकादमिचो अध्यक्ष वी.के. भट्टाचार्यान ताका पुरस्कार दिलो. त्या संदर्भार वाचल्ल्या अभिनंदन पत्रांत असो उल्लेख आसल्लो:

'...ह्या वर्साच्या साहित्य अकादमी पुरस्काराक विंचल्लें ताचें 'सोंशाचे कान ' कविता-संकलन तांतल्या प्रवाहाखातीर उल्लेखनीय आसा. ह्या प्रवाहांत भावावेश, नादसौंदर्य, अर्थ आनी लय मेळोन एकरस जाला. हाचो प्रभाव आमच्या अंतस्करनांत वादळभरीत ल्हारां उटयता आनी आमच्या मतिचेर वेडो घालता. हांतल्या गूंड संवेदना आनी संगीतात्मकतेक ही कृती कोंकणी साहित्याक एक विशेस योगदान म्हण मांडून घेतल्या.'

पुरस्कार स्वीकार कर्न ताणे दिल्ल्या इंग्लीश उलवपाचो कोंकणी अनुवाद असो आसा:

"म्हज्या मोगाळ साहित्य संसारांतल्या मित्रांनो,

एक ल्हान पुस्तक 'सोंशाचे कान' म्हाका तुमचे मुकार उबो जांवचो संद्राप दिता. हे कान कित्याक आनी तांतल्या तांतूं सोंशाचे कित्याक ? ह्या सवालाक हो म्हजो विवर.

रचनेच्या ज्या सुळिगोंदोळांत घुसपोच्यांनी, तांणी निर्माण करच्या वस्तूंक अनभोगच कद्दा म्हाल. संयबान तांकां हे अनभोग भोगूंक इंद्रियां दिल्यांत. पूण मनशाचीं पंचेंद्रियां संयबान दिल्लेवरीच उरोंक नांत. विकासाच्या कर्मांनी तांकां आतांचे परिस्थितीक हाड्न पावल्यांत. तांची धार आतां वड्ड जाल्या. म्हणटाना गिदाच्या दोळ्यांक आसल्ली धोमोस मनशांच्या दोळ्यांक ना. सुण्याचें नाक मनशाच्या नाका परस बळीष्ट आसा. जिवेचें त्राण रांदपाच्या वावरान मोडलां. स्पर्शाचो परिणाम भासार घालच्या परस मोसार घालता.

एक्सुरीं हीं इंद्रियां अस्कत आनी वावडीं, एकामेकाच्या सांगातांत समाधान जोडटात.

कान तशे न्हंय. विकासाच्यो धाडी ताणे मात, एदोळ तडवून घेतल्यात. मनशाचे कान जाल्ल्यान ते अस्कत आसतीत, नित्राण आसतीत. पुण ते रचनेच्या वावराक अती गरज आमच्या एक्सुरपणाक कशे सोसून आसात! जल्मनातल्ल्या जिवितांत दोळे कुड्डे आसताना, नाक निरजीव आसोन परमळ आनी घाणीक ओळकोंक सकानातल्ल्या वेळार, रूच अरनिदेंत फिचार जावन आसताना वा उसमडची. आपडची सकत कायीं भोगुंक सकानातल्ल्यावेळीं - कान मात आवयच्या गर्भांतल्या वंदखणींतथावन. भायल्या भायर वापायचे सुस्त सुस्कारे वा हांशे गुपीत आयकाताले.

साहित्याच्या संसारांत आमी जें निरमाण करतांव, तें पूरय आमचे अनभोग चाळटां चाळटां आमी निर्माण करतांव म्हण एकामेका सांगत आसतांव. मानिनासतां

गांवचें हें म्हजें साधन न्हंय. फकत उपकारी मनान कानांनी जें कितें म्हाका केलां तें पाचारचें म्हजें हें साधन.

दोळे फडच्या मळबाथावन आळशी फांतें जांवाय दिता. भोव थोडें हांतूं पळेवंक आसा आनी हुंगचें तसलें कांयींच ना. रूच आनी स्पर्श वोलिंच्या जीव नातल्ल्या उबेंत आनिकयी स्वस्थ निदोन आसात.

वेगीं उटल्लीं सुकणीं मोगाचीं गाणां गायत आसात. वेगीं उटल्ल्या किड्यांक हो जिवाचो संचिकार जावयेत. पुण कानांक मात गोड संगीताचो हो सळसळो म्हणच्याक दुवाव ना.

मागीर रुकाच्या पाल्यांतल्यान थंड फांत्याचें वारें हळवायेन सुंयपिता आनी मागीर मुळमुळो व्हाळ मोगान मुरमुरता. आनी मागीर तळयाच्या पोट्टया ल्हारांनी उटयिल्लो गोडसो आवाज. आनिकयी बोंयांनी सपणेंवच्या माळकांच्या पाकळयांक पोकरी उमे दिता !

ना. कवितेच्या सपणांचे हे आवाज मात तुका संतोसाच्या मिरियांनी निदायनांत. वगर आयकोंक मन आसच्या कानांक आवाजाचो दुकोळ ना. वावराडी मुसांचो तो वेसांवभरीत वुजवुजो आसयेत. वा मस्तेल्ल्या पाड्याची हल्कंदांवची हांवेवणी आसत. वा लडायेच्या नाळिंची मरणाची गाजोवणी आसयेत. वा नाचपिणिच्या पायांतल्या पांयजणांचें झणझण जावयेत - कान मात हो आंगकाडपी नाद व संतोसाचो सळसळो कैद करूंक सकता. आनी ह्या वेवेगळया आवाजांच्या वैभवांत अंत्रळांत उबंवक सकता.

आनी मागीर हेर इंद्रियां मरोन पडल्यारयी परवो ना.

कोंकणींत एक गाद आसा: 'नाद जाय कांशाचे, कान जाय सोंशाचे' मनशाची जात हांचेर इतली सोसगळी जाल्या की ती ते हुशारायेच्या भोन्यांक, ल्हान सान संशांक कानांनी धर्न उबी करता! ह्या कानांचें गुणगान संपंवचे आदीं म्हाका आनी म्हज्या कानांक तो अवकास ओदगायिल्ल्या साहित्य अकादमीक हांव काळजांतथावन आभारी आसां. आतां एक ताळणी येता. म्हजे भाशेचें संगीत, ती भास कळीतनातल्ल्या कानांक कशें आयकात म्हळेंच म्हजें कुतूहळ. त्या देकून थोडे सब्द म्हजेच भाशेन सांगतां

आयकोंची तान देकून
मागले सोंशाचे कान
आतां नाका म्हजे कान धरूं
तुमकां देव बरें करूं "

❑

अध्याय 11

निमाणे दीस आनी मरण

मुंवयथावन मंगळूराक आयल्लो देकोस्ता आपलो मावळो तोमास पायसालागीं रावतालो. देकोस्ताचें व्याक्तित्व आनी चिंताप रूपित करच्यांत तो प्रमुख पात्र खेळला. ताची एकलीच धूव स्तेल्ला पायस, देकोस्ताक ल्हान पिरायेरथावन लागीं आसल्ली. तांचें व्यक्तित्व आनी तालेंत एकामेका ताळ पडटालें. स्तेल्लाय एक फुलोन येंवचें साहिती म्हण वळकाल्लें. चाफ्राच्या महवासान ताची साहितीक प्रतिभा आनिकयी चड फुल्ली. तिच्यो मटव्यो कथा कोंकणी साहित्य शेतांत आपलेंच एक स्थान जोडूंक पावल्यात. तिचो एक कथा-संग्रह '*आकांत*' (1987) 'नंदिनी' म्हळळया लिखणे-नांवाखाल प्रकट जाला.

43 वर्सां पिरायेच्या देकोस्ताक आतां एकसुरपण भोगूंक लागल्लें. ताणे आनी स्तेल्लान लग्ना-भेसांत एकवटचो निर्धार केलो. भाव-भयणींच्या भुर्ग्यांमधें काजार जांवचें अपरूप आसतां हाका विरोधयी आसल्लो. पूण देकोस्ता आपल्या सयऱ्यालागीं म्हणालो की आमी दोगायंनयी मस्त चिंतून हें सेट काडलां. स्तेल्ला म्हणटा, "हें काजार आमकां दोगांयक शिवाय हेर कोणाकयी पसंद नातल्लें." तांचें लग्न 1974 आक्तोवर 14वेर मंगळूरांत जालें. तांकां दोगां भुर्गीं जलमालीं - मालघडी धूव सोनिया (1976) आनी दुसरो, विनोद (1980). सोनिया वापायच्या मेटांनी चलोन एक फुलतें कथाकार जावन येता.

एका वाटेन कोंकणी साहित्याथंय देकोस्ताची सैंवाची वोडणी आनी दुसऱ्या वाटेन लग्ना-जिविताचे संघर्श. ह्या दोनां मधें सांपडोन तो कष्टालो. 1992 सगळें वर्सभर तो बऱ्या भलायकेंत नातल्लो. नाकांत शेळ जाल्ली ताच्या हर्द्यांत भरली. ताच्या घरचें वातावरणयी ताच्या भलायकेक ओंववालेंना. ताणे आपल्या घरालागीं कुंकडां पोसपाचें एक ल्हान उद्यम हातीं घेतल्लें. सदां कुंकडांची जतन घेंवक पडटाली. कुंकडांक पिडा लागानातल्ल्यावरी घुडांत घालच्या रसायनाचो वायट परिणाम देकोस्ताचेर जालो. ताचो घाट ताच्या नाकांतल्यान फोपसाक व्हचोंक लागलो. शेळ जावन ताचे श्वास-नाळ सुजोन गेल्ले. म्हणजे, ताका 'ब्रोंकायटीस' जाल्ली. रसायनाचो घाट ताच्या फोपसांत भरोन ताची 'ब्रोंकायटीस' दिसानटीस व्हाडोन आयली. फावोती चिकित्सा ताणे वेळार केलीना. त्या शिवाय गोड-मुताची पिडायी ताका आसल्ली.

त्याच वर्सा थोड्या गोंयकार मित्रांच्या वत्तायेक लागोन तो गोंयांत आलवीन

लोवो म्हळळ्या वळकिच्या वयजाचो चिकित्सा करूंक गेलो. थंयसर थोडे हफते रावलो आनी भलायकेंन थोडें सुधराप जावन पाटीं मंगळूराक आयलो.

त्याच वर्साच्या आक्तोवर म्हयन्यांत मंगळूरांत 'परव' म्हळें सात दिसांचें सांस्कृतीक कार्यें व्हड प्रमाणार जालें. देकोस्ता गौरव अध्यक्ष जावनासल्ल्या प्रसिद्ध 'मांड-सोभाण' सांस्कृतीक संस्थ्यान हें येवजिल्लें. ह्या सात दिसांच्या दवाज्यांत देकोस्ता आपल्या नाजूक भलायकेचें गुमान करिनासतां खूब वावुरलो. '*रोजिक काजार*' म्हळें कोंकणी सांप्रदायिक लग्ना-रीत दाकंवचें एक कार्यें आसल्लें. तांनलीं उतरां सगळीं चाक्रान वरयिल्लीं आनी ताणेंच वाचल्लीं. वाचताना परिणाम जांवच्येखातीर ताळो उबारिजाय पडटालो. पयलेंच तो अस्कत आसल्ल्यान ह्या कार्यावळी उपरांत ताची भलायकी चड भिगडली.

एका म्हयन्या उपरांत म्हणजे 1992 नवेंबर 28वेर ताच्या मानाक '*लेखक तुमच्या भेटेक*' म्हळें साहितीक कार्यें केंद्रीय साहित्य अकादमीन गोंयच्या मडगांवांत येवजिल्लें. तें कटीण पिडेस्त जालां म्हळें तो थंय पावल्ल्या वेळार सगळ्यांक सुसतालें. ताची जडाय देंवोन तो भोव नित्राण जाल्लो. ताच्या तोंडार काळवाण पडल्ली. कष्टांनी तो उलयतालो. कार्यें जाल्या उपरांत ताच्या मित्रांनी ताका वत्ताय केली की ताणें थोड्या दिसांक तरयी गोंयांत रावोन विश्रांत घेजाय म्हण. पूण तो आयकालोना. आपणे सोरचें जाल्यार आपल्याच मायगांवांत आनी आपल्याच घरा म्हण हटाक पडलो. त्या कार्याक आयल्लो पुंडलीक नायक म्हणटा, "*साहित्य अकादमिच्या कार्याक तो आयलो म्हण आमकां भोव खुशी जाल्ली. पूण ताचो जिनोस पळेताना आमकां सगळ्यांक भोगलें की थोड्याच दिसां भितर कांय तरयी वायट खबार आयकोंक मेळटेली कोण्णा म्हण आनी तशेंच जालें. मंगळूर पावोन दोन दिसां भितर तो ह्या संसाराक अंतरलो म्हळी खबार आयली आनी सगळ्या गोंयांत विस्तारली. सवार पत्रांनी ताच्ये विषांत लेखनां छापलीं.*"

1992 दसेंब्राची 3 तारिक ती, ब्रेस्तारचो दीस. सांजेची साडे-पांच वोरां जालीत. घरांत तो एकलोच आसल्लो. शिक्षकी पतीण स्तेल्ला शाळेक गेल्ली. भुरगीं सोनिया आनी विनोदयी शाळेक गेल्लीं. नव्या घराचें काम भायल्यान चलतालें. कामागारांची खबाडदारी ताका घेंवक पडटाली. तांच्या दीस-कूलिचें लेक-पाक कर्न तो बसल्लो. इतल्यार मुतोंक जालें म्हण उटोन घराक लागोनच आसल्ल्या मुत्रेक व्हेताना एकाचफारा काळीज रावोन धरणीक कोसाळलो. ताणे पडचें पळेल्ल्या कामागारांनी ताका उकलून घरा भितर हाडून निदायलो. तेदनांच स्तेल्ला शाळेथावन घरा पावली. पूण वेळ उतरोन गेल्लो. '*साहित्य कुल रतन*' चार्ल्स फ्रान्सिस देकोस्तान आपल्यो अमर कृतियो आमकां सोडून सासणाक आदेव्स मागल्लो. ही खबार घडयेभितर मंगळूरांत आनी मंगळूरभायर उज्यावरी विस्तारली.

1992 दसेंबर 4 तारिकेर ताच्याच वामंजूर फिरगजेच्या देव-मंदिरांत ताची

मरणा-विधी जाली. ताचे मित्र, अभिमानी आनी हितेशी देव-मंदिरांत भरल्ले. देव मंदिराच्या कुशीन आमच्या सिमेतरींत ताची निर्जीव कूड मातयेक पायली. ताच्यो प्रसिद्ध कविता '*काळजांत दवर* 'आनी '*खंय पुरला कवीक* ' ह्यो थंयसर हाजर आसल्ल्यांक उडास आयल्यो आसतल्यो.

उपरांत चलयिल्ल्या 'शृद्धांजलींत' सवार कोंकणी फुडाऱ्यांनी आनी साहितिंनी भाग घेतलो. कवीक मरण ना. तो आपल्या अमर कृतियां मुखांतर हजार हजार वर्सां वांचता. चाफ्राचो उडास ताच्या वरपांवरवीं सदांच आमच्या मतींत उरतलो, अशें म्हळें एकल्यान. पिडेन तो कष्टातालो तरयी कोंकणी खातीर आपलो वावर ताणे आपली निमाणी घडी पर्यांत चालू दवरलो. तीनच म्हयन्यां आदीं कोंकणी भाशेक भारतीय संविधानाच्या आटवे वळेरींत प्रवेस दिल्लो पळेवन तो भोव संतोस पावल्लो. ताचें चेतन फुडेंय आमचे मधें उरतलें आनी वाडतेलें अशें सवार व्यक्तिंनी ह्या महान साहितीच्या जिणये आनी मरणावयर आपलीं भोगणां व्यक्त केलीं.

❑

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No :002440

5-98

अध्याय 12

समारोप

कोंकणी साहित्याखातीर चा.फ्रा. देकोस्तान जीणभर केल्लो संघर्श निमाणो ताच्या कुडिच्या भलायकेचेर परिणाम करूंक पावलो. विशेस प्रतिकूल परिस्थितींत ताचें भुरगेपण आनी तरनाटपण संपलें. एका वाटेन, कोणायचेंय मार्गदर्शन नासतां, स्वताच्या प्रतिभेन कोंकणी साहित्याचें साधन ताणें ज्यारी दवरलें आसतां, आनेका वाटेन, दुर्वळकायेचें काळें कूप ताच्या तरनाटपणाच्या जिणयेंत एक सावळी जांवक पावलें. शिकपांत उज्वल भविश्य ताका राकोन आसल्लें. पूण तें आपणांवची वाट ताका दिसलीना. उंचल्या शिकपाची आशा, सुफळ जायनातल्लें सपाण जालें. ताका साध्य आसल्लें तर, ताचें तसल्या धारेभरीत तकलेच्या भुरग्याक कितलो ऊंच शेवटयो हातभायर जातोना. पूण कुटमाच्या दुर्वळकायेचो वाल्पो दारभायर दांत पाजून आसताना, ताका भायर दवरच्याखातीर करूंक पडल्लो संघर्श आपलें पयलें कर्तव्य म्हण तो समजालो. ह्या घोर संघर्शामधेंय ताणें आपलें स्व-शिक्षण सोडलेंना. मंगळूरांत तशें मुंबयंत आपलें गिन्यान वाडंवचो हरयेक अवकास ताणें बऱ्याक वापरलो. ताच्या नाटकांनी, काणयांनी दुरवळयांच्या आनी शोशितांच्या जिणयेचेर ताणें आरसो धरलो. तांचेथंय सहानुभूती व्यक्त केल्या. तांचें शारिरीक आनी मानसीक कळवळ, वळवळ तो सारको समजालो. आपल्या संवेदनाशील मनांतलीं सोगाचीं, निराशेचीं, संतोसाचीं, आशेचीं, भरवश्याचीं सुतां ताणें भाव दक्षतेन संगीत भरल्ल्या काव्या रुपार वोळलीं. ताचो चिंतना-व्हाळो, ताची जिणये-गीत सवार जणांक समजालींना. ताची सहज प्रतिभा ते वळकालेनांत. ताच्या नाटकांची दिशा पारखूंक ते सकलेनांत. चड महत्वाचें ताचें जिणये-साधन सांडचें सोडून ताच्या चुकीं पाटल्यान, ताच्या नित्राणपणा पाटल्यान ते धांवले. एका वाटेन पळोवंक गेल्यार, ती तांचीय चूक न्हंय. साहितिक मौल्य-मापन करची शाथी तांकां नातल्ली. तांच्या सांप्रदायिक चिंतपाच्या अशीर आवाटा भितर ताणीं देकोस्ताचें साहितिक साधन वोरयलें. ताच्या साहित्य-साधना परस चड ताच्या जिणये-रितीवयर उज्वाड घालचें प्रयतन चल्लें आनी तांतूं उणेपण दिसलें. पूण ताच्या मर्णा उपरांत ताच्या नाटकांथंय, ताच्या पत्रकारिकेथंय, एक नवी दीश्ट लांवचें प्रयतन ज्यारी आसा..

❑

आधारावळ

पुस्तकां

सोंशाचे कान
मोतियां
भांगार मनीस
तरनें तरनें मोरनें
मागिरचें मागीर
सुणे माजार हासता
वोवळां
मोगा पेळो
अमृत
आव्रांवचें यज्ञदान (सं. विल्यम द सिल्व)

नेमाळीं

Indian Literature
जागमाग
पयणारी
विशाल कोंकण
उदेव
जीवित
मित्र
जाग
सुनापरांत
राष्ट्रमत

अध्याय 12

समारोप

कोंकणी साहित्याखातीर चा.फ्रा. देकोस्तान जीणभर केल्लो संघर्श निमाणो ताच्या कुडिच्या भलायकेचेर परिणाम करूंक पावलो. विशेस प्रतिकूल परिस्थितींत ताचें भुरगेपण आनी तरनाटपण संपलें. एका वाटेन, कोणायचेंय मार्गदर्शन नासतां, स्वताच्या प्रतिभेन कोंकणी साहित्याचें साधन ताणें ज्यारी दवरलें आसतां, आनयेका वाटेन, दुर्बळकायेचें काळें कूप ताच्या तरनाटपणाच्या जिणयेंत एक सावळी जांवक पावलें. शिकपांत उज्वल भविश्य ताका राकोन आसल्लें. पूण तें आपणांवर्ची वाट ताका दिसलीना. उंचल्या शिकपाची आशा, सुफळ जायनातल्लें सपण जालें. ताका साध्य आसल्लें तर, ताचें तसल्या धारेभरीत तकलेच्या भुरग्याक कितलो ऊंच शेवटर्यो हाताभायर जातोना. पूण कुटमाच्या दुर्बळकायेचो वोल्पो दारभायर दांत पाजून आसताना, ताका भायर दवरच्याखातीर करूंक पडल्लो संघर्श आपलें पयलें कर्तव्य म्हण तो समजालो. ह्या घोर संघर्शामधेंय ताणें आपलें स्व-शिक्षण सोडलेंना. मंगळूरांत तशें मुंबयंत आपलें गिन्यान वाडंवचो हरयेक अवकास ताणें बऱ्याक वापरलो. ताच्या नाटकांनी, काणयांनी दुरबळयांच्या आनी शोशितांच्या जिणयेचेर ताणें आरसो धरलो. तांचेथंय सहानुभूती व्यक्त केल्या. तांचे शारिरीक आनी मानसिक कळवळ, वळवळ तो सारको समजालो. आपल्या संवेदनाशाली मनांतलीं मोगाचीं, निराशेचीं, संतोसाचीं, आशेचीं, भवेश्याचीं सुतां ताणें भाव दक्षतेन संगीत भरल्ल्या काव्या रुपार वोळलीं. ताचो चिंतना-व्हाळो, ताची जिणये-रीत सबार जणांक समजालीना. ताची सहज प्रतिभा ते वळकालेनांत. ताच्या नाटकांची दिशा पारखूंक ते सकलेनांत. चड महत्वाचें ताचें जिणयें-साधन सांदचें सोडून ताच्या चुकीं पाटल्यान, ताच्या नित्राणपणा पाटल्यान ते धांवले. एका वाटेन पळेंवक गेल्यार, ती तांचीय चूक न्हंय. साहितिक मौल्य-मापन करची शाथी तांकां नातल्ली. तांच्या सांप्रदायिक चिंतपाच्या अशीर आवाटा भितर ताणीं देकोस्ताचें साहितिक साधन वोरयलें. ताच्या साहित्य-साधना परस चड ताच्या जिणये-रीतीवयर उज्वाड घालचें प्रयत्न चल्लें आनी तांतूं उणेंपण दिसलें. पूण ताच्या मर्णा उपरांत ताच्या नाटकांथंय, ताच्या पत्रकारिकेथंय, एक नवी दीश्ट लांवचें प्रयत्न ज्यारी आसा..

❑

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
595

आधारावळ

पुस्तकां

सोंशाचे कान
मोतियां
भांगार मनीस
तरनें तरनें मोरनें
मागिरचें मागीर
सुणे माजार हासता
वोवळां
मोगा पेळो
अमृत
आब्रांवचें यज्ञदान (सं. विल्यम द सिल्व)

नेमाळीं

Indian Literature
जागमाग
पयणारी
विशाल कोंकण
उदेव
जीवित
मित्र
जाग
सुनापरांत
राष्ट्रमत

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: Acc. No:

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on



WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: ना. फ्रा. देकोस्ता
(D)

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ________________

1. Books lost, torn, defaced, marked or dam aged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

चार्ल्स फ्रान्सिस ('चाफ्रा') देकोस्तान (1931-1992) कविता, नाटक, कथा, साहितीक विमर्सो, संशोधनात्मक लेख, पत्रकारिका, असल्या कोंकणी साहित्याच्या विविध प्रकारांनी आपली लेखणी झरयली. प्रमुख जावन तो एक श्रेष्ट कवी आनी नाटककार म्हण प्रसिद्ध जालो. बाकिबाब बोरकर, र.वि. पंडित, मनोहरराय सरदेसाय, लुविस मस्करेञ आनी मरिदास - ह्या प्रख्यात कोंकणी कविंचो समकालीन तो जावनाशिल्लो. 'चाफ्रा' म्हळळया लेखणे नांवानच तो कोंकणी संसारात वळकिचो जालो. मंगळूरांत जलमोन थंय आपलें शिकाप संपयतच तो मुंबय पावलो आनी थंयसर ल्हान एक नौकरी करून आसताना कोंकणी साहित्याक आपली जीण ताणे समर्पिली. कुटम आनी परिसरांतली दुरवळकाय पळेवन आनी भोगून जाणा आसल्ल्या ताचेर दाव्या पंगतिचें चिंताप प्रभाव घालूंक लागलें. ताचे सबार नाटक हाका साक्स जावनासात. जशें ताच्या कवितेंत कोंकणीची गिरेस्तकाय आनी संगीताची मोवसाण भरोन गेल्या तशें ताच्या गद्य साहित्यांत कोंकणी भाशेंतलो अलंकार आनी प्रभावी शैली उटोन दिसता. *भांगार मनीस, तरने तरने मोर्नें, शिरिगुंडी शिमांव* ताचे थोडे श्रेष्ट नाटक जावनासात. 1987 वरसा गोंयांत जाल्ल्या णवव्या कोंकणी साहित्य सम्मेळनाचो तो अध्यक्ष आशिल्लो. 1989 वरसा ताच्या *सोंशाचे कान* कविता संग्रहाक साहित्य अकादमी पुरस्कार लाभलो. 1992 वरसा मंगळूरांत तो मरण पावलो

प्रस्तुत पुस्तकाचो लेखक जे.बि. मोरायस (ज.1933) चाफ्रा देकोस्ताचो समकालीन मित्र, कवी, कथाकार, नाटककार, पत्रकर्त, जिणये-चरित्रकार आनी अनुवादक म्हण कोंकणी साहित्यांत वळकिचो जाला. *दिवो* सातोळयाचो स्थापक संपादक तो आशिल्लो. ताच्या *भितरलें तुफान* कविता-संग्रहाक साहित्य अकादमी पुरस्कार आनी महाराष्ट्र गौरव पुरस्कार लाभला. ताच्यो 11 कृतियो परगट जाल्यात. ताची संशोधित कृती *जोर्ज फेर्नांडीस - एक साहसी जीण* कोंकणींतली प्रथम राजकी जिणये चरित्रा जावनासा. 1951 थावन तो मुंबंयत वसती करून आसा.

Cha.Fra. DeCosta (Konkani), Rs. 25
ISBN 81-260-1041-X

22 भाशेंमधें पुस्तकां पर्गट करची साहित्य अकादेमी
संसारांतली अती व्हड प्रकाशन संस्था जावनासा